ब्लॉक

गोरख लता शिरसाट

ब्लॉक

गोरक लता शिरसाट



गोवा कोंकणी अकादेमी

ब्लॉक
(कथा संग्रह)

गोरक लता शिरसाट

प्रकाशन क्र. : 229

पयली उजवाडावणी :
26 मार्च 2022

टायपसेटींग :
रिया ग्राफिक्स,
ओल्ड गोवा,
तिसवाडी, गोंय - 403 002
मोबायल : 9881409237

छापपी :
लोकमान्य प्रोसेस,
खोर्लीम, तिसवाडी,
गोंय-403 005

मुखचित्र :
कलानंद कामत बांबोळकार

प्रकाशक :
सचिव,
गोवा कोंकणी अकादेमी
243, पाटो कॉलनी,
पणजी, गोंय - 403 001

मोल : ₹ 120/-

BLOCK
(Short Stories)

Gorak Lata Shirsat

Publication No. : 229

First Edition :
26 March 2022

Typesetting :
Riya Graphics,
Old Goa,
Tiswadi, Goa - 403 002
Mob. : 9881409237

Printer :
Lokmanya Process,
Khorlim, Tiswadi,
Goa - 403 005

Cover :
Kalanand Kamat Bambolkar

Publisher :
Secretary,
Goa Konkani Akadami,
243, Patto Colony,
Panaji, Goa - 403 001

Price : ₹ 120/-

(हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीचे वेंचीक पुस्तक प्रकाशन हे येवजणेखाला छापलां.)

आवयक...



गोवा कोंकणी अकादेमीचे वतीन

गोवा कोंकणी अकादेमी 'युवा कोंकणी साहित्य संमेलन' हो साहित्यीक उपक्रम 1998 सावन सेगीतपणान आयोजीत करीत आसा. केंपेंच्या शासकीय महाविद्यालयांत प्राचार्य भास्कर नायक हांचे कल्पनेंतल्यान ताची बुनयाद पडली. तेन्नाचे गोवा कोंकणी अकादेमीचे अध्यक्ष उदयबाब भेंब्रे हांणीय ती कल्पना उबारून धरली आनी अशे तरेन हें संमेलन आकाराक आयलें.

सर्जनशील युवा प्रतिभेक फुलपाक वाव दिवपी ह्या युवा कोंकणी साहित्य संमेलनांतल्यान जायते युवा कवी, कथाकार, निबंदकार, एकांकीकार, पटकथाकार घडल्यात. हे साहित्यीक वेदीचेर तयार जाल्ल्या उदयमूख बरोवप्यांचें साहित्य पुस्तक रूपांत हाडपाचें मोलादीक कार्य अकादेमी 2010 वर्सा सावन करता. युवा लेखकाचें पुस्तक निवडप, ताचेर संस्कार करप, तें छापप आनी ताचें प्रकाशन करप हें आमी आत्मितायेन केलां. युवा कोंकणी साहित्य संमेलनाचे खाशेले येवजणे अंतर्गत अकादेमीन दर एका संमेलनांत एका नव्या लेखकाक पुस्तक रूपांत वाचका मेरेन पावयला. तातूंत जायत्या तरनाट्या लेखकांचो आसपाव जाता. देखीक : जोफा गोन्साल्वीस हांचो

'निर्णय' (कथा झेलो), नरेश नायक हांचो 'गांवमन' (कथा झेलो), अमेय नायक हांचो 'मोग डॉट कॉम' (कविता झेलो), पुर्वा गुडे हांचो 'सपन साद' (कविता झेलो), स्मिता प्रभू चोडणेकार हांचो 'म्हुर्तमणी' (कथा झेलो), विल्मा बंटवाल हांचो 'मुखडीं' (कविता झेलो), प्रसाद पागी हांचो 'फ्लोटींग लायफ' (निबंद झलो), बबिता सांवत हांचो 'उगडास पटी' (निबंद झेलो), श्रद्धा गरड हांचो 'काव्य परमळ' (कविता झेलो) अश्या साहित्य झेल्यांचो आसपाव जाता.

आयज ह्या युवा कोंकणी साहित्य संमेलनाच्या माटवांत युवा कथाकार गोरक शिरसाट हांच्या 'ब्लॉक' ह्या कथा झेल्याचें प्रकाशन गोवा कोंकणी अकादेमी वतीन जाता ही खोशयेची गजाल. ह्या निमतान गोरकाक परबी. गोरक फाटल्या जायत्या संमेलनांतल्यान बरयत आयला. ताच्यो कथा वाचकांनी पसंत केल्यात. आशय विशयाची विविधताय ताचे ठांय आसा. म्हत्वाचें म्हणजे, ह्या कथा झेल्यांत साबार नवे प्रयोग लेखकान केल्यात. कोंकणी कथा साहित्यांत हो झेलो सकारात्मक भर घालतलो अशी आस्त आसा.

हे घडणुकेंतल्यान हेर युवा बरोवप्यांनी स्फूर्त घेवंची अशें सांगन दिसता. गोवा कोंकणी अकादेमी विंगड विंगड येवजण्यो राबयता. तातूंत नवोदीत बरोवप्यां खातीर 'पयलो चंवर' आनी 'युवा साहित्य संमेलनाची खाशेली प्रकाशन येवजण' ह्यो म्हत्वाच्यो आसात. ह्या येवजण्यांचो तरनाट्या बरोवप्यांनी फायदो करून घेवंचो अशें आवाहन हांव ह्या समयार करतां.

– प्रा. अरूण साखरदांडे

अध्यक्ष, गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी गोंय



थोडेंशें कथे विशीं आनी म्हजे विशीं....

साहित्य आनी मनोरंजनाचे सगळे प्रकार म्हाका वाचपाक आनी पळोवपाक आवडटात. तातूंच चड जर खंयचे आवडटात आसत जाल्यार ते म्हणजे कविता, कथा, कादंबरी, नाटक आनी फिल्म. ह्या सगळ्या साहित्य प्रकारांचो अभ्यास सदांच चललेलो आसता. वेगवेगळ्या सर्जनशील लोकांचें कलात्मक कार्य पळोवप, तातूंतल्या आशय विशयाची खोलाय समजून घेवप, ताचेर चर्चा करप, तांची सृजन प्रक्रिया समजून घेवप आनी कोंकणींतल्यान तिची अर्थावणी करपाक म्हाका खूब आवडटा. साहित्यांतल्यान समाजाचो सोद घेवन मनीस समाजाच्या अंतीम सत्याचो सोद घेवपा कडेन हांव सदांच चड भर दितां. अभिव्यक्तीचें माध्यम कसलेंय आसूं. उत्कटतायेन समाजीक वास्तव दाखोवपी कलात्मक सत्य म्हाका आयज मेरेन कलेकडेन आनी पर्यायान समाजाकडेन आकर्शीक करीत आयलां. हीच प्रक्रिया म्हजी लेखन करपा फाटली केन्ना प्रेरणा जाली हें कळ्ळें ना.

साहित्याचे सर्जनशीलतायेक आनी अभिव्यक्तीक आयज मेरेन हांवें खबरांपत्रां, कोंकणी नेमाळीं, यु ट्यूब, फेसबूक सारकिलीं माध्यमां

वापरल्यांत. पूण ह्या सगळ्या माध्यमां भायर आनीक एक माध्यम आसा जाणें म्हाका आनी म्हज्या सारक्या असंख्य युवा कोंकणी बरोवप्यांक साहित्यांतल्यान अभिव्यक्त जावपाक खूब व्हडली माची दिल्या. ही माची म्हणजे युवा कोंकणी साहित्य संमेलन.

हांव युवा साहित्य संमेलना कडेन जुडलों तो 2007 वर्सा सावन. एम.ए.क आसतना पयलेच फावट हांवें एक कविता बरोवन धाडलेली. फुडें केपेंच्या शासकीय महाविद्द्यालयांत जाल्ल्या युवा साहित्य संमेलनांत म्हाका आयोजनांत सचीव म्हणून वावुरपाची संद मेळ्ळी. रोखडेंच 2012 वर्साक फोंडेच्या पी.ई.एस. महाविद्यालयांत आयोजीत जाल्ल्या युवा साहित्य संमेलनांत हांव परत एक फावट वावुरलों. पूण ह्या सगळ्या बोवाळांत लेखन खंयच थांबलें ना. 2011 कोंणकोण माशें हांगा जाल्ल्या युवा साहित्य संमेलनांत म्हजे 'ब्लॉक' हे कथेक दुसरें इनाम फावो जालें. 2013 वर्साक कुंकळेच्या सी.ई.एस. महाविद्यालयांत जाल्ल्या युवा साहित्य संमेलनांत म्हजे पटकथेक पयलें इनाम फावो जाल्लें हाची खोस मनांत तशीच आसा.

पूण इतल्यान हें नातें सोंपलें ना. जाल्यार फाटल्या साबार वर्सांनी कितल्याशाच विद्यार्थ्यांचें साहित्य संपादीत करून आनी ताचेर संस्कार करून तें संमेलनांच्या सर्तींनी जैतिवंत केल्ल्याचें म्हाका मुजरत सांगचें दिसता.

युवा साहित्य संमेलनाक दिर्घ काळाची युवा लेखकांची परंपरा लाभल्या. हे परंपरेन कोंकणी साहित्याक युवा बरोवप्यांची एक नवी पिळगीच जल्माक घातल्या. कोंकणी भाशेची भाशीक तशेंत साहित्यीक चळवळीची घुडी आयज ही पिळगी आपल्या भुंजार घेवन नेटान फुडें वतना दिसता. हेच परंपरेंत ह्या वर्साच्या युवा साहित्य संमेलनाक म्हजो पयलोच कोंकणी कथा संग्रह प्रकाशीत जाता हाची उपाट खोस आसाच तितलीच जबाबदारेचीय जाणविकाय लेगीत आसा.

कथा लेखनांत साबार कोंकणी कथाकारांक हांव म्हजे मार्गदर्शक मानतां. जातूंत श्री. पुंडलीक नायक. श्री. महाबळेश्वर सैल, श्री दामोदर मावजो हांचीं नांवां मुखेलपणान घेवचीं दिसतात. हांचे भायर मुंशी प्रेमचंद, सआदत हसन

मंटो, दि. बा. मोकाशी, रणजीत देसाई, शंकर पाटील, पु. ल. देशपांडे, जी. ए. कुलकर्णी, आंतोन चेखोव, एँडगर एँलन पॉ, ओ. हेनरी साबार भारतीय आनी संवसारीक लेखकांकडल्यान हावें स्फुर्त घेतल्या.

फाटल्या लागीं लागीं पंदरा वर्सांच्या ल्हानशा साहित्यीक प्रवासांत म्हज्या हातांतल्यान कांय कविता, चारोळी, कथा, साबार पथनाट्यां आनी नाटकुलीं कागदार आकाराक आयलीं. हांचेंय संकलन आनी प्रकाशन फुडें रोंखडेंच जातलें. पूण हातूंतल्या म्हजे कथेक कथा संग्रहांत येवपाची संद इल्ली बेगीन फावो जाली हाचें श्रेय सगल्यांत पयलीं म्हजे इश्ट आनी गोंय विद्यापिठाच्या कोंकणी विभागाचे मुखेली, कोंकणी लेखक, समिक्षक, आनी संशोधक डॉ. हनुमंत चोपडेकार हांकां वयता. तांच्या फुडारपणा बगर आनी मार्गदर्शना बगर हें शक्य जावचें नासलें. तांकांच लागून हो कथा संग्रह आकाराक येता. दुसरे सुवातेर ह्या कथा संग्रहाक आपले मेलादीक विचार मांडून प्रस्तावना बरोवन दिवपी कोंकणींतले कथा लेखक आनी लोकवेदाचे अभ्यासक तशेंच साहित्य अकादेमीचो बाल साहित्य पुरस्कार जैतवंत कोंकणी कथाकार डॉ. प्रकाश पर्येकार हांचो म्हाका आदर आनी दिनवास. हो कथा संग्रह उजवाडावपाक सगळे तरेचो तंत्रीक आदार करपी युवा साहित्य संमेलन आनी गोवा कोंकणी अकादेमी हांच्या आदारा बगर हें शक्यूच नासलें. हांव सदांच तांच्या उपकारांत रावपाक सोदतां. तिसरे सुवातेर म्हजो इश्ट आनी युवा साहित्य अकादेमी पुरस्कार प्राप्त कोंकणी लेखक श्री. नरेश नायक हाची हो कथा संग्रह येवपा फाटल्यान सदांच प्रेरणा आसा.

लेखन आनी सृजन प्रक्रियेक कलात्मकता जितली गरजेची तितलेंच तिचे वांगडा समाजभानूय आसप गरजेचें. सामाजीक भान दवरू नाशिल्ली कला आनी सृजनशीलताय समाजाक कितें दितली? हाचें भान दवरून म्हजें कथा लेखन करपाचो हावें प्रामाणीक प्रयत्न केला. ह्या ल्हानशा प्रयत्नाचें मोल कोंकणींतले वाचक थारायतले ही अपेक्षा.

गोंयचेर, गोंयच्या भौसाचेर, गोंयच्या संस्कृतायेचेर आनी सैमाचेर खूब मोग. गोंयांत दर खेपे नव्या वांठारांनी भोंवप. लोकां कडेन उलोवप, कोंकणी

भाशा दिसान दीस शिकप, लोक उत्सवांनी वचप, रान भोंवड्यो करप, फोटो काडून संग्रहाक दवरप आनी साबार माध्यमांतल्यान गोंय समजून घेवपाचे हांव सदांच प्रयत्न करतां. हीच प्रक्रिया लेखन करपाक उर्बा दिता आनी फुडली वाट दाखयता.

म्हजो राबित्याचो वांठार सांवड्डें आनी ताच्या भोंवतणचो मायनींग वेवसायाचो भाग. ह्या पुराय वाठारा कडेन म्हजें खूब आत्मियतेचें नातें आसा. भुरगेपणांतल्यान पळयल्लो मायनींग चलतालें तो काळ आनी मागीर बंदी जाल्या उपरांतचो काळ. हे परिस्थितीक हांकां हांवें म्हज्या लेखनांतल्यान चित्रावपाचो प्रयत्न केला. ह्या वाठारांतलें लोकजीवन, मीन वेवसाया कडलो संबंद आनी आर्थीक वेवस्थेची जाल्ली दैना म्हज्या कांय कथांचें केंद्र आसात. ह्या वाठारांत इतल्या वर्सां सावन उप्रासलेले हे परिस्थितीन एक संवेदनशील मनीस म्हणून म्हाकाय खूब अस्वस्थ केला. ते अस्वस्थतेक साहित्यांतल्यान वाट मेकळी करपाचें काम हांवें केलां. कोंकणी कथेंत हे विशय नवी भर घालतले अशी आस्त बाळगितां. म्हजे आवयन ल्हानपणाच्यान म्हाका खूब बरे संस्कार आनी देखी घालून दिल्यात. कांय खर अणभव दिल्यात. आयज तिका वचून सुमार सतरा वर्सां जाल्यांत. पूण तिणें दिल्ल्या अणभवांचें एक मोठें भांडवल म्हाका लाभलां तेंय लेखन करपाक सदांच प्रेरणा दीत आसतात. सांवड्डें सारकिल्ल्या वाठारांत रावतना आयिल्ले कांय वेंचीक अणभव हांवें शब्दांनी प्रकट केल्यात. हांगचो सैम, भोंवतण, जनावरां हिंवूय सदांच बरोवपाक उर्बा दितात.

ह्या संग्रहांतल्यो कथा फॅक्ट आनी फिक्शन ह्या तत्वार रचून जाल्यात. देखून लोकजीवन, लोकसमज, लोकविश्वास तातूंत आसा तशेच आयल्यात.

एकूण कोंकणी साहित्य, आनी तातुंतले वेगवेगळे प्रवाह पळयत जाल्यार कोंकणी साहित्याक मुळांतूच वास्तववादी विचारधारेची बुनयाद आसा. पूण कोंकणी साहित्यांत फिक्शन लेखनाक तसो आदार आनी मुळावण गावलें ना. हेच धर्तीचेर कोंकणींतल्यान फिक्शन स्वरुपांत कथा बरोवपाचो एक ल्हानसो प्रयत्न केला. कोंकणी कथेच्या मळाचेर हावें कांय प्रयोग करपाचो

प्रयत्न केला. हातूत मुखेलपणान भंयकथा हो विशय मांडपाचो प्रयत्न केला. तशेंच मनोविश्लेशणात्मक कथाय बरयल्यात. तशेंत आयचे पिळगेंतल्या तरणाट्यांचे आचार विचार आनी वेव्हार समजुपाचो प्रयत्न केला.

गोंय, गोंयची संस्कृताय, भाशा, साहित्य, राजकारण, समाजकारण, सैम, इतिहास, पर्यटन वेवसाय, शेती वेवसाय, मायनींग वेवसाय हांकां पिडपी वेगळे वेगळे सामाजीक, पर्यावरणीय आनी आर्थीक प्रश्न निमार्णे कोंकणी मनशाच्या अस्तित्वा कडेन येवन जुडटात. हे सगळे मुद्दे सदांच म्हज्या अभ्यासाचे विशय थारल्यात. ह्या आनी अशाच साबार विशयांक आसपावन घेवपी आनीक साहित्य म्हजे लिखणेंतल्यान आनी अभ्यासांतल्यान येतलें असो हावेस बाळगितां आनी ह्या पयल्या वयल्या कथा संग्रहाक कोंकणी वाचकांचे स्वादीन करतां. कोंकणी वाचकांचो बरो प्रतिसाद मेळचो अशें आंवडेतां.

– गोरक लता शिरसाट
सांवर्डें–गोंय



कथेच्या मार्गार ल्बॉक'
पडपाक दिवया नाका...

युवा कोंकणी साहित्य संमेलन आयोजीत कथा सर्ती वेळार एक परिक्षक ह्या नात्यान ''ब्लॉक'' ही कथा वाचपाक मेळिल्ली. दुसरें इनाम फाव जाल्ले ते कथेचेर कार्यशाळेंत चर्चाय जाल्ली. 2011 वर्सा माशें काणकोण हांगां साहित्य संमेल्लन जाल्लें. नवोदीत बरोवप्याचें पुस्तक प्रकाशन ह्या गोवा कोंकणी अकादेमीच्या उपक्रमाखाला 'ब्लॉक' ह्या नांवान गोरक सिरसाट ह्या युवा लेखकाचो कथा संग्रह प्रकाशीत जाता ही खोशेचेयी गजाल.

कोंकणीयुवा साहित्य संमेलनाक सुरवात जाल्यार दोन दशकां जालीं. ह्या वीस वर्साच्या काळांत शेंकड्यानी युवा बरोवपी ह्या संमलेनाच्या माटवांत आपली हजेरी लावन गेल्यात. तातुंतले कांय चंवरले, परमळ्ळे आनी नांवा रुपाक आयले... गोरक शिरसाट आपल्या ह्या कथा संग्रहाच्या रुपान कोंकणी कथेच्या मळार आपलें सशक्त पावल दवरता ताका आमी येवकार दिवया.

विशय आनी आशयांतल्यान आपल्या साहित्यांतल्यान वेगळें कितें तरी सांगपाचो यत्न करता ताचे कडेन वाचकांचें सदांच लक्ष आसता. नव्यो जाणिवो आनी नवी समाजवेवस्था. समांजतली विशमता आनी विसंगती.

बदलतें समाजमानस आनी फुडाराची चिंता वा हुस्को. ह्या सगळ्यांचो वेध घेवपी लेखक सदांच उजवो थारता. गोरक शिरसाट हो तिसरे पिळगेंतलो नवोदीत लेखक चाकोरी भायर वचून आपले कथेच्या माध्यमांतल्यान नवें कितें सांगपाचो यत्न करता ही कोंकणी कथे खातीर बरी गजाल.

केंपें, कुडचडें आनी सावर्डें हो गोंय राज्याच्या दक्षीण पुर्वेकडलो वाठार. ह्या वाठारांतल्या कोंकणी लेखकांनी कथनात्मक साहित्यांत सदांच कितें तरी वेगळें दिवपाचो यत्न केला. साहित्य निर्मिती साधनेचे विवीध पैलू तांच्या साहित्यांत दिश्टी पडटात. तातूंत अशोक कामत, डॉ. जयंती नायक, वसंत भगवंत सावंत, विठ्ठल आंवदियेंकार, रजनी भेंब्रे, एन. सुहास आनी हेरांचो तातूंत आस्पाव जाता. मध्यमवर्गांचे प्रस्न आनी ग्रामीण जिवनाचेर तांच्यानी केल्लें भाश्य कोंकणी साहित्याक एक वेगळो आयाम दिता. गोरक हेच परंपरेंतल्यान मुखार येता ही आशादायी गजाल.

हो परिसर विवीध खाशेलपणांनी भरला. थंयचीं देवथळां, दोंगर, उत्तीं मळां, शेतवड आनी बागायती लक्ष वेधून घेतात. त्या परिसरांतल्यान व्हांवपी जुवारी आनी कुशावती न्हंयो हें आमचें संचीत. अदीम लोकसंस्कृतायांच्यो कुरवो त्यो. तांच्या परिस्पर्शान थंयचें लोकजिवन रुजवणा आयलां.

ह्या वाठारांत विकासाचें एक पावल पडलें तें 1880 वर्सा कुडचडें-सावर्डें हांगा घातिल्ली रेल्वे लायन. रेल्वे लायनीक लागून ह्या भागाक म्हत्व प्राप्त जालें. तें मुखेल केंद्र म्हूण विकसीत जावंक लागलें. कामाच्या निमतान लोक त्या भागांत स्थलांतरीत जावंपाक लागले. कालांतरान थंयचो परिवेश बदल्लो. दुसरें म्हत्वाचें कारण घडलें तें म्हणल्यार खनीज उत्खनन. ह्यो दोनूय गजाली एकामेकाक पुरक थारल्यो. सुक्या वांगडा वलेंय जळ्ळें. पर्यावरणा संदर्भांत निर्माण जाल्लो धोको आनी समाजमानसांत जाल्ल्या बदलाक लागून थळावे लोकसंस्कृतायेंत घडून आयिल्ले अमुलाग्र बदल काळ आडावन धरूंक शकलो ना.

रेल्वे, ट्रक आनी बार्जींच्या माध्यमांतल्यान जाल्ले खनीजाचे वाहतुकेक लागून अनेक प्रस्न भेडसावपाक लागले. त्या वाठारांतल्यो खणी बंद पडचे

पयलीं थंय मोठ्या प्रमाणांत उत्खनन जातालें. म्हालान उपाट भरिल्ले हजारांनी ट्रक येरादारी करताले. काळाची गती आनी त्या ट्राकांची गती कोणाच्याच हातांत नाशिल्ली. हाचोच विपर्यास म्हूण रस्त्यार दिसपट्टे जाल्ले असंख्य अपघात आनी तातुंतल्यान घडपी तीं मर्णां... गोरक सिरसाट हो नवोदीत लेखक आपलें लक्ष हे समस्ये कडेन व्हरता. ''ब्लॉक'' आनी ''वेग'' कथा ताची उत्तम देख.

गुरवार आशिल्ली ती अस्तुरी आनी संवसार पळोवंपाक आतूर आशिल्लें तें बाळक त्या मानव निर्मित ब्लॉकांत सांपडटात. खनीज ट्रकांची रस्त्यार लांबचे लांब रांग आनी दुसरे वटेन गुरवार अस्तुरेक हॉस्पिटलांत व्हरतना जाल्ल्यो मानसीक आनी शारिरीक वेदना नकसूद हे कथेंत चित्रायल्यात. मागीर त्या दोंगांयचें 108 गाडयेंत जाल्लें मरण काळजाक स्पर्श करून वयता. मर्णाक लेगीत थरथरो हाडपी सत्य लेखक हांगा मांडटा.

ह्या घडणुकांचेर कोणाचेंच लक्ष ना. राजकारणी आनी ह्या वेवसायांत पडिल्लो जण एकलो हाका जबाबदार आसा. ''आमचें राजकारणी आनी पुराय राजकारण सद्या ब्लॉकांत पडलां.'' ''राजकारणांतलो ब्लॉक जर सुटलो जाल्यार हो बलॉक सुटपाक शकता.'' अशी सुचक टिप्पणी लेखक हे कथेंत करता. ''वेग'' हे कथेंत चेतन नांवाचो शिक्षक खनीज घेवन वचपी ट्रका पोंदा पडून चिड्डून मरता. आपल्या पुताच्या वाडदिसा घडिल्ली ही शोकात्म घटणा वाचकांक विचार करपाक लायता.

''ड्रायवर'' ही कथा मायनींगाचो म्हाल ओडपी ट्रक ड्रायव्हराचें भावविश्व चितारता, जाल्यार ''निर्णय'' ही कथा गोंयांत मायनींग बंद जाले उपरांत निर्माण जाल्ले परिस्थितीचेर भाश्य करता. ही कथा शिवानंद ह्या पात्राची जाल्ली मनोअवस्था तत्कालीन परिस्थितीक धरून आयल्या. गोंयांत बेकायदेशीर उत्खनन आनी पर्यावरणीय नियमांचें उल्लघन केल्ले खातीर 2012 वर्सा खनीज खणी बंद करपाचो वटहुकूम आयलो. मायनी बंद जाल्यो खऱ्यो पूण ह्या वेवसायाचेर आदारून जगपी असंख्य सर्वसामान्य लोकांचे हाल जाले. कबाड कश्ट करून हाताच्या पोटार जगपी तशेंच विलासी

जिवन जगपी लोकांचे जाल्लें जिवनपरिवर्तन लेखक हांगां अधोरेखीत करता. एका काळार मायनींगेच्या दुडवांक लागून बेभान जाल्ली तरणाटी पिळगी, असंख्य व्यसनां आनी ताका लागून मानवीमुल्ल्यांचो जाल्लो ऱ्हास... आनी अधोगती मन सुन्न करता. एक वास्तव सत्य ह्या मायनीक वाठारांतल्या लोकांनी भोगलां.

बदलत्या सामाजीक जिवनाचें हें एके तरेचें दस्ताएवजीकरण आसा. प्रर्यावरणाचे नेम मोडून चलिल्ल्या ह्या वेवसायाक लागून गोंय राज्याचो अर्थीक कणो कसो मोडून पडटा हो एक स्वतंत्र अभ्यासाचो विशय आसा. कादंबरी होच साहित्य प्रकार ह्या विशयाक बरे तरेन न्याय दिवंक शकता. मायनींग वांठारांत राबितो करून आशिल्ल्या आनी प्रत्यक्ष अणभव घेतिल्ल्या लेखकांनी हें आव्हान स्विकारपाक जाय.

''काजी'' हे कथेंत शाळेंत वचपी विद्यार्थ्याचें भावविश्व चित्रीत केलां. आपली बायल आनी धुवेच्या मर्णाचें दुख्ख काळजांत साठोवन जगपी ''जुवांव'' हे कथेतलें जुवांव हें पात्र वाचकांच्या मनाचो वेध घेता. ''डेट'' हे कथेंत जुवान चली आनी चल्याच्या मानसिकतायेची खपली निखळायताना मनाक जाल्ल्या वेदनेचो अणभव वाचक घेता. काळ बदल्ला. मनां कलुशीत जाल्यांत. संशयाचीं जळमटां लोंबपाक लागल्यात. मानवी संबंद हे तात्पुरते उल्ल्यात. तांकां दिर्घ पाल्ल्याची वाट चलपाची हो संकेत ही कथा दिता.

म्हाजो मिलेर भल्लो काय तुवें नवें वायल घेवप. कळ्ळें मगे?'' बापूय नाशिल्ल्या गौतम ह्या भुरग्याक ल्हान वयांतूच जाल्ली ही जाणीव. आपल्यो सगळ्यो इत्सा मारून गौतम हो भुरगो ''एका रुपयाची गजाल'' हे कथेंत वयलें विधान करता. ''सांडिल्ली गाय'' हे कथेंत आपल्या पाडकुल्याविशीं आशिल्ली मातृत्वाची भावना लेखक अधोरेखीत करता.

हो तरणाटो लेखक आपल्या वांठारांतल्या नव्या विशयांचो सोद घेता. तांचें तो निरिक्षण करता. जें भावलां तें तो कथेंत मांडपाचो प्रयत्न करता. ह्या आमच्या भारत देशांत हजारांनी 'अनटोल्ड स्टोरीस' आसात. आमी त्या घटणा-प्रसंगा मेरेन पावच नात. त्या वेदनांचे हुंकार आमकां आयकूंक

येवंक नात. जायते फावट आपली काणी सांग म्हूण पात्रांच लेखका मुखार येवन उबीं रावतात. कांय वेळा लेखकाक त्या पात्रां मेरेन पावपाक उलटो प्रवास करचो पडटा. आमी कोंकणी लेखकांनी ह्या उलट्या प्रवासचे मानकरी जावंक जाय. आमकां नवें आनी बरें कितें तरी वाचपाक मेळटलें.

ह्या जगांत भुतांचें अस्तित्व आसा हें लेखकान सांगप बरोबर दिसना. पूण ग्रामीण समाजमानसांत भुतांचें वास्तव आसा. असंख्य कल्पीत काणयोय आसात. दैवी आनी अद्भूत शक्तेचो वावर आमचे भोंवतणी आसा अशें मानपी कांय लोकूय ह्या जगांत आसात. ह्या संग्रहांत ''रातच्या धाचो शो'' नांवाची भंय कथा आसा. कोंकणींत अश्यो भंय कथा वाचपाक मेळनात. लेखकान हो ह्या संग्रहांत जाणिवपुर्वक केल्लो यत्न आसा.

'ब्लॉक' ह्या कथा संग्रहांत वट्ट इकरा कथांचो आस्पाव जाला. ह्यो कथा लेखकाची वळख घेवन येतात. लेखकाचो एक अणभवाचो परीघ आसा. हाचे मुखार ह्या परिघाचो आनीक विस्तार जातलो आनी जावंचो अशी आशा व्यक्त करतां. तशेंच कथेच्या विशयाक आनी ताच्या आशयाक अदीक खोलाय फाव जातली तेन्ना गोरकाची कथा सगळ्या आंगांनी आनीक सक्षम जातली. गोरका कडेन ती तांक निश्चीतूच आसा. कोंकणी कथेच्या मार्गार 'ब्लॉक' पडपाक दिवया नाका... सगळ्यो आडखळी पयस करून कथेक मेकळी वाट करून दिवया...

– डॉ. प्रकाश पर्येंकार

मांडावळ

1.

जायो

“पुताऽऽ.”

“जायां पोड व्हर मरे.”

“नाका आई.”

“एकूच पोड उल्ला. आवयक दी मरे तुजे, माळटली ती.”

“बरें. दी तर.”

“कितले दिवपाचे?”

“निमाणो उल्ला रे पुता. बेश्टो म्हारग सांगोन किदें मेळटलें? आशिल्ले सगले तीस रुपयांक दिले. तूं धा उणे दी.”

“तुजो दीस बरो आसा आई. म्हजे कडेन मोडीचे तीसूच आसात. हे सगले दवर तूं. दी तो पोड.”

“आनी घरा वचपाक पयशे आसा मरे?”

“हय गे बॅगांत आसा थोडे. तूं हे दवर.”

“हो घे, आनी दी हां तुजे आवयक.”

“पोडाचो ल्हान पुडो करून तो म्हज्या बॅगांत एके खाचींत खोवन हांव

घरा येवपाक भायर सल्लों.''

घरा पावपाक येतालों तशी तशी म्हजी उमळशीक वाडत वयताली. जायांचो पुडो आनीकय वासाळ जायत चललेलो. फुललेल्यो जायो आनी आवयचें जायां सारकेंच फुललेलें तोंड दोळ्यां मुखार आनीकय उजळ दिसपाक लागलेलें. जायांचो घमघम बसलेले कडेन कल्पनेंतूच म्हजें मन धादोशी करपाक लागलेलो. ह्यो जायो माळ्ळ्या उपरांत ती सामकी मखरांतली देवता कशी सोबून दितसली म्हणपाचे चिंतून हांव भितरले भितर सूख घेतालों.

''खंय वयता तूं बाबा आता असो दनपारचो? तळमळत इश्कोलांतल्यान येयला तो जेवन मातसो बस तरी न्हू.''

''ना. जायो काडपाक वयतां. येवन मागीर शिकपाक बसपाक जाय.''

''आरे पूण सांजचो चल मरे, तुगेल्यो जायो कोण व्हरना त्यो. फकत त्या जायांचें पिशें तेका.''

''नाका गे. हांव सांजचो गेलों जाल्यार दनपरां येवन तीं शेजारचीं बायलां हळूच येवन जायो काडून व्हरतात. मागीर आमकां कांय मेळना. सद्दां तेंकां दिल्यार मागीर तुवें कितें माळपाचें?''

''बरें बाबा चल. पूण बेश्टोच त्या अस्कडान हात घालू नाका हां. काल कांटे वोडून येयला आंगाक. हात पांय सांबाळून, थंय हूल जालां.''

''कांय जायना गे.''

ल्हान आसतना जायो काडपाची उमेदूच वेगळी आसताली. उमेदीचें व्हडलें कारण, त्यो जायो मागीर म्हजी आवय माळपाची आसताली. आनी केन्नाय चड मेळ्यो जाल्यार दोन पोड गुंथून मागीर तो कुळदेवीच्या फोटवाक घालताली. जायांचे कळे काडटना मदींच जर एक कालची फुल्लेली जाय मेळी जाल्यार तिचो वास नाकांत भरून दोन खीण थंयच त्या वासांत विरून वचप. हें करपाक हांव जायो काडपाक वयतालों.

जायो काडून हांव त्यो अर्जुनाच्या खोल्यांच्या दोण्यांत घालून ल्हवपीक गुटवलावन, एक्क जाय खंयच सांडय नासतना घरा घेवन येतालों. आमच्याच

घरा लागीं खूब वसौं फाटीं म्हजे आवयन आमच्याच मालकीच्या एका जाग्यांत एक पोरसूं केल्लें.

थंयच हांवें आनी तिणें मेळून ह्यो जायो लायल्ल्यो.

"आयज हांवूंय केळी दोरान तुज्या वांगडा बोसोन जायो गुत्तलों हां गे. म्हाका तूं दोशीं वटांनी जायो हातांनी धरून गुत्ता त्यो खूब आवडटा. म्हाकाय तशीच गांठ मारपाक शिकय."

"भितर फाटल्यान कळशेर फुगोवन दवल्ल्या ती केळीची वावळी आसा घेवन यो."

"ही घे."

"जायो हातान गुंथपाक पयलीं दोन जायो मरे अशो दोशीं धरप आनी वावळेन तेंकां वयल्यान नाजूक फेरो मारून सवका वोडप. अशीच एक एक जाय मागीर धरीत वचप आनी गांठ मारप."

"दी. हांव करतां."

"हो दोर घे. पूण नेटान वोडप ना. जायो तुट्टल्यो आनी पाड जातल्यो."

"मां हें पळय कितें जालें."

"कितें केलें?"

"दोर नेटान वोडलो. ती गांठ घुस्पली आनी..."

"दी हांगा. फाल्यां कर मागीर चड जायो हाडटलो तेन्ना..."

"बरें हांव म्हाज्या पांयाच्या आंगठ्याक दोर घालून गुत्तां. म्हाका ती गांठ बरी कळटा."

"तुवें पांयाक लावन गुंथलेलो पोड देवाक घालपाक मेळचो ना हां मागीर म्हाका."

"नाका मेळों. हांव तो तुका दितलों. तूं माळ, तुका माळपाक मेळटलो मगे?"

"हय."

"तशें जाल्यार हांवें गुंथल्या त्यो जायो तुका हांवूच माळटलों."

गुंथलेल्यो जायो मागीर ती तश्योच खोल्यांत गुटलावन तिनसांजे मेरेन

फुलपाक दवरताली आनी आमी दोगांय मोठे उमळशीकेन त्यो फुलपाची वाट पळयतालीं. तीनकातरेर जायांचो आयल्लो भार खरेंच पुराय घरांत प्रसन्न आनी खोशेचें वातावरण पसरायतालो. तो घर भर पसरलेलो परमळ खंयच्याय म्हारगेल्या परफ्युमाक लेगीत फाटीं वडयतालो.

''जेवली ना तूं आजून?''

''ना तुकाच रावतालें. तुका वेळ कित्याक जालो आयज. हरशीं बेगीन पावता न्हू तूं?''

''कॉलेजींतल्यान भायर सल्लों पळय, शिरोड्यां पावलों तेन्ना फ्रेंड अमाशेक देंवले. तेंच्या वांगडा हांवूय देंवलों. देवळांत वोचोन येयलों. बशीक रावल्लों थंय तुजे आवडीचीं तंवशीं घेतलीं. आनी मागीर थंय किदें जालें जाणां?''

''किदें जालें?''

''एक जाण्टेली आई म्हाका जायो व्हर म्हणपाक लागली. एकूच निमाणो पोड उल्लेलो तिजे कडेन तुजे आवयक लागोन व्हर म्हणपाक लागली. खूब जाण्टी आशिल्ली गे ती बाबडी. सोमतेच आसले ते तीस रुपया काडून दिले तिका आनी हो निमाणो जायां पोड तुज्या खातीर घेतलो. यो तुका हाडला तसो माळटां.''

''आरे बाबा पयलीं कपडे तरी बदल, हात पांय धू. जेव. जायो मेळ्यो काय आनी कांय नाका तेका. आतां तो कसोच आयकोपाचो ना कोणेंय सांगलें म्होणोन.''

जायांचो पोड मोठे उमळशेकेन म्हज्या बॅगांतल्यान भायर काडून हांवें तो आवयच्या फोटवाक घातलो आनी पांय पडून मागीर हांव जेवपाक भितर गेलों.

●●●

2.

ब्लॉक

“आईऽऽऽऽ! आईऽऽऽऽ! बेगीन फुडल्यान योऽऽऽऽ!”

चौकांत बसलेल्या वैभवान काचाबूल जायत भितोडेक आशिल्ले आईक उलो माल्लो. ते सरशीं ती आयदनां थंयच सांडून फुडल्यान धांवून आयली.

दिवाणार बसलेले कडेन अचकीत वेणो सुरू जाल्ल्या छायाक पळोवन कोणूय भियेतलो आसलो आनी तें तर आवयचें काळीज. बाळंतपण सोंसतना कितें जाता हें तर एक आवयूच जाणा.

“आईऽऽऽऽ! आईऽऽऽ!” म्हणत छाया पोटाक दोनूय वटांनी धरून आड पडपाक लागलें. पयल्या खिणाक ताचे आईक कितें करचें तें कळ्ळें ना. छायाच्या बाबाक आपयतली म्हणल्यार तोवूय कामाक वचून खूब वेळ जाल्लो. तिणें वैभवाक आनी शेजारच्या सुजयाक सांगून गाडी काडपाक सांगली. तशी तिणें आदींच हाची तजवीज करून दवरलेली. पूण नेमको त्याच दिसा सुजय घरा कडेन ना जालो. तो इश्टा वांगडा खंय तरी भायर सरलेलो.

वैभव परत आयलो तेन्ना ताचे वांगडा शेजारचीं दोन तीन बायलांय आयल्लीं. गाडी ना म्हणून तांकांय खिणाक कितें करचें लक्षांत आयलें

ना. तांचे मदलें नयन इल्लें शादूर आसलें. ताणें आनीक वेळ करिनासतना गौतमाक 108 ऍम्बुलन्सीक फोन करपाक लायलो. तशी रोखडीच कुडचडें भलायकी केंद्रा वयल्यान 108 भायर सरली.

वैभवाचो इश्ट रतीश त्या दिसा तांगेर आयल्लो. ते दोगूय मडगांव एम्प्लॉयमॅण्ट एक्सचेंजींत वचपाचे आसले. छायाची परिस्थिती पळोवन आपणालें त्या दिसाचें काम दुसऱ्या दिसार घालून तोवूय वैभवाच्या सांगाताक येवंक भायर सरलो.

हरशीं कुडचड्या वयल्यान सांवड्ड्यां धड्यार गाडयेन पावपाक फकत धा-पंदरा मिण्टांचो रस्तो आसलो. पूण हालींच्या तीन चार वर्सांक धडेकारांक, कापशेकारांक आनी चड करून सांवड्डेकारांक होच रस्तो काडपाक अर्द वर तें पावूण वर तरी लागतालें. आनी व्हडली गाडी आसल्यार घरांतल्यान गाडयेन वच्चे बदलाक घराच रावचें वा चलत गेल्यार बेगीन पावतले अशी परिस्थिती निर्माण जाल्ली. चलून वा गाडयेन येतना वतना तांबड्या काळ्या धुल्लाचो रांप आंगा-तोंडार बसतालो. आनी पलतडीन वचपाक पर्यायान हो एकूच रस्तो आसलो. कशेय जरी गेले तरी हो धुल्लबंबाळ जाल्लो रस्तो माड्डिले बगर कोणाकूच दुसरो मार्ग नासलो.

ह्या सगल्याचें एकूच मुखेल कारण आसलें तें म्हणल्यार ट्रॅफीक ब्लॉक.

घराच्या आंगणांतल्यान रस्त्याचे दोनूय वटांनी लांबचे लांब उबें आशिल्लें इस्कळ अशें ट्रकांचें रोमट दिश्टी पडटालें. मदीं कांय बशी, रिक्षा आनी मोटारसायकली मेळटा ते खाचींतल्यान वाट काडटना दिसताल्यो. आयल्यान आशिल्ल्यो गाडयो थोड्यो भोव स्पश्ट दिसताल्यो. पूण पुराय रस्त्यार पडिल्ल्या तांबड्या धुल्लाच्या धुक्याक लागून पयसुल्ल्यान कसली गाडी येता वा वता हें समजुपाक मातशें भुवयो ताणूनच पळोवचें पडटालें.

ह्या येद्या व्हडल्या दोनूय वटांनी पडिल्ल्या ब्लॉकांतल्यान 108 बेगीन कशी पावतली होच प्रस्न मनांत घेवन कोण भायर-भितर पासयो मारतालीं, तर कोण छायाक थातारीत 108 ची वाट पळयत आसलीं. पूण ब्लॉक

सुटपाचीं लक्षणां दिसनासलीं. गोगोलगायेचे गतीन ट्रक फुडें सरताले. नदर पावता थंय मेरेन लेगीत 108 दिसनासली आनी आवाजूय कानार पड नासलो. पत्तो विचारपाक 108 चो फोन एक दोन फावट येवन गेल्लो तितलोच.

सांवड्ड्यां हें सदचेंच जाल्लें. एकदां काय सकाळीं आठांक मीन येरादारी सुरू जाली, एका फाटल्यान एक ट्रक येवन वाकडे-तिकडे फाटोफाट लागताले. रस्तो अरूंद आशिल्ल्यान ट्रकांचीच एक हारीन एक लायन तयार जाताली. मागीर ब्लॉक सुटपाक केन्ना अर्द वर तर केन्ना वरांचीं वरां लागतालीं आनी सांजेचें पांचांक थामपाचे ट्रक रातचे आठां उपरांत बी थामताले. ह्या ब्लॉकांत सगलेंच ब्लॉक जावन गेल्लें.

मातशी हालचाल वाडली आनी कांय खिणां उपरांत ट्रकांनी थोडी गती घेतली. ब्लॉक सुट्टा कसो जालो आनी खंयच्यान तरी पयसुल्यान 108 च्या सायरनाचो आवाज सगल्यांच्या कानार पडलो. ते घडयेक सगल्यांच्या तोंडार एक चैतन्य फाकलें. आतां मेरेन बाबा पुता करीत बसलेली छायाची आई फट करून उठली तशी थंय आयिल्लीं दोगां तिगां बायलां मेळून छायाक उठपाक आदार करपाक लागलीं. छायाची आई आसा तेंच न्हेसण सारकें करून भायर सरली. तसो वैभवूय तयार जालो.

“वैभव.”

“किदें आई?”

“तुज्या बाबाक आनी आशुतोशाक कळय आनी भायल्या भायर हॉस्पिटलानूच आपय तेंकां.”

तसो वैभवान फोन केलो.

तसो तांचो चारूच जाणांचो घराबो. छायाचो बाबा वास्को एमपीटींत आसलो. गौतम हालींच ग्रेज्युवेट जाल्लो. बापोयले-तिपोलये सगले पयलीं सावनच हांगा-थंय विसकळून गेल्ले. पूण नातीं खूब लागीं आसलीं. सोयऱ्या-धायऱ्या सारकेच बऱ्या-वायटाक पावपी तशे इश्ट आनी शेजारी-पाजारीय उणे नासले.

अशी तशी आडकत, थामत हाका ताका कटयत ब्लॉकांतल्यान वाट काडीत 108 दारांत येवन रावली. तातूंतल्यान दोन ई.एम.टी देंवले. एक दोतोर आनी एक भुरगीशी नर्स. ड्रायव्हरान आनी नर्सीन स्ट्रेचर देंवयलो. दोतोर छायाक तपासपाक लागलो. दारांत आयल्ली 108 पळोवन सगल्यांच्या मनांत एक आस निर्माण जाली. छायाची पार्त आता सुपुर्त हातांनी पावतली म्हणपाचें समादान सगल्यांक जालें.

पूण दोन किलोमिटरा वयलें कुडचडकार हॉस्पिटल अजून बरेंच पयस आसलें. अजून ब्लॉक हुपून वचपाचें आसलें.

"देवी शांतादुर्गे पाव गे... जाग्याच्या बेताळा तूं पाव म्हाजे धुवेक तुमचे स्वादीन करतां... देवा तेजो सांबाळ कर."

छायाचे आईचें सांगणें मदीं मदीं चालूच आसलें. छाया वांगडा भायर सरतना पुराय भावार्थान तिणें देवाऱ्याक पळोवन हात जोडून सगल्या कुळाव्या आनी थळाव्या देवांक उलो मारलो.

"कुडचडकारागेर न्ही?"

ड्रायव्हर मोहनान स्ट्रेचराक हात घालीत वैभवाक विचारलें. आनी तिगांयनी मेळोन छायाक न्हिदोवन स्ट्रेचर वयर चडयलो. ते बराबर फाटल्यान दोतोर, नर्स आनी छायाची आई गाडयेंत चडलीं.

वैभव, रतीश आनी मोहन दार मारून कॅबिनांत चडले तशी 108 हॉस्पिटलाचे वाटेक लागली.

108 चो सायरन आयकून घरा मुखावयल्या दोन तीन ट्रकांनी बरोच वेळ लागून रस्त्यार येवपाक वाट मेकळी करून दिली. तशी 108 रस्त्यार वयर सरली. आतां हेरां भशेनूच तांच्याय फाटल्यान ट्रकूच ट्रक उबे आसले. 108 रस्त्यार पावली म्हणून सगल्यांनी इल्लो सुस्कारो सोडलो खरो पूण, ब्लॉक एके हारीन उबो आसलो.

ब्लॉक खरेंच गच्च आसलो. रस्त्याचे दोनूय वटांनी लागलेलो. आडे कडेचे कांय ट्रककार मोटयान पदां लावन बशिल्ले. तर कांय जाण दुसऱ्या ड्रायव्हरां कडेन चकाटां मारताले. मदीं कोण कोण ब्लॉक सोडयतना दिसताले.

पुलिसांचें काम चडशे फावटीं लोकांकच करचें पडटालें. तेन्ना ब्लॉक मातसो हालतालो.

"तूं कांयच भियोनाका, देवाचेर विश्वास दवर. सगलें सारकें जातलें."

छायाची आई छायाचे ताळवेर हात भोंवडायत ताका धीर दिताली. गुरवाचार आनी आवयपण हांचे मदल्या बाळंतपणाच्या दुव्याचेर उबें आशिल्लें छाया पोटांतल्यो वाडत आशिल्ल्यो वेणो सहन करपाचो प्रयत्न करीत आसलें. पूण दर खिणाक वाडपी दुकिंतीच ताचें तन-मन घुस्पल्लें. देवा भावार्थान केल्ली कसलीच थातारणी ताचेर परिणाम करपाक पावनासली.

दोतोरान आनी नर्सीन छायाचेर मुळावे उपचार सुरू केल्ले म्हणून तागेल्यो वेणो इल्ल्यो कमी जाल्यो खऱ्यो, पूण मर्दीं मर्दीं भुरगें पोटांत घुविल्ल्यान हलकें दुखप चालू आसलें.

"भुरगें भितर घुंवता शें दिसता, केन्ना सारकी वाट मेळना जाल्यार वा भुरगें इल्लें मोटें बी आसल्यार जाता अशें." छायाक पळोवन दोतोर उलयलो.

....घडये सारकी वाट मेळ नाशिल्ल्यान तेंवूय भितर ब्लॉक जाल्लें आसपाक जाय.

"तुमच्या सांवड्ड्यांत सदां उटसूट ब्लॉक पडपाचें कारण कितें रे?" धुल्लाक लागून हांरसो बंद करीत मोहनान रतीशाक विचारलें.

मोहनाच्या प्रश्नाची जाप बरे तरेन जाणा आशिल्लो वैभव बाबडो ब्लॉकाचेर आनी छायाचेरूच दोळे लावन बसलेलो. तो उलोवपाचे मनस्थितींत नासलो.

"राजकारण."

प्रश्नाची जाप ओठांचेरूच आशिल्ल्या सारको रतीश उलयलो.

"आमचे राजकारणी आनी पुराय राजकारण सद्द्या ब्लॉकांत पडलां."

एक वेगळी पोटतिडक मोहनाक ताच्या उतरांनी जाणवली.

"आमच्या सांवड्ड्यांत अशी परिस्थिती केन्नाच नासली. असो सांवार आयिल्ले सारको ट्रान्सपोर्ट केन्नाच जाय नासलो. पयलीं ह्या रस्त्या वयल्यान फकत चार ते पांच कंपन्यांचोच ट्रान्सपोर्ट चलतालो आनी ट्रकूय उणे आसले.

तेन्ना रस्तो अशीर आसून सुद्दां कोणाकूच त्रास जायनासले."

"पूण आयज तशें ना. कायदेशीर खणीं परस बेकायदेशीर मायनींगच चड जाता हांगाच्यान. हालीं हालीं आनी तर पयशांचे आशेक कांय लोकांनी खणी कुशीकची आपल्या भाटांतली लो ग्रेडीची माती लेगीत विकून पयशे केल्यात आनी ट्रकूय काडल्यात. बेकायदेशीर खणी चलोवपी ल्हान व्हड मिनेर आनी राजकारणी थोडे आसात गोंयांत? पांच-स वर्सां पयलीं सुमार देड-दोन हजार ट्रक ह्या रस्त्यार चलताले."

"आनी आतां?"

"आतां सुमार चार-पांच हजार ट्रक दिसाक ह्या रस्त्यार धुल्लाचीं धुमशेणां कांडीत चलतात. रस्तो तेदोच आसा म्हणून इतल्या ट्रकांक वाटेर तो आयज पावना. मागीर ब्लॉक कित्याक पडचोना? तातूंतले तातूंत कोण ट्रक वाटेर दवरून कोपाक वयतात. कोण पंपार गर्दी करतात. सर्कल तर सदांच जाम आसता. खुबशे ट्रकड्रायवर तर रातींच जेवणा उपरांत अकरा-बारांक ट्रक व्हरून प्लॉटार दवरून सकाळीं बेगीन नंबर लागचो म्हणून थंयच न्हिदतात आनी एका बराबर रस्त्यार देंवतात. आतऱ्या पयऱ्यान बारीक मोटे अपघात तर चालूच आसाच."

"मरणाक सुद्दां शिरशिरें हाडपी अपघात...."

रतीश मातसो भावूक जालो. पूण परत स्वताक सावरीत उलयलो.

"आयजूय असलेंच कितें तरी आसतलें सकाळीं ट्रान्सपोर्ट तेन्नाच सुरू जातालो म्हणून 108 अशी तशी वेळ करून पावली. नाजाल्यार."

"म्हणजे तुमच्या सांवड्ड्यांत मायनी खूब आसात तर?"

"ना. सांवड्ड्यांत एकूय मायन ना. सांवड्डेंच्यान फकत ट्रान्सपोर्ट जाता. कश्टी ते कापशें, कोडली ते शिरवय, आनी घाटा वयलोय म्हाल सांवड्डेच्यानूच वता. आनी जेन्ना सगल्यांचोच ट्रान्सपोर्ट एका बराबर चलतात तेन्ना सांवड्डेच्यान कापशें आनी केप्यां मेरेन, सांवड्डेच्यान काल्यां, सांग्या मेरेन आनी सांवड्डें ते कोडले आनी उजगांव मेरेन एका बराबर ट्रकांचें प्रस्थ पावता.

"तुमचे आमदार हाचेर कितें करतात तर?"

“ते राजकारण सोडून आनी कितें करपाक शकतात?”

“हाचेर कांयच करू ना तर तांच्यानी?”

“केलां... खूब कितें केलां.”

“तीन वर्सां जालीं सांवड्डेंचो आमदार कोण हेंच लोक विसरोन गेल्यात. वेंचणुके वेळार एक दोनदां लोकां मुखार आयल्लो तो वेंचणूक जिकलो आनी आपलो ट्रान्सपोर्ट वाडयलो, गेलो. लोकांच्या हातार पयशे पडले काय जालें. फुडलें कोणाक पडलां?”

“आनी कुडचड्या वयलो?”

“तोवूय मिनेरूच. तीन वर्सां जालीं बायपास बांदुया म्हणून आस्वासनां दीत आसा. बायपास काय जायना. ब्लॉक काय सुटना. तागेल्यो मायनी बेस बऱ्या चलतात.

मिनाच्या पयशांनी कांय आमदारांनी आनी आमदारांच्या आशिर्वादान ट्रक घेवन खुबश्या लोकांनी धाकलीं घरां मोडून लाखांचे बंगले उबे केल्यात. लोकां मुखार समस्या उब्यो करप आनी लोकांक घुस्पावन दवरप, हेंच ते करतात.”

“राजकारणांतलो ब्लॉक जर सुटलो जाल्यार हो ब्लॉक सुटपाक शकता, पूण.”

रतीशान सुस्कारो सोडलो. आपल्या उलोवपांतल्यान दर एका सांवड्डेकारांची तिडक तो उक्तायतालो.

फुडले दोन तीन ट्रक मातशे हालचाल करतात तें पळोवन मोहनान 108 इल्ली इल्ली करीन बरीच फुडें हाडली. छायाच्यो वेणो आनी बोवाळ वाडतूच आसलो. सोंसपाक जायना जावन तें आतां दांत ओंठ चाबत हात पांय मारपाक लागलेलें.

“इल्लें सोसून घे गो बाय. जालें. ब्लॉक रोखडोच सुट्टलो आनी आमी रोखडींच हॉस्पिटलांत पावतलीं.”

अशें म्हणत तिणें जनेलांतल्यान भायर नदर माल्ली.

“देवी शांतादुर्गे कसली परिक्षा घेता गे आमची?”

छायाची आई छायाक समजायताली काय आपणाकूच समजावपाचो प्रयत्न करताली हें कळपाक मार्ग नासलो. रस्त्यावयलो ब्लॉक सोडोवपाक आतां खंयचोच देव येतलो म्हणपाचीं लक्षणां दिसनासलीं. मनशान केल्लो ब्लॉक मनशांनीच सोडोवपाक जाय आसलो.

छायाच्या लग्नाक दोन वर्सां पुराय जायत आयल्लीं. आशुतोशाकडेन ताचें लग्न मोगान आनी सगल्यांचे संमतीनूच जाल्लें. तांचें जोडपें म्हणल्यार राम सितेचेंच म्हणूं येतालें. दोगांय एकामेकाक सोब सारकींच. लांब रूंद पाटी कसो उजळ मुखामळाचो आशुतोश मदनाचो पुतळोच. जाल्यार छाया दिसपाक किंतें उणें नासलें. गोल गोमटें हांसरें तोंड, पोल्यार दोन खळयो आनी खाडके वयलो तीळ त्या मुखामळाक कोणाचेय नदरेन भरून काळजांत देवोवपाक पुरो आसलो.

आशुतोशाक भुरग्यांची खूब ओड. तो बापूय जावपाचो आसा म्हणून छायान ताका ज्या दिसा सांगलेलें त्या दिसा सामको खोशयेन ''आय लव यू. आय जस्ट लव यू.'' म्हणत ताणें छायाक मोगान आपल्या गोपांत घेतिलेलें.

''खरेंच पियू.'' ताका तो मोगान पियू म्हणटालो.

''तुवें आमचो संवसार पुराय केलो. सांग तुका किंतें जाय?'' अशें विचारून छायाक प्रस्नय केल्लो.

पोटा कडेन हात व्हरत, ''येवपाचो आसा ताचेच खातीर मागतलें. वेळ येता तेन्ना सांगतां.'' अशें म्हणत परत तें ताचे वेंगेंत रिगिल्लें.

आपल्या भुरग्या खातीर निखटीच जल्मल्ली कवळी माया त्या खिणाक छायाच्या दोळ्यांनी आशुतोश पळयतालो. बाब जाल्यार किंतें नांव दवरपाचें आनी बाय जाल्यार किंतें नांव दवरपाचें हाचेरूय तांचे मदीं केन्ना केन्ना झरावारक्यो जाताल्यो. एका परिपूर्ण संवसाराचें सपन तीं एकामेकाच्या दोळ्यांनी पळोवपाक लागलेलीं.

गुरवाचाराच्या सातव्या म्हयन्यार म्हणजे फुलां माळपाचीं आशिल्लीं तेन्ना सावन छाया कुळाराक सांवड्ड्यां आयल्लें. आशुतोश तसो मदीं मदीं मेळून वतालो. येवपाक मेळना तेन्ना मात आपले घरकान्नीची फोनार खबर

घेवंक विसरनासलो. तो पणजे बँकेंत अकावण्टंट आसलो. रायबंदराक तीं फ्लॅटांत रावतालीं.

सांवड्डेची येरादारी समस्या, धुल्लाचें प्रदुशण हाका लागून तो छायाक सांवड्ड्यां धाडपाक तयार नासलो. अशा दिसांनी कुयदाद घेवपाक कोण तरी जाय म्हणून... "आईगेरूच सगलें सारकें जातलें आनी सध्या तरी थंय मायनींग बंद आसा, दोन तीन म्हयन्यांनी तें सुरू जातलें" अशें म्हणून तें हट करपाक लागलें. छायाच्या ह्या हट्टाक लागून मागीर तो तयार जालो.

छायाची खबर वैभवान कळयतकच तोवूय रोखडोच भायर सल्लो.

"बाबांनो भायर कितेंय करूंक मेळटा जाल्यार पळया रे?" छायाची आई बाबडी एकदाचीं या हांगाच्यान' अशा किवांट्यान तांकां विनोवपाक लागली. तशे रतीश आनी वैभव 108 आंतल्यान देंवन ट्रकां मदल्यान वाट काडपाचो यत्न करपाक लागले. बरेच फुडें मेरेन वचून ब्लॉक सोडोवपाक एक एक ड्रायवराक विनवणी करून जाता ती खटपट करपाक लागले. इतल्यान ब्लॉक थोडोसो सुटलोय बी. सवका सवका 108 आतां सांवड्डेच्या पुलाच्या तोंडार येवन रावली.

इतल्या वर्सां सावन सांवड्ड्या आनी कुडचड्या मदीं दुवो जोडपी तो पूल लेगीत त्या दिसा छाया आनी हॉस्पिटल हांचे मदीं संबंद जोडूंक असफळ थारलेलो. तोवूय आयज मोन्यानी स्थब्ध उबो आसलो. आनी खळखळीत व्हांवपी पुला पोंदची जुवारीय मोन्यानी आंवडो घोटून हें सगलें पळयताली.

पुलाच्या दोनूय वटांनी तशेंच फाटल्यान आनी फुडल्यान ट्रकांच्यो अंतपार नाशिल्ल्यो लांबचे लांब रांको दिसताल्यो. धुल्लान माखिल्लो काळ्या तांबड्या मिनान लिकलिकपी रस्तो आनी ताचेर उबे आशिल्ल्या विद्रूप दिसपी ट्रकांक पळयतकच, खंयच्याय रेब्याकोणांत लोळिल्ले रेडे कोणाक तरी शिंगां खुपसुवपाचे तयारेन उबे आसात काय दिसताले. ब्लॉकांत आनीक भर घालपाक दोन ट्रकां मदल्यान घोंवऽऽऽ घोंवऽऽऽ करीत वाट काडपी दोनचाकी चालक आपल्यो गाडयो मेळटात तश्यो मदीं आडव्यो तिडव्यो

घालतना दिसताले. तर खंयूय इल्लीशी रूंद सुवात मेळटा थंयच्यान घुसपाक धाकल्यो चार चाकी चलोवपीय फाटीं रावनासले.

कांय जाण त्या वेळार एकामेकाक वळखून लेगीत अनवळखी जाताले, तर कांय जाण "खंय घुसता रे चेxxx? मुखार वाट ना ती दिसना?" म्हणून गाळी लेगीत घातल्यार कान भयऱ्यार घालताले आनी फुडें वताले कारण सगल्यांकूच खंय तरी बेगीन पावपाचें आसतालें.

ट्रकांची घरघर चालूच आसली. त्या घरघरांत 108 च्या सायरनाचो आवाज खंयच्या ट्रकांच्या काळ्या धुवरांत हुबून वतालो हें कोणाकूच कळनासलें.

रतीश आनी वैभव सगल्या प्रकारचे यत्न करून बेजारले आनी परत येवन गाडयेंत बसले. गौतमाचें उदास तोंड पळोवन रतीशय बरोच पेचांत पडलेलो. कसल्या उतरांनी हेका समजांव? कितें उलोंव हाचे कडेन तेंच समजना' वैभवाक पळोवन तो मनांतूच पुटपुटलो आनी वोगी रावलो. तशे ते मर्दी मर्दी छायाची जाग घेयत आसले. ब्लॉक सुटल्यार पुरो...' म्हणिल्ल्याची भावना दोगांयच्या तोंडार दिसताली.

पूण हे परिस्थितींत कितेंच करप शक्य नासलें. रस्त्या वयल्या ब्लॉका भशेनूच कांय खिणां खातीर तांचेय विचार मातशे ब्लॉकांत पडिल्ल्या सारके जाल्ले. नेमकें कितें करप तें कोणाचेच तकलेंत येनासलें.

रस्त्या वयलो ब्लॉक सुटिल्लो जाल्यार घडये त्या खिणाक सगल्यांच्या विचारांतलो ब्लॉक सुट्टलो आसलो. पूण...

पोटांत भुरगें घुविल्ल्या कारणान छायाची भलायकी मात खिणा खिणाक इबाडत आसली. हॉस्पिटल आतां एकाच किलोमिटराचेर आसलें खरें, पूण त्या दिसाक तें एक न्हय तर एक हजार किलोमिटर पयस पावतलें म्हणपाचें कोणेंच येवजूंक नासलें.

फाटल्या म्हयन्याक दोतोरागेर तपासपाक वतना ताचे वांगडा ताची आई गेल्ली. दोतोरान तेन्ना सगलें बरें आसा म्हणून सांगलेलें. पूण बाळंटेरा वेळार जर तें रोखडेंच हॉस्पिटलांत पावलें ना जाल्यार बाळंत जातना अडचण

येवपाक शकता अशेंय ताणें म्हणलेलें.

छायाक पळोवन सद्द करून दोतोराचीं उतरां तिका याद जालीं आनी ती आनीक अस्वस्थ जाली. दोळ्यांतल्यान दुकांची एक धार गळयत ती आसा ते पोटतिडकीन "म्हाजे धुवेक वाचय रे देवा बेताळा... ताची पार्त बरे भशेन व्हरून हाड सायबा... ताचो कुसवो पोसवूनी रे देवा...." अशें म्हणत सगल्या देवी देवतांक होरावपाक लागली. तिचीं तीं करूण उतरां आयकून दोतोराचे आनी नर्सीचेय दोळे वोले जाले बगर रावले नात.

पूण ब्लॉक सुटपाची वाट पळोवपा बगर कोणाच कडेन दुसरो पर्याय नासलो.

येदोळ सावन पंपाकडेन आडकून पडलेले ट्रक हाल्ले तशे दुसरे वटेंतले ट्रक सवका सवका हालपाक लागले. धा-पंदरा ट्रक गेल्या उपरांत एक लग्नाची न्हवरेकारांची गाडी ब्लॉकांत पडिल्ली तांकां दिसली. तांकां पळोवन तांणी मनांतल्यानूच "हेवूय कोण तरी आमच्या सारके म्हुर्ताक चुकल्यात" अशें म्हणून चुरचुरे उक्तायतालें. दोन चार ट्रकां फाटल्यान दोन बशी आडकल्ल्यो आसल्यो. बसींतले कांय प्रवासी तकली भायर घालून काकुळटेन 108आंत पळयताले. "कोणूय आसूं बाबडी, ब्लॉक सुटून बेगीन हॉस्पिटलांत पावल्यार पुरो... देवा तूं पाव..." म्हणून अनवळखी लेगीत हड्ड्यार आनी ओठांक हात लावन मागणें करतना दिसताले.

बुराक पडलेल्या एकाच पनेळांत बसलेले आनी पेंवपाक येनाशिल्ले दोन मनीस आनी कितें करतले आसले?

ब्लॉकांत पडलेले बसींतले कांय लोक बसींतूच चिड्डून उबे रावन 'हें सदचेंच जालां' अशें म्हणून वोगगी रावताले. कोणाक कामाक पावपाक, तर कोणाक बाजार घेवन घरा येवपाक. कोणाक, कोणाक मेळपाक, तर कोणाक इश्कोलांत-कॉलेजीक वचपाक, तर कोणाक दोतोरागेर वचपाक बशींनी लोंबकळत रावचें पडटालें. आनी लग्नाक म्हुर्तार पावतलो जाल्यार लग्नकारांक पांच ते स वरां बेगीनूच भायर सरचें पडटालें. भाडीं मारपाक चडशे कोणूच हे वटेन येवपाचें धाडस मुद्दम जावन करीनासले. सदांच फुडली

ट्रीप चुकिल्ल्यान बसकारय बेजारताले.

हें सगलें पळोवन आनी आयकून मोहन सामको उबगलो.

"ह्या सगल्या प्रकाराचेर कोणूच कित्याक आवाज काडिनात? कांयच उपाय ना हाचेर?"

असो प्रस्न मोहनान तांका केलो.

ह्या सगल्या प्रकाराचेर तिडकल्लो रतीश परत तेच पोटतिडकीन उलयलो.

"आवाज काडटलो कोण? हे जे सगले ट्रकवाले दिसतात तांचे पात्रांव हांगचेच. ल्हान मायनी बी तांच्योच, ट्रान्सपोर्ट्रय हांगाच जाता. हांगा जो कोण आवाज काडटा ताचें तोंड रोखडेंच ट्रक दिवन बंद करतात. हाकाच लागून आयज हें अशें आसा. आमच्या हे वटेनच्या गांवांनी पासय मार, तुका पोरसांत झाडां किल्लल्ले भशेन ट्रक किल्लल्ले मेळटले. एका एका आंगणांत वा गेटी भायर पांच-सात ट्रक. जाचे कडेन ट्रक ना वा ह्या धंद्यांत पडपाचें ना तो कुशीक रावता. धुल्ल खाता आनी राजकारण्यांक खेपता. चार दीस बोवाळ घालता, पांचव्या दिसा पयशे वा ट्रक घेता आनी वोग्गी बसता. हांगा लोकांचो धर्म आनी कर्म एकूच... मायनींग"

हें सगलें मोहन नव्यानूच आयकतालो कारण तो ह्या वाठारांत सामको नवो आसलो.

"तुजे येदे इतले तरणाटे हांगा दिसतात. ते कांयच करिनात तर?"

"करिनात कित्याक? करतात. चडशे जाण ह्याच ट्रकांचेर ड्रायवर आसात. थोडे गॅरेजींनी लोखंड धोडयतात. आनी उरिल्ले दोन नंबरचो धंदो करतात. आमदारांची गुलामी करतात. पयसो हांकां नाचयता आनी हे पयशांच्या आनी सोऱ्या खुस्तार नाचतात. ड्रग्सांनी घुस्पल्यात. आपल्या पोटार पांय दवरून ट्रान्सपोर्टाक विरोध करपाक कोणाची कापाझदाद आसा? चलता तशें चलूं म्हणून सगले वोग्गी आसात.

तूं हे लायनीक 108 चलोवपाक नवो दिसता म्हणून तुका हें कांयच खबर ना."

"हय."

"आनी पुलीस कितें करतात तर?"

"सुमार एक वर मायज जावन गेलें आतां. एक तरी पुलीस तुका दिसता जाल्यार पळय. तेवूय येनात."

"आमच्या मडगांवांत अशें केन्नाच जायना. आमी त्या मानान खूब सुखी आसात."

"आसतलेच सुखी. हें सगलें राजकारण थंयच्यानूच तर सुरू जाता न्ही?"

मोहनाक सामकें नाकयां पडलेले भशेन जालें. सांवड्डेकार ब्लॉकाच्या प्रस्नाचेर सामके चाळवल्यात म्हणपाचें ताका आतां सारकें पटलेलें.

छायाच्यो वेणो मात आतां सुमारा भायर वाडपाक लागलेल्यो. धुल्लाक लागून नर्सीन गाडयेचीं जनेलां पयलींच बंद केल्लीं. पूण तशे पंखे चालू आसले. पूण छायाची कूड आतां उरफाटे परिणाम दाखोवपाक लागलेली. वेगळेंच फुगासांव ताका जावपाक लागलेलें. तकली हे वटेन ते वटेन हालोवन ताचे केंस सामके फांफसल्ले. ताच्या पुराय आंगा वयल्यान घामाच्यो पावळ्यो देंवपाक लागलेल्यो. थोडे केंस तागेल्या कपला वयल्या घामाक लागलेले ते आई परत परत पदरान पुसून सारकी करताली. छाया आतां सोंसना जावन व्हडल्यान करंदाय मारपाक लागलेलें. आंग ताणपाक लागलेलें. सवका सवका तें आतां आपली साबुद्द वगडावपाक लागलेलें. "आई गेऽऽऽ! आई गेऽऽऽ!" करून मिरिल्ली तागेली एक एक करंदाय 108आंत आशिल्ल्या सगल्यांचें काळीज चिरीत वताली आनी शब्दब्रम्हांत वचून विलीन जाताली.

फाटल्यान फुडल्यान आशिल्ल्या ल्हान व्हड गाडयांचो वेटाळो जसो रस्त्याक घट जायत वतालो तसो ब्लॉकूय गच्च आनी दाट जायत वतालो.

सगल्या देवांक उलो मारल्या उपरांत निमाणो विस्वास आसलो तो दोतोराचो. कारण तो प्रत्यक्ष मुखार उबो आसलो. तोच विस्वास छायाची आई आतां दोतोराचेर दवरून आसली. "कितें जालां तेका दोतोर? ताची पार्त कित्याक लागून आडकल्या?" रडतूच ती दोतोराक प्रस्न विचारपाक लागली. कितें तरी अनर्थ घडटलें म्हणपाचो भंय त्या खिणाक तिच्या उतरांनी जाणवतालो. पूण तो विचार ती आपल्या मनांत रिगोवपाक तयार नासली.

"म्हाका दिसता भुरगें पोटांत घुंवून घुंवून वारेक घुस्पलां. ताका वाट मेळना. आतां सिझेरियन केल्या बगर दोगांकय वाटावप शक्य ना." दोतोर गंभीर जावन उलयलो.

दोतोरालीं उतरां छायाचे आईक आनी फाटल्यान कान लावन बसलेल्या वैभवाक शिरंतरांतल्यान हालोवन गेलीं. तीं दोगांय एकामेकाक दुखांनी भरिल्ल्या दोळ्यांनी एके व्हड खंतीन पळोवपाक लागलीं. आनी भायर पळयत भितरले भितर हुंडको भरून रडपाक लागलीं.

108 त्या दिसा हेर ट्रकां सारकीच गोगोलगायेचे गतीन चलपाक लागलेली. कोणाचोय जीव वाटावपाक वाऱ्याचे गतीन धांवपी 108 त्या दिसा मरण व्हरपाचे गाडये सारकी कोणाल्या इंतेराक वता काय दिसताली.

फुडें ब्लॉक मातसो सदळ जाता तो पळोवन आतां पुलावयल्या सगल्या ट्रकांच्या इंजीनांची घरघर वाडपाक लागलेली. 108 आतां पुलाच्या मर्दीं येवन उबी जाल्ली. पूण छायाची दूख आतां निमाणी तेंगशी हुंपपाक लागलेली. ताचो आवाजूय बसपाक लागलेलो. आंगांतले त्राण वचपाक लागलेले.

पोंटांतलो कवळो गर्भ जल्म आनी मरण हांचे मर्दीं ब्लॉक जाल्लो. कोणें तरी वारी सयत भुरग्याक मुळासकट हुमटावन काडचें अशें त्या खिणाक ताका जालें. घडकेक आईन ताची तकली अळंग आपले मांडयेर दवरली. तेन्ना सगले प्राण एकठांय हाडून "आई गेऽऽी" म्हणून पुराय आंग एक सारकें ताणून, ताळो सराटून मारिल्ली तागेली ती निमाणी आरड आशिल्ली. 108आंत आशिल्ल्या सगल्यांचें कान-मन चिरीत गेल्ली छायाची ती निमाणी आरड लेगीत ट्रकांच्या इंजीनांच्या घरघरांत खंय तरी सासणाची ब्लॉक जावन गेल्ली.

●●●

3.
जुवांव

"मांय... ओ मांय... हांव वोयत गे."

असो उलो दीत जुवांवान हुमऱ्या भायर पावल घातलें. आयज जोरी तूं सोरो पियोन गारा येयलो जाल्यार तूं चोय हांव किदें कोत्तां तें. अशें म्हणत मांय मोट्यान आड्डत घरा फाटसून फुडल्यान आड्या मेरेन आयली. पूण इतल्यान जुवांव आकाडो हुपून खूब फुडें पावल्लो. "ही कोणाक म्हणटा कोण जाणा" अशें येवजीत जुवांव आपली सदची दोरयेवयली कसरत करीत चलत रावलो. शेजरां मात हो सदचो बोवाळ आयकून आपलेच भितर जुवांवाक दुशणां दीत खेपपाक लागलीं. आनी आपापल्या कामाक लागलीं.

गज्याले गादयेर काल रातीं घेतलेल्या कोपाचें आजून सारकें निवनळूंक नासलें. म्हणून तो उसरां मेरेन न्हिदून उरलो. अशेच अवस्थेंत सुजलेलें तोंड, न्हिदसुरे दोळे आनी फाफसल्ले केंस घेवन तो आपली दिसपटी सोदपाक भायर सरलेलो.

जुवांवाल्या घरा कडल्यान सुमार एक किलोमिटराचेर शाराक जोडपी मार्ग आशिल्लो, गांवांतलें चडशे लोक चलून वा गाडयांनीच यो वच करताले.

कान काडून जुवांव देसायाल्या घरा कडेन पावलो. आंगणांत देसाय सामको अनवाळो सोवळो जावन वाऱ्याक सुद्दां आफूड नासतना तुळशीकडेन पुजा करपाक गूंग आसलो. आंगणांत देसायाली धाकली धूव मांजरा वांगडा खेळटाली. आंगणाच्या एका कोनशाक ट्रक धुतालो त्या व्हडल्या पुतान "ओ जुवांव" म्हणून हटकिला इतल्यान जुवांव सोमतोच च्यावेच्यें आपोवणें समजून गेटीर झोंपय मारूंक लागलो. गेटीच्या आवाजान देसायासी देव तनरी भंगली. आसा थंयच्यान तो...

"हेऽऽ हेऽऽ पयस... पयस... भायर... वस हांगा सल्लो"

अशें म्हणत कावळ्याक आमुडचो तसो पुजेचें ताट सांबाळीत जुवांवाक आमुडपाक लागलो. जुवांवाचेर नदर पडचें पयलींच आपल्या पुताक आनी धुवेक ताणें मांजरा सकट घरांत वचपाक सांगलें. दचकल्लो जुवांव पयलीं इल्लो फाटीं फुडें जालो कांय खीण देसायाल्या तोंडाक आशेन पळोवपाक लागलो. जाल्यार देसाय ताका थंयच्यान वच म्हणून दोळ्यांनीच खुणावपाक लागलो. पूण जुवांव ताचेर लक्ष दिनासतना "ये देसाय, च्यायेक किदेंय सोड मुरे" अशें म्हणून गळवज्ञेक आयिल्ले भशेन करपाक लागलो.

"तूं खंय वचून कसली च्याव पियेता तें खबर आसा म्हाका. वस हांगासल्लो, बेबदो खंयचो"

देसायान आपूण सामको दुदान न्हाल्लो कसो आव हाडून जुवांवाक बेबदो म्हणून थंयसावन कडसरायलो.

पुराय गांवांत जुवांवाक सोंपेपणान कोण लागीं करून घेयनासलो. ताचे पिंजको म्हेळो बुशकोट आनी लोळकीशी झरलेली चिखलान दाटलेली पँट फुडल्या मनशाक वीट हाडले बगर रावनासली. व्हाणांचे जोड तर कोणाल्या माडाक बांदलेले काडून हाडल्यात काय दिसताले. केन्ना केन्ना आपल्या माथ्याक बसना असलें दावे वटेन वाकडें बसयल्लें काळें चेपें सांबाळीत तो चलतालो. पयसल्यान पळयतना फोंडकुलां पडलेल्या रस्त्या वयल्यान येवपी भरलेल्या ट्रका सारको तो तोल सांबाळीत आपली सोऱ्यान आकुडलेली कूड

घेवन हालत धोलत येतना दिसतालो.

गांवांत हिंदू लोकांचीं घरां चड आशिल्ल्या कारणान वर्सावळीचे उत्सव, सण चालूच आसताले. तशेंच जेवणाक आनी निवेदाक कोणागेर कांयच उणें नासतालें. पूण खंयचेय सण परबेक लोक जुवांवाच्या बुरशेपणांक लागून ताका व्हडलेशे उबो करून घेय नासले. जाल्यार कांय लोक ताका घरांत चवकेर एका कोनशाक पयस बसोवन शिरतेर वा पत्रावळीर वाडटाले, जेवल्या उपरांत ताचें पान ताकाच काडून पयस वडोवपाक सांगताले. आनी ताणें केल्ल्या उश्ट्याचेर शेणाचो शिताडो बी घालताले.

वर्साचें एकूच फेस्त जुवांव खूब उमेदीन मनयतालो. तो म्हणल्यार सांज्यांव.

"सांज्यांव सांज्यांव घुंवता मुरे, वाट आमकां दिसोना.

आयचो, उर्बेचो कोण कोणाक हांसोनाऽऽ. विवा सांज्यांवऽऽ.

चोल रे पिये रे, तूंय इल्लें घे रे, फाल्यां कांय मेळोना.

ओसलीं फेस्तां वोर्साक दोन फावटीं किद्याक येयना. विवा सांज्यांवऽऽ."

सांज्यांवाचें हें कांतार गायत एका हातांत बाटली, माथ्यार कोपेल, दुसऱ्या हातांत एक सुको पिराडो घेवन तो आख्ख्या गांवांत सगल्यांच्या दारांनी भोंवतालो. सांज्यांवा फेस्ता दिसाक जुवांवाक केन्ना कोण कांय म्हण नासलो.

"विऽऽवा सांज्यांवऽऽ"

म्हणत तोवूय त्या दिसा सोऱ्याचेर सोपोवपाक चार पयशे मायजूच जोडटालो.

एक मात आसलें, आयताराक सकाळीं मिसाक वतना हांव ताका हटकितालों, "किदें रे जुवांव, कसो आसा?" अशें म्हणल्यार तो "हांव बोरो ना म्हुणोन तूक कोणें सांगिलें?" अशें विचारून म्हाका उरफाटो प्रस्न करतालो आनी हांव ताच्या प्रस्नाची जाप सोदितूच उरतालों. पूण मिसाक सावन येतना सकाळीं फुडें तो कोपाक वचपाक केन्नाच विसरनासलो. गांवांत कोणालेंय भुरगें जेयना जाल्यार तेन्ना "बाबू जेव बेगीन नाजाल्यार जुवांवाक आपयतां." अशें म्हणून आवयो भुरग्यांक भेश्टायताल्यो आनी ज्युस्त सैतान

कसो जुवांव लोकाल्या दारांत उबो जातालो आनी ताका पळोवन भुरग्यां कडेन मुकाट्यान जेवपा बगर दुसरो पर्याय उरनासलो. कितेंय घेतले बगर जुवांवय थंयच्यान मागीर कसोच हालनासलो.

"यो बायले यो, सोरो माक दी पयलो, सोरो माक दी ना जाल्यार तुजो फोडटोलों तोकलो" हें कांतार चवकेर पेपर वाचपाक बसलेले कडेन सकाळच्या वाऱ्याचो झोत कशें येवन म्हज्या कानार सादूंक लागलें. "म्हाका पळयल्यार म्हजे कडेन येवन हात फाफुडटलो अशें चिंतून हांवूय ताका फुडली वाट दाखोवपाच्या हेतान थोडेंशें कुड्ड्याचें आनी भेड्ड्याचें संवंग घेवन बसलों. म्हज्या घरा वटेन पळोवन तो सगळें समजलो काय म्हाका पळोवंक तो विसरलो हें म्हाका कळ्ळें ना. पूण थोड्या वेळान उटोन भायर पळयलें तेन्ना पांच साडे पांच फुटांचो जुवांव म्हाका बोटांचे चिमटेंत येवपा इतलो दिसपाक लागलो.

सगलें तेर्र माडोवन जुवांव दनपार जाता म्हणसर घरा परतलो. घर म्हणून कसलें, एक ल्हानशी मल्लांनी धांपिल्ली चवकी आनी भितर पत्र्यांचें तीन कुडींचें चार मनशांक पावता इतलें खोंपूट म्हणल्यार जाता. आशिकुशीक दोन-चार बारीक मोठे बोंडे दिवपी माड. पायच्या म्हयन्याच्या थोड्याशा पँशनाचेर दोगांय मांय पाय घराचो गाडो वोडटालीं.

आयज सकाळचो आदेसभर हाचे ताचे मुखार हात पसरावन सुद्दां रातच्या कोपाची वेवस्था जावंक ना म्हणून जुंवाव येदेंशें तोंड करून घरांत भितर सरलो.

"येयलो जोगार हेडोन? आज्य कोणाको कांय सुटलो ना मिश्ता."

मांय चुली वयलें कुळणें देंवयता थंय सावनूच गरम इंगळ्या भशेन तापूंक लागली. मांयच्या उतरांचो कसलोच पातसो नाशिल्लो जुवांव वोग्गी आयलो आनी बांकड्यार येवन बसलो. मांय येवन ताचे मुखार रखुमाय कशी कमरार हात धरून उबी रावली. मांयचो हो अवतार पळोवन पाय बाबडो मागील दारांतल्यान भितर सरता थंयच भितोडेंत उबो रावलो. खोल विचारांत पडिल्ल्याची मुद्रा करून दोळे बिटबिटायत जुवांवाक पळोवंक लागलो.

"सोगल्या वोंटानी काबार केलीं आमकां ह्या चेड्यान. धुये सूक तुगे नोशिबां नासलोलें, पूण तूंय त्या भांगरा सारकील लोका गे च्योडाक कित्या मान्न हींग सान तेगे गारा धांडायलें? भुरगीं मेल म्हुणोन लोक कीत जोगपा सोण्ण दिताय?"

मांय इतलें सगळें भरभरता खरी पूण कोपाचो हुस्को सोडल्यार तागेल्या तोंडार कितेंच वेगळें झळकनासलें. पाय बाबडो मांयल्या उतरा उतराक तिच्या तोंडाक पळोवन हय म्हणलेल्या सारको करतालो. ताकाय तेंच म्हणपाचें आशिल्ले अशे तरेन.

"आनी आत हेक मोवोल तो सोरो. धा वोरसां पोयलीं भायर आसलो तेदोणा जोण्ण हाडलोलें सोगलें सोऱ्या काबार केलें. आसलो गोर इंकिलें, हे खोपीं हाण्ण सोडिलीं. आतां एशींच आमकांय काबार कोर"

अशें म्हणत मांय भितर गेली. कुळण्यांतल्या चार उणयो ताटांत वाडल्यो. वांगडा इल्लें फुटें कडवण दवरलें आनी ताट हाडून जुवांवा मुखार आपटलें. आनी पायक वाडपाक भितर गेली.

सांज जाता सर मांय पाय लागीं ना असो अदमास घेयत जुवांवान आपल्या एका पोरण्या ट्रंकांत हात घातलो. आपलें पोरणे पाश्त उगडून तातूंतल्यान एक लखोटो काडून आपले पँटीच्या बोल्सांत खोयलो आनी मुकाट्यान भायर सरलो.

आयज गज्याले गादयेर व्हडली अशी गर्दी नासली. जुवांवाचें चलप पळयल्यार तो पयलींच इल्लो तर्र आसा कसो दिसतालो. हातूंत ज्युस्त ताका देसाय सापडलो.

"चेडयेचो सारको सापडलो. सकाळीं म्हाजें नांव गांवार घालपाक येयल्लो. राव तुकां सारकी च्याव पिवयतां फोद्रेच्या" हीं उतरां दीत देसाय जुवांक पळोवन अळमे बोंगो कसो फुललो आनी आपल्याच भितर फुतफुतलो. कितेंय सोडटलो अशें येवजून जुवांवानूय सकाळचो राग भायरूच सोडलो.

"योऽऽऽ योऽऽऽ जुंवाव पात्रांव. हांव तुकांच रावतालों."

देसायान मानाच्या सोयऱ्याक बी येवकारचो तसो जुंवावाक येवकारलो. आपणाक पात्रांव म्हणलो म्हणून जुंवावाकय एक फीत चडलें. एके वटेन देसायान जुवांवाक मेजा वटेन व्हेलो तर दुसरे वटेन गजाक सिनाल करून कोपाची ओर्द दिली.

''शे!! तुजें म्होणोन सामकें चुरचुरें आंऽऽ.'' देसाय उतरांनी मोठें मीठ घोळोवन उलोवंक लागलो. ''पयलीं पांच वर्सांचें तुजें चेडूं काळजाक बुराक जावन मेलें, मागीर तुजी घरकान्नूय तुका सोडून गेली. अशें आसतना तूं कोणक लागोन जगता रे?''

देसायाल्या उतरांनी जुवांवाचे तकलेंत खंतीचीं वादळमोडां उप्रासलीं. फाटले यादींचीं ल्हारां एकार एक आपटूल ताचे तकलेंत धुमशेणां घालपाक लागलीं. आनी त्याच भारार मेजार आयल्लें कोप जुवावान हातांत घेतलें. पुराय जिणेंतलें दुख्ख एकाच घोटांत घोळोवन दोळे घट्ट धांपून घटाघट ताळ्यांत वोतलें. त्या खिणाक देसायाल्या तोंडार लिपचोरयां किरकिरो हांसो फुल्लो. थंय आशिल्ली एक भरलेली पुराय बाटली घेवन तिडकीन गुड्डी उगडून तो ती तोंडाक लायत गादये वयल्यान भायर सरलो. लकत मोडत चलतां चलतां सासणाचो ब्रम्हांडांत तुटोन सांडलेल्या नखेत्रा सारको तो काळखांत हळू हळू नानपयत जालो. सूड घेतलेल्याचे भावनेन देसाय फाटल्यान कोल्ली हांसपाक लागलो.

रातचीं सुमार साडे धा जाल्लीं. हांव जेवन खावन आंगणांत बसलेलों.

''योऽऽ बायले योऽऽ, सोरो म्हाका दी पयलोऽऽ,

सोरो म्हाका दिना म्होणोन तुजो फोडचो ना तोकलोऽऽ''

कांतार म्हज्या कानार पडलें. आनी सदचो तियात्र कोमेस जालो. पूण आयज ताच्या ह्या सदच्या कांतारांत एक मोठे खंतीचो सूर आसलो. जो पयलेच घडकेक म्हज्या काळजाक खुपलो. आयज तें निखटें कांतार नाशिल्लें तर कोणाक तरी पयस गेल्ल्याक आफोवपाक मारिल्ली ती बोंबलेच्या देंठांतल्यान आयिल्ली आरड आशिल्ली. हांचें आयज कितें जालां अशें

येवजून हांव उठलों आनी गेटी कडेन उबो रावन ताका पळोवंक लागलों. ते घडकेक जल्म आनी मरण हांच्या मदेंकार उबो रावन जिणे दोंगराचे तेंगशे वयल्यान मरणाचे दरींत हळू हळू कोंसळपी एक रूख म्हज्या दोळयांनी भरलो. आपले घरकान्नीच्या आनी धुवेच्या सुखाक आशेल्लो एक घोव आनी बापूय म्हाका त्या खिणाक ताचे भितर दिसलो आनी म्हजे तकलेंतलें ताचें आदलें चित्र पुराय धुवन गेलें.

नागमोडीं वळणां घेयत चलपी जुवांवाच्या एका हातांत ताचे घरकान्नीचो आनी धुवेचो फोटो आशिल्लो. तर दुसऱ्या हातांत सोंपत आयल्ली सोऱ्याची बाटली आसली. ताचे दोळे एका खिणाक त्या फोटवाक पळोवन जगपाची आसक्ती सोदताले. तर दुसऱ्या खिणाक बाटलेंत आपली सोंपत चललेली जीण सोदताले.

●●●

4.

निर्णय

निकतोच पावस सोंपत आयल्लो. चवथी उपरांत दसऱ्याची सुलूस लागलेली. पूण हांगां पयलीं सारको सण-परबेक नेट नाशिल्लो. करपाक जाय म्हणून आनी देवाचें कार्य म्हणून करपाक चुकना अशे रितीन आतां चडशे उत्सव मनोवप जावपाक लागलेलें. फाटले सुमार चार म्हयने पावस पडोन गेल्ल्यान सगलीं झाडां-पेडां, दोंगर-दोंगुल्ल्यो पांचवो शालू न्हेसलेल्यो आनी रस्तेय बरेच नितळ-निवळ जाल्ले. फाटलीं लागीं लागीं तीन वर्सां ट्रकांचो ट्रांसपोर्ट बंद आशिल्ल्यान रस्ते बरेच लांब-रूंद आनी इस्कळ दिसताले. तरी सताड उगडे पडलेले रस्ते पळोवन खूब जाणांच्या दोळ्यांनी आजूनय थंय भरलेल्या म्हालाचे ट्रक हारींनी भोंवतना दिसताले. सांवड्डें भोंवतणच्या बऱ्याच अशा मायनींग चलपी वांठारांक पावसा उपरांत आतां नवे व्हंकलेचें रूप आयिल्लें. बरोच पावस गेल्ल्यान रस्त्या कुशीन थर जावन दाटलेल्या काळ्या मॅगनीजांतली दोळे दिपकावपी हिऱ्या-रुप्यां सारकी लकलक आनी चकचक सदां खातीर धुवन गेल्ली. पूण ह्याच निवळ जाल्ल्या चित्रांत एक विद्रूप आनी भरकटलेलें चित्र शिवानंदाक दिसतालें.

आयज आपल्या पोंदाक करड, काटयारी आनी घाणयारी किल्लल्ले ट्रक आनी शेवाळीं फाटल्या तीन वर्सां सावन बंद पडून आशिल्लीं. एका काळार हे ट्रक ह्याच रस्त्यांचेर पयशांचो आनी मरणाचो खेव करीत भोंवताले तेन्ना ते आपल्या तांबड्या धुल्लबंबाळ जुवानपणांत आसले पूण आयज मायनींग बंद पडिल्ल्यान जाणटेपण येवन ताचेर आरेचें दुयेंस जावन पडचें तशे कुडिंतलो त्राण वचून नशिबाकच कळम येवन मोने जावन पडलेले. ट्रकांचे बॉडींक एका काळार गडगंज वॅल्डींग मारपी पूण आयज आपल्या कर्मांचेंच वॅल्डींग कायमचें सुटिल्ल्यो त्यो गॅरेजी... मरणाची सया पातळिल्ले ते सांवड्डे तिस्का वयले ड्रायव्हरांचे आनी ट्रक पात्रांवांचे तिठे... गिरायकांक आं करून रावल्लीं तीं च्यायेचीं ल्हान-व्हड हॉटेलां. गिरायकां बगर पडींग पडिल्लीं तीं बुसारीं दुकानां. दीस-रात सोरो घोंटून सुकतडो लागलेलीं तीं बार्रां. धक्यार रित्यो पडून जुवारेच्या पात्रांत आपल्या तळाक वेंगावन भरती आनी सुकती मेजीत झेलपी बार्जी. सगळीं मोन्यानी उर्बी रावन शिवानंदा वांगडाच फाटल्या तीन वर्सां सावन बंद पडलेलें मायनींग परत सुरू जातलें हे आशेन वाट पळयतालीं.

नुस्तें आनी गरजे पुरतो थोडोसो व्यापार घेवन चलत घरा पावता म्हणसर शिवानंदाक साडेइकरा जालीं. गांवभर रस्त्या कुशीक दवरलेले लोकाले ट्रक पळयत येतना मायनींग चालू आसतना कोणें कितलो धवो आनी काळो पयसो जोडलो हाचो हिशोब मनांतल्या मनांत लायत तो येतालो...

"शिवानंद पात्रांव, जालो बाजार?"

"हय रे च्यारी, आमकां दोगांक कितलेंशें लागता?"

"आनी, पूत आनी सुनो बी ना तर?"

"व्हडलो पूत आपलें बायलेचें आनी धुवेचें जेवणा-खाणाचें पळोवन घेता."

"आनी धाकलो? तो हालींच लग्न जाला न्हू? तेंचें कशें किदें?"

"चलता रे देवादयेन. मायनींग जातलेंच न्हू आतां बेगीन चालू. म्हाज्या पुतांक केन्ना गांवां वयल्या दुसऱ्या भुरग्यां भशेन कामाक वयचें पडलां? स

ट्रकांचे पात्रांव मरे ते.''

''हें खरें तुजें. तुका लागपी कोण आसा गांवांत!''

''आयज चलतसो तूं?''

''चलता तितलो जिवाक आतां जाणटेपणान व्यायाम.''

''हां... हां... बरें आसा. हांव वयतां तर नुस्तें घेवपाक. बरें.''

आपल्याच तोंडान आपलीच तुस्त केली म्हणून शर्टाचे वयले दोन बुतांव उगडे आसून दिसपी हड्ड आनीक इल्लें फुडें करून गळ्यांत एकूच उरिल्ली सुता सारकी भांगराची सरपळी दाखयत शिवानंद आनीक झेतान घरांत भितर सल्लो आनी सामानाची पिशवी घरकान्नीच्या हातांत दिली. पिशवेंत आशिल्लें इल्लेंशे करबट पळोवन शिवानंदाले घरकान्नीन करबटा येदेंच तोंड केलें आनी ती रांदचे कुडींत गेली.

''पात्रांव यो रे, निस्त्या वोर रे, इसोणा पोस्तां बोरीं आसाय. पापलेट आनी कोल्ली बोरीं ताज्जीं आसाय, वोर मुरे. तूं केन्नाच्य बारीक कांय ऑन्ना देकून तूक मोट तेंच्य सांगिलां.''

''इस्वण कसो दिला गो?''

''पांयशीं रुपोय किलो. व्हॉ दुसरो एक हाजार आनी दोनशीं रुपोय जातोलो, तुका लागोन होकोत एक हाजार. दींव?''

''सुंगटां वांटो कसो गो?''

''कल्ली कशी गो?''

''बेस्तीच्य लूट कोन्नाकाय. राबाय मातशे, सुसेग घेयाय. पोयलीं आमगे शिवानोंद पात्रांवांगे गिरायक कोत्तां. मुगे सोदींचो गिरायक तो.''

''एक हजारांचो तो घाल, मोठो तो दी.''

''आनी कितें दींव पात्रांव?''

''एक हजाराचीं पापलेटां दी. पुताक आवडटा म्हाज्या.''

''घे पात्रांव.''

भोंवतणची गर्दी आपणाक करकरीत नोटी मेजतना कशी तुकूतुकू करून

पळयता ताचें मोठेपण मिरयत शिवानंदान नुस्तेकाम्रीक पयशे दिले.

"आज्या ह्या चित्रांत आसा तो इसवण न्हू रे?"

"नातीच्या प्रस्नान तो बशिल्ले कडेन आदल्या बाजारांतल्यान घरांत पावलो."

"हय गो बाय इसवण तो."

"तो कसो दिसता रे आज्या?"

"तो? तो खूब व्हड आसता गो आनी म्हारग आसता. तो बेश्टो कोणाक्य पळोवंक मेळना. तो असो आता चित्रांनीच पळोवप."

"बरें आज्या."

हे जापेंतल्यान निरागसपणान समादान मानून ताची पांच वर्सांची नात परती वचून पुस्तकांतलीं नुस्त्यांचीं चित्रां पळोवपाक बसली.

खरें म्हणल्यार त्याच नुस्त्या बाजारांत खंयूय इल्लें वाणपण करून वीस-पन्नास रुपयांचें करबट नाजाल्यार हिड्डां बी मेळ्ळीं जाल्यार तीं लोकांच्यो नदरो चुकोवन दाखय-लिपय करून घेतना ताचो हार्ली बरोच गोंदळ जातालो.

शिवानंद मुळांत सांवड्डेंचो. पयलीं सावन सेजा गोवागेर शेवाळें ऑपरेटर म्हणून कामाक आसलो. ताचे सारकेच आनीक खूब जाण वॅल्डर, फिटर, मेकानीक, ट्रकांक धक्यार बावटे दाखोवपी म्हूण एका बराबर थंय कामाक जुडलेले. पूण ह्या कामां भायर कामावयलीं शेवाळीं घेवन भायर खाजगी सुवार्तीचेर खणकाम करप, थंय भायलेभायर चार पयशे करप. शेवाळें भायर व्हेल्ले कडेन ताचें डिजल ना करप, काडिल्लें डिजल वेगळें विकप. नवें डिजल घालून नवीं बिलां लावप. असले गैर कारभार करतां करतां व्हडल्या व्हडल्या मशिनांचे वेगवेगळे भाग चोरून विकप आनी थंय फालशेले हाडून बसोवपा मेरेन सुद्दां पावले. असले जोडीर ताणें खूब वर्सां फाटीं एक ट्रक काडलो मागीर एका ट्रकाचे दोन जावप, दोनाचे चार जावप ही प्रक्रिया मायनींग चलपी वाठारांनी सामान्य आनी समाजमान्य आसली. ताचेंय बी तशेंच जालें. कांय वर्सांनी ताच्याय दारांत स ट्रक उबे जाल्ले आनी पूत व्हड

जाय मेरेन दोन माळ्यांचें घर! बंगलोच म्हणू येता. ह्या सगल्या कारभारांत आपल्या पुतांक धावी ते बारावी मुखार आनीक शिकयले ना. तातूंत ताचीय चूक नासली, एकदां आपले पूत ट्रकांचो धंदो सांबाळपाक समर्थ जाले काय तांकां संवसारांतल्या आनीक कसल्याच शिक्षणाची गरज ना अशी खर श्रद्धा मायनींग वाठारांतल्या लोकांची पयलीं पसून रूढ आशिल्ली. तिका शिवानंद तरी कसो आडवाद आसतलो आसलो?

"सोमेऽऽश, बाबांनो ते ट्रक मातशे धुयात मरे दोगूय जाण लागोन. पावसा उपरांत शटार्ट सुद्दां केले ना तुमी ते सारके."

"धुवपाक आनी कित्याक जाय ते?"

"दसरो आसा मरे फुडल्या आठवड्यांत आनी मागीर दिवाळेकडेन पुजा करून फुलां माळो बी घालपाक नाका?"

"मायनींग बंद पोडोन आतां इतलीं वर्सां जालीं, तूं आजून ती पुजा कित्याक घेवन बसला? ट्रान्सपोट सुरू जांवनी मागीर पळोवया."

"पयलीं तशी लक्ष्मी येताली म्हणून ट्रकांची पुजा बी करपाक मजा येताली. आतां बेश्टोच खर्च कित्याक तो? आतां कितें तें मायनींग सुरू जाल्या उपरांतूच करुया पप्पा. बेश्टो वावर नाका. खंय कोण आतां दुसऱ्याक गाडयांची पुजा बी घेवन बसता? गांवार नदर मारून पळय. कोण कांय करना."

"पूण सिद्देश मायनींग सुरू जातलेंच म्हणून कितें गॅरेंटी आसा?"

"तूं कित्याक इतलो हुस्को करता? सुशेगाद राव. मायनींग पयलीं भशेन बेगीन सुरू जातलें. आमची सरकारा कडेन मागणी चालू आसा."

"हुस्को नाका करूं? तुमी दोगूय घरा अशे बेकार बोसोन मायनींग सुरू जावपाची वाट पळयतात. आशिल्लें नाशिल्लें हांवें तुमच्या नांवार केलें तें तुमी सोंपयलें. माथ्यार दोन ट्रकांचें रीण आसा तें फारीक जावपाक जाय. धंद्याच्या भरंवशार तुमचीं लग्नां करून दिलीं. नशीब तीं दोगांय तुमच्या परस इल्लें चड शिकल्यांत तरी आसतना हें अशेंच उल्लें जाल्यार कशें जातलें आमचें? थोडो तरी विचार करा मरे."

"घेप्यागेर मायनी बंद करिना फुडें कांय लोकांक काडलेले पूण मॅनेजर, इंजिनीयर बी आजून मायनीर येतात. तेंकां हाड-व्हर करपाक ड्रायवर जाय आसलो. म्हाका तें काम मेळपाचें आसा. दिसाक तिनशें रुपया मेळटले म्हणून सांगलां कंपनीन. दिसाक कितल्यो ट्रिपी आसतल्यो तें बी मागीर कळटलें...

"सिद्देश तूं मेळटा तेन्ना म्हजी कार घेवन भोवोनाका हां. तुका पयलींच सांगून दवरतां."

"तुजी कार तेणें व्हेल्यार कितें जालें? तुजो धाकटो भाव मरे तो. अशें कितें करता तूं?"

"तें म्हाका लागना. म्हाजे कारीक कोण हात लावचो ना."

"पप्पा म्हाका म्हाजी दुसरी कार जाय. कितलो तेंप जालो हांव सांगत आसां."

"तूं फार्टी म्हाका सांगतालो ती कितल्यांची?"

"ती धा लाखांची आनी म्हाका तीच जाय."

"बरें बाबा घेवया तीच."

"आनी म्हाजें कितें?"

"तुका आनी कितें जाय गो आतां?"

"तुमी सगले दिसूय भर ट्रकां फाटल्यान भायर आसतात. म्हाका खंयूय वचपाक केन्नाच कोण आसना. कितलो तेंप जालो सांगत आसा हांव सोमेशाचे गाडयेक एक ड्रायवर दवर, म्हाजें कोण आयकता?"

"बरें बाये फुडल्या आठवड्यांत तुका जाय थंय व्हरपाक तुजो ड्रायवर तुका हाडून दितां.जालें?"

"हय."

"डॅडी आमची कार खंय? आनी आमचो ड्रायवर आतां कित्याक येयना?"

"नेटान धांवपी गोडयेक अचकीत ब्रेक मारतकच धपको लागचो तसो धपक्यान सोमेश आपले धुवेच्या प्रस्नान भानार आयलो."

"आमची कार मगो आतां लोकाली जाल्या गो बाय. आनी आमचो ड्रायवर मगो आतां लोकाली गाडी चलयतलो. नाजाल्यार ताचें पोट कशें भरतलें?"

"बापायची जाप आयकून तें नुस्त्या कुडको घेवन मांजरा पील कशें वोग्गी वचून कडेक बसलें."

"हें पळय तूं थंय ड्रायवर म्होणोन चल म्हाजी कांय हरकत ना. पूण आमी शिवानंद पात्रांवाले पूत. गांवांतलो येतलो-वतलो आमच्या दारांत पावलो काय रावोन पात्रांव' म्होणोन जाप केल्या शिवाय फुडें वचना. गांवांत इतलीं वर्सां क्लबाचें अध्यक्षपद कोण सांबाळटात? आमी. सगल्यां परस चड ट्रक कोणाले आसात? आमचे. गांवांत सगल्यान व्हडलें घर कोणालें? आमचें. इतलीं वर्सां महिला मंडळाची अध्यक्ष कोण आसा? तूं मगे मम्मा. गांवांत चवथीक सगल्यान चड फोग कोण पेटयतात? आमी. सावड्ड्यान आमच्या बापायचें नांव शिवानंद पात्रांव म्हणून गाजता. कितले लोक आमगेर कामाक आसताले. मायनींग बंद आसलें जाल्यार कितें जालें? पात्रांव ते पात्रांव. पात्रांवाचे पूत केन्नाच कोणाकडेन कामाक वचपाचे ना."

"कामाक वचपाचें ना? मागीर किदें करपाचें चितलां तर तुवें? मायनींग सुरू जातलें ह्या भरंवशार असोच बसतलो तूं?"

"हें पळय तूं बेश्टेंच तकली जड करू नाका अंकिता."

"मागीर कितें करूं तर? हांवूय तुज्या भशेन हें मायनीच्या धुल्ला सारकें हुबोन गेल्लें अडेचें मोठेंपण घेवन बोसों? आनी घरान सुकीं सुंगटां आनी करबट खावन भायर इसवण खाल्ल्याची बडाय मारूं?"

"हांवें तशें खंय म्हणलां?"

"मिनेर, राजकारणी आपलें सादोवन मेकळे जाले. आनी तुमच्या सारके जे कोण ह्या धंद्यांन पडले ते बुडले. जांकां शिक्षण बी ना ते तर सामकेच सोपल्यात आनी अन्नाक पातिशेर जाल्यात. ह्या धंद्याक आनीक फुडार ना हें मान्य करप शाणेपणाचें जातलें."

"मागीर किदें कर म्हणटा तूं म्हाका?"

"लग्न पयलीं तुवें आनी तुज्या बापायन ट्रकांच्यो बडायो मारून म्हाका आनी म्हाज्या घरच्यांक फुसलायलीं. तेन्ना धंदो बरो चलतालो पूण असो बंद जातलो म्होणोन कोणाक सपन पडलेलें? हांवूंय तेंच्या उतराक जालें लग्न. तुमच्या मोठेपणांनी म्हाकाय कांय करपाक दिलें ना. आतां फकत म्हाज्या नांवार जें किदें उल्लां तें हांव खर्चाक वापरतालें. पूण तेंवूय सोंपत जाल्यार मागीर खावप किदें? आतां फकत एक काम कर, म्हाका पिशें केलें तें केलें स्वताक फटोवन जोगोनाका. भानार यो. हो धंदो परत सुरू जावपाचो ना. तूं दुसरो पर्याय सोद."

"ह्या धंद्यांतलें मगो तुका कांयच खबर ना. हांगा येवन तुका तीन वर्सां जातात थंय आसात. तुजीं न्याना हांगा शिकयनाका. मायनींग सुरू जातलेंच हांव जाणा. आमच्या मायनींग डिपेंडेंट लोकांच्या फोरमाचें मिनिस्टरां कडेन उलोवप चालू आसा. जातलें म्होणोन तेणें आमकां उतर दिलां."

मायनींग बंद पडत सावन खुबशा बारीक धंद्यांक हांगा बरीच मंदी आयली. मीन वेवसायाकडेन दर एक धंदो-वेवसाय खंयच्यान तरी जुडिल्ल्या कारणान ताचो सगल्यांचेर परिणाम जालोच. मायनींग बंदीन खूब वेवसायांची वर्सासंकीनी निर्माण जाल्ली सांखळ तोडली. वेवसाय बंद जाल्ल्यान ट्रकांची विक्री बंद जाली. वॅल्डींग करून ट्रकांची बॉडी बांदतल्या गॅरेजींचेर हावळ आयली. खूब लोक ल्हान हॉटेलां आनी बारां व्हडा प्रमाणांत चलयताले तांचे हे धंदे तर सामकेच खांकनवाळ जाले. खूब अशा वाठारांनी दिसाचो जरी मिनाच्या पयश्यांचो हिशोब चलतालो जाल्यार राती कडेन एका एका बारांत एकेच रातीक तीस-चाळीस हजारां मेरेनचो गल्लो सहज जातालो.

पयशांची उधळपट्टी तेन्ना हुस्क्या विरयत जाताली जाल्यार आयज त्याच बारांचे झळकेक सुद्दां वतना बोलसांतली चिल्लर खुळखुळ्ळ्या बगर रावनासली. कर्नाटक, झारखंड, बिहारचे बी ड्रायवर हांगा व्हड संख्येन बिराडांनी रावताले ते सोडून गेल्ल्यान बिराडांतल्यान मेळपी येणावळय बंद जाल्ली. ट्रकांचें टायर रिमोल्डींगाचें काम, ऑयलींगाचें काम, बॅटरी, टाकी

रिपॅरींग, पट्ट्यो धाडावपाचें काम आनी हेर कामां करपी बी गॅरेजी लागीं लागीं बंदूच पडल्यो. माथ्यार आशिल्लीं लाखांचीं रिणां बँकेंक फेडपाक आपल्या बायल-भुरग्यांच्या आंगार करून घातलेलें भांगर लेगीत विकपाक खूब लोक फाटीं-फुडें जाले नात. बऱ्याच चले-चलयांचीं थारिल्लीं लग्नकार्यां कुंडलींत छत्तीस गूण मेळून सुद्दां मीन वेवसायान तांचेकडेन छत्तीसांचो आंकडो केल्ल्यान मोडलीं. मायनींगाच्या पेटलेल्या होमखंडांत सुक्या वांगडा वोलेंय बी जळून गोबोर जालें.

मायनींग बंद जातलें तें कांय लोकांक बरेंच पयलीं खबरय आशिल्लें म्हणून बऱ्याच लोकांनी आपले ट्रक घांटार बी विकले वा थंय रेवेंचे आनी कोळशाचे ट्रिपींक लायले. तर कांय जाणांनी राजस्थान मेरेन लेगीत विकपाक कळाव केलो ना. आनी जांचे ट्रक ना सुटकेक रिणाक लागून बी उल्ले तांणी तांका पेंट मारून मोठेपणाची कुरू कशी पोरसांत सोबेक दवल्ले. मायनींग बंदी उपरांत खूब जाग्यांनी बेकायदेशीर रेंव काडपाचें प्रमाण बरेंच वाडलें. कांय जाणांनी आपले ट्रक वास्को कोळशाचे ट्रिपीक लायले जंय तांकां दीस भर वाट पळोवन एक ट्रीप बी मेळप. बदलाक कितले पयशे मेळटात ते घेवन वोग्गी घरा येवपाचें आसतालें.

शेती वेवसायाक लागीं आशिल्ल्यांनी सवका सवका शेती करपाक सुरू केली. काजी, कुळागरां, उशेलां, शेतां बी. जांचे जागे वाचोन-जोगोन उल्लेले ते पोटाचे गरजेक ह्या बागायती कामां वटेन वळपाक लागले. कुळें शिगांव सारकिल्ल्या वाठारांत तर भोंवडेकारांक दुदसागरा मेरेन भाड्याचे गाडयेन व्हरपाच्या वेवसायाक खूब ओतो आयलो. सांवर्डें आनी लागींच्या कांय लोकांनी नुस्तें, भाजी, फळां बी विकपाचे वेवसाय सुरू केले. गोरवां आशिल्ले गोरवां पळोवपाक लागले. आमदार-मंत्री हांच्या बरेपणान थोड्या अर्द शिक्षितांनी कांय खाजगी कारखान्यांनी आनी कंपनींनी ल्हानशी नोकरी धल्ली जाल्यार कांय जाण पासपोर्ट करून भायल्या देशांनी पावले.

कांय चले-भुरगे बसींचेर ड्रायवर म्हणून चडले, जाल्यार तरणाट्यांचो एक वर्ग सोऱ्याचे आनी ड्रग्सांचे भकीक पडलो. लोकांचो एक व्हडलो वर्ग

आंदोलना, मोर्चे, उपोशणां, निदर्शनां असले की सरकारा आड करीत रावले. मायनींग बंद पडलेल्यान खूब शाळा पयशे नाशिल्ल्यान बऱ्योच बेगीन सुटल्यो आनी बऱ्योच पाटयो तर सदां खातीर फुटल्यो. स्कूल आनी कॉलाजींनी शिकपी भुरग्यां खातीर आतां थेवपाक-वचपाक रस्ते निवांत उगडे जाले पूण गरज आशिल्ले आर्थीक रस्ते सदां खातीर बंद जाल्ले. व्हडल्या घरांचे पोकळ वाशेच न्हय तर मोठेपणाच्या घरांचे झगझगीत बेगडी रंग लेगीत गळून पडले आनी मातये खुस्तार जोडलेलें वैभव परतें मातयेंतच वचून एक जालें.

"आयज खंय आसा ट्रिपीक?"

"कुड्डेगाळीन."

"आनी डबल टू डबल नायन?"

"तो शॉर्ट ट्रिपीक आसा सेजा प्लॉटार."

"सांवड्ड्यां काय कापश्यां?"

"कापश्यांच आसा. बार्ज थंय आसा आयज. कामाक येयल्या ती गाडी. पट्ट्यो इल्ल्यो बँड आसा आयतारा दिसा दवरतां सदाले गॅराजीन. चोर मेल्लो फोद्रेचो लोकां गाडयांचे पार्टस् चोरू चोरून पयशे करता.

"शिवानंद मेस्त्रीन नेवो ट्रक घेतला मरे पयर. हय पयला हांवें."

"तो चोर चेडयेचो. लोकां फोटोवन आनी नागोवन इतले ट्रक काडले. आनी येदें व्हडलें घर बांदलें. आमकां खबर ना काय किर्ते एका फाटल्यान एक ट्रक कसो घेता तो?"

"सोवका उलय तेगे चेडो येता आयज सांजे आमच्या वांगडा पणजे कासिनोचेर. बरो फुलय तेका मागीर पापोड कसो फुलता तो. आयज ड्रिंक्स आनी बूम बूम करपाचे पयशे तेजे. रातीं खंय हेणें एका हजारा नोटीन घालून दम माल्लो. मोठो चरबेचो तो?"

"बापायन जोडून दवल्लां तें सोपों नाका तर? हो पळय येयलो."

"किदें म्हणटा सगळे? आयज खंयच्या कासिनोचेर या?"

"तो आसा पळय कासिनो प्रायड तेजेर या. फॉरेनर सामकी पेझाद आसा

थंय. तेंच्या आंगा वयले दोळे हालना. एकदम शोरूम पीस. तेंचे..."

"किदें सांगता रे? डान्साक बरीं आसात?"

"हांव नाचोन येयलां तेंच्या वांगडा. कसलीं आकांत नाचतात रे. तेंचीं आंगां हालतात तीं पळोवन हांव सामको उब्यांनी वोलो जालो भितरल्यान ...हा हा हा."

"तशें जाल्यार आयज आमकां घट धरून राव तूं. नाजाल्यार सोमतोच धेंगांनी भितर वयशी, आमकां भायर काडूंक कुस्तार जातलो ...हा हा हा."

"हांव आसतना कोणेंच भिवपाची गरज ना, तुमची गरमी काडपाक हांव तुमकां दुसरेकडेन व्हरतां. बरो माल आसा थंय."

"म्हणजे आयज रातीं आमचो स्पॉन्सरर तूं तर."

"तुमकां आनी ना म्हणटां हांव? कासिनोच्यो टिकेटी बी सगळें म्हाका पावलें. या आमी."

"काका. हे तसले व्हडले बोटीर म्हाका केन्ना व्हरतलो?"

टिवीचेर दिसपी पॅसेंजर बोटीक बोट दाखयत सोमेशाचे धुवेन सिद्देशाक प्रस्न विचाल्लो. रातीची माल्लेली निवळटां निवळटां जड तकलेन फातोडेर शुद्दीर येवचो तसो ते चवकांत बसलेले कडेन भाचेच्या प्रस्नान शुद्दीर आयलो.

"हय बाय. मायनींग सुरू जालें काय रोखडींच या आमी हां. हांव व्हरतलों तुका तसले व्हडले बोटीर."

"बरें काका."

तें बाबडें न्हंयचे देगेर लायल्ल्या पनेळा सारकें शांत बसून टिवीचेर व्हडली बोट पळयत रावलें.

"सिद्देश. आयज-फाल्यां करीत आतां दिवाळी सोंपली. एक म्हयनो जालो. हांवें खटपट करून कुडचड्यार बस स्टॅंडार दीन दयाल योजनेचो गाडो आमकां जाय म्हणू फॉर्म भल्लां. हांगासल्ल्या कितल्याशाच जाणांनी आपापले गाडे चालू केले. हांवें फॉर्म भरून तुका लागोन तो गाडो घेवन दवल्ला. तूं आजून कांयच काना-मनार घेयना. तूं फाल्यांच्यान सुद्दां वयता

जाल्यार आमकां गाडो चालू करपाक मेळटलो. कितें विचार करता? सांग तरी म्हाका, पप्पा तूं तरी समजाय तेका.''

''बाबा आयक. पयलीं सारकी परिस्थिती आतां ना. भायर आमी कितलेय पात्रांव म्होणोन मिरयलें जाल्यार तें घरान उपकारता? सोमेशाक पळय आतां म्हयनो जावन गेलो तो गाडी चलयता. तेची बायल थोडें शिवण-सूतय करता. फाल्यां तुमी दोनाचीं तीन जातलीं. तूं असोच रावोन कशें जातलें. आमी जाण्टेलीं आयज आसा फाल्यां ना. असल्यांनी तूंच विचार कर कितें करपाक जाय तें.''

न्हिदपाक म्हणून सिद्देश न्हिदलेलो खरो पूण परिस्थितीन उपरासलेलो अनपेक्षीत प्रस्न कसो सोडोवप ह्याच हुस्क्यान ताचें मन भितरल्यान जागेंच आसलें. तो आरतो-परतो घुंवोन अंकिताक पळयतालो. मायनींगांतलो झपाट्यान मेळपी पयसो आनी आतां बिस्कुत्यो, पिपिरमिटां बी विकून मेळपी दिसोवड्या सारकी जोड, आतां मेरेन मारिल्लीं वाळेस, बिनधास्त, बेफिकीर फोल्गां आनी चिरिमिरी मेळपी चिल्लर पयशे आनी काटकसरी जीण हांचे मदीं तो बरोच बुचकळिल्लो. शिवानंद पात्रांवालो पूत, स ट्रकांचो येदो व्हडलो पात्रांव गाड्यार रावतलो? पूण असल्यांनी घरांत खातलो कितें? बापायच्या खुस्तार बायलेक पोसतलो तरी कितें? असल्या असंख्य प्रश्नांच्यो जापो सोदतां सोदतां फांतोड उदेली.

रांदचे कुडींत सकाळीं च्या करतना अंकिताक सिद्देश कुशीनच्या रुमांत भायर-भितर जाता हाची जाग येताली. तो खंय तरी वचपाक तयार जाता हाचो अदमास ताका आयलो. ताणें बेगीबेगीन च्या, पाव आनी भाजी हाडून मेजार दवरली आनी तो येवपाची वाट पळयत बसलें. मेजा कुशीच्या दिवाण्यार आशिल्ले फायलीक हात घालून ताणें तो गाड्याचो फॉर्म लागीं दवल्लो.

''तूं म्हजें उतर केन्नाच टाळचो ना म्हणून म्हाका खबर आशिल्ली. तुवें समजिकाय दाखयली म्होणोन म्हाका मनांतल्यान बरें दिसलें. हो पळय फॉर्म. हांवें सगलें भल्लां, तूं परत एक फावटीं वाच आनी सायन कर. मागीर दिवन येवया.''

"तुजें चिंतप सगल्या वटांनी सारकें आसा गो, म्हाका मान्य. तो गाडो आमी घेवया. आमी तो चलोवचो असो निर्णय हांवें घेतला. पूण, म्हाका दिसता म्हाज्या धावे मेरेनच्या शिक्षणाचो थंय कांयच व्हडलो फायदो जावचो ना. तू कॉमर्स शिकलेलें आसा. तो गाडो तूं चलय. थंय तूंच सायन कर. गाड्यार रावोन तुवें आमच्या खातीर काम केलें म्होणोन कांय वायट जावचें ना. हांव आसां तुज्या वांगडा. पूण सद्या ट्रकांक म्हाजी चड गरज आसा. म्हाका मायनींग सुरू करपाच्या विशयाचेर आयज ट्रक पात्रावांची मायन मिनिस्टरा वांगडा मिटींग आसा. हांव थंय वयतां. येवपाक वेळ जातलो."

●●●

5.

सांडिल्ली गाय

"सुलूऽऽऽ ये सुलूऽऽऽ खंय गेलें गो? तीन दीस जाले तुका सोदतां. सुलूऽऽऽ."

"किदें जालें गो आकू? सुलू खंय गेलें?"

"पळय मरे तीन दीस जाले. पोर खंय गेलें तें गोठ्यांत येयलेंच ना. तुवें बी खंय पळयलां?"

"ना गो. हांवेंय पळोवना. फाटले चार दीस जातले. एक दीस सकाळीं हांगा येवन म्हाजे कडल्यान पोळे खावन गेल्लें याद आसा म्हाका. मागीर दिसलें ना तें म्हाका. हरशीं केन्नाच अशें ना जायना न्ही गो तें."

"ना जाता केन्नाय, पूण अशें न्हू. तीन दीस जाले व्हियेलां तें आनी तें पाडूक बाबडें आवयच्या दुदा बगर गोठ्यांत वळवळटा तें पळोव नजो म्हाज्यान."

"सुलू व्हियेलें? आनी त्या पोराक सांडून अशें खंय गेलें तर गो तें?"

"म्होणोनूच तर चड हुस्को जाला न्हू रे. खंय सोदूं कांयच समजना."

"खंय खंय सोदलें तर तुवें?"

"सगल्याक सोदलें. सकयल नारायणाल्या शेता कडेन पळयलें, थंय ना. आमच्या काजींनी पळयलें, थंय ना. घरा फाटल्यान दोंगरार रानान गेलां जाल्यार पळयलें, थंयूय गेलें ना. दुबाव म्होणोन देवळा कडले तळयेर सोदलें. खंयच ना."

"आसूं हुस्को करू नाका तूं. हांवूय पळयतां खंय लागीं दिसता जाल्यार."

"म्हज्या घरा कडल्यान आकूलें घर फकत दोन घरां सोडून आसलें. म्हज्या भुरगेपणांत ताचे कडेन खूब गायी आसल्यो. ह्योच गायी आनी थोड्योश्यो काजी तिका घोवा उपरांत सांबाळटाल्यो. जाणटेपणान इतल्यो गायी सांबाळपाक शरिराक परवडना जाल्ल्यान ताणें कांय गायी विकल्यो. कांय मर्दी दुर्येसांनी भायर पडल्यो. ह्या सगल्यां उपरांत उल्लें तें सुलू."

सुलू म्हणजे आकूलें सुलक्षा. शांत, निरोगी, सामकें मनशाळ्ळें, पाडकांचो सांबाळ करपी, दुदाक बरें अशे साबार गूण आनी लक्षणां पळोवन ताका सुलक्षा नांव दवरलेलें. रंगान इल्लें काळें आनी मातये कोराचें जाल्यार मर्दी खंय खंय धवे थिपके आनी खतां. सुलूक कितेंय खावपाक दिवपाक मुद्दाम आपोवपाची गरज नासली. तें आपल्या थारलेल्या वेळार येवन दारांत उबें रावतालें आनी तेका कितेंय दी मेरेन थंय सावन हाल नासलें. म्हजो तर ताचेर सामको जीव.

"सुलूऽऽऽ ए सुलूऽऽऽ"

आकू वांगडा हांवेंय सुलूक उलो मारपाक सुरवात केली. तरी ताचो पत्तो लागनासलो. घडये तें खंय तरी लागीं आसूंक जाय आनी आमचो आवाज ताचे कडेन पावना आसत असोय विचार म्हज्या मनांत येवन गेलो. म्हाकाय आतां खूब हुस्को जावपाक लागलो. घरा भायर कोण येता वता ताका हांव सुलूक पळयलां जाल्यार विचारपाक लागलों. सगले जागे पळोवन जाले. उरलेलें ते फकत म्हज्या घरा मुखाल्लें एक कुळागर. हांव आकूक घेवन एका धांवांतल्यान कुळागरा भितर सल्लों. कुळागरांत फुडें वतां तसो आमचो उलो

सुलूक नेटान सादोवपाक लागलो. आकूचो उलो सादता तसो खंयच्यान तरी पयसुल्यान खोल जाग्यांतल्यान हामेवन दिल्लो प्रतिसाद आयकपाक येवपाक लागलो. त्या प्रतिसादान आमच्या तोंडार इल्लोसो समादानाचो पूण प्रस्न चिन्नांचो भाव उदेलो. आवाजाचे दिकेन आमी माडयां मदल्यान चलपाक लागलीं आनी थोडींच पावलां मुखार पावलीं तेन्ना जें पळयलें तातूंत त्या खिणाक आमचो आवरोच उडलो.

त्या कुळागरांत नव्यानूच मारपाक सुरवात केल्ले, सुमार वीस हात मारून जाल्ले बांयंत कमर भर उदकांत सुलू पडलेलें. कितल्याशा दिसांच्या आपल्याच शेणा मुताच्या तांबड्या काळ्या रेबडांत तें बुचकळटालें. ताच्या दोळ्यांतल्यान व्हावून तोंडा वयल्यान देवोन सुकलेलीं दुकां त्या मोन्या जिवाक भोगलेल्या त्रासांची गवाय दितालीं. बांयचें उदक ताका पोटा इतलें आशिल्ल्यान फाटले तीन दीस तें बसूंक सुद्दां पावलें ना हें स्पश्ट कळटालें. वयल्यान उपाशीं आनी आसलें हें चितून म्हजो जीव चड चिटमिट्टालो.

आमच्या उल्याक भिडलेली ती आशेची नदर उपाशीं पोटार आदारा खातीर वळवळून उलो मारताली. आपल्या पोराच्या हुस्क्यान व्हांवताले ते दोळे म्हज्या काळजार वेदनेचे घावे घालताले.

''एकटेंच रे पोर तें म्हागेलें, आनी कोणाचोच आदार ना म्हाका. कशें वाचोवपाचें तेका. कित्याक गेलें गो तूं थंय? तुका किदेंय जाल्यार त्या पोराक कोण पळयतलो गो? सुलू. अशे कशें पडलें गो तूं भितर?''

आकूची प्रतिक्रिया येवप सवाबीक आसलें. ताका हे दशेंत पळोवन आकून आक्रोश करपाक सुरवात केली. ताचो हो बोवाळ आयकोन रस्त्या वयल्यान येतलो वतलो किदें जालां हाची जाग घेयत कुळागरांत भितर सरपाक लागलो. आकून केल्लो आकांत पळोवन वाड्या वयल्या जमलेल्या लोकांकय ताची खूब काळकूट आयली.

'सुलूक कशें वाटोवप!' थंय जमलेलो दर एकलो आपापलो उपाय सुचयतालो. कोण राजू, कोणे बी जमोवपाक लागलेले. पूण प्रत्यक्षपणान भितर देंवपाचें धाडस करप कोणाकूच शक्य नासलें. ताका एक कारण

आसलें. सुमार तीन दीस उबें आनी उपाशीं आशिल्लें सुलू सामकें चाळवल्लें आनी उदकांत इल्ली सुद्दां हालचाल जाली जाल्यार उदकांत तकली, पांय नेटान झेडपून खुबळटालें. अशे अवस्थेंत कितें तें वयल्यानच करपाचो मार्ग आसलो. पूण कशें करप हो प्रश्न थंय आशिल्ल्या जण एकल्याच्या तोंडार दिसतालो. पूण म्हजे तकलेंत कितें वेगळेंच चलतालें...

"हॅलो कुडचडें फायर स्टेशन?"

"हय"

"हांगा धड्यार एक गाय बांयंत पडल्या, काडपाक तुमची मदत जाय. जाता जाल्यार मातशे बेगीन पावतात? व्हडले उपकार जातले. आमी आमचे परीन प्रयत्न केल्यात पूण."

"बरें आमी पावतात."

"हांव रावतां तुमकां वाटेर."

म्हज्या आवाजांतलो हुस्को ताका जाणवलो आसतलो म्हणून ते वटेनच्या मनशान म्हाका आनीक कांय सांगलें ना. सगलीं साधनां घेवन जर कोणूय मदत करूं शकताले जाल्यार ते तेच आसले.

फायर स्टेशनाचे मनीस पावले तेन्ना वाड्या वयले कांय लोक थंय आपले पद्दतीन प्रयत्न करीत आसले. कोणे, दोरी, राजू हांच्या आदारान हे प्रयत्न आतां आनीक नेटान सुरू जाले.

सुरवातेक दोन जाड राजवांचे फांस तयार करून कोण्याच्या आदारान बांयचे धडे वयले मोव मातयेर उबे रावन बांयंत देंवयले. हो फास सुलूच्या पांया पोंदच्यान पोटाक वेटाळो घालपाची ही कसरत आसली. पूण जाय तसो वेटाळो पडना जालो. तें बांयंत पातळायल्ल्यो फांसाचेर उबेंच राव नासलें राजू केन्ना फुडल्या पांया मदल्यान वचून गळ्याक फांस पडटालो. पूण पुराय फुडल्या पायांतल्यान राजू वचून पोटाक वेटाळो पडप कुस्तार जातालें. तें इल्लें पोटा कडेन मोटें आशिल्ल्यान फाटल्या पायां कडल्यान घातलेलो फांस पोटा कडेन निसरतालो. दोनूय कडल्यान घालपाक प्रयत्न

केल्लो फांस ताका एका बराबर चड नासलो. नुस्तें गोरोवपाक गरी घेवन रावचें पडटा तशें फांस केल्लो राजू घेवन ताचे हात पांय जोकचे पडटाले. राजवाचो फांस ताच्या पान्याचेर येवचो ना हाची जतनाय हांव आनी आकू थंय उबीं रावन दांड्याच्या आदारान घेतालीं.

बांयचे भोंवतणी धडेर सगली चिकचिकीत माती आशिल्ल्यान थंय तोल सांबाळून हातांत राजू आनी कोणे घेवन उबे रावन रेबडांत उबे आशिल्ले एके गायेक फांसांत बांदप हें थंय हात पांय मारपी दर एकल्या खातीर एक व्हडलें आव्हान आसलें. आनी खवदळिल्ल्या उदकांत उबी रावन जमलेली गर्दी पळोवपी एके आवयक थंडावप हें दोळ्यांनीच चललेलें एक शांत आनी संवेदनशील झूज आसलें.

गर्दी पळोवन सुलू मदीं मदीं खूब काचाबूल जातालें. आपल्या पाडकाचो हय न्हय असो आवाज कानार आयकपाक येतालो तेन्ना आवाजाचे वटेन कान हालयतालें. तेन्ना ताची ती मनांत सगलें आसतनाय उलोवन सांगूंक शकनाशिल्ली दोळ्यांत दिसपी दुर्बळकायेची व्यथा आनी मुकाट नदर म्हज्या दोळ्यांनी परत परत दुकां हाडटाली.

सुमार वर भर सायास करून आतां दोनूय फांस आंगाक इल्ले सदळ बसले. तशी ताका वयर काडपाक सुरवात जावपाक लागली. राजवांचीं चारूय पोतां सगल्या वटांनी माडयांक, पयस आशिल्ल्या मांडांक आनी लागीं आशिल्ल्या एका पणसाक व्हरून घट बांदलीं. वोडपा खातीर धडेर आशिल्ल्या सगल्यांनी मेळून राजवाक हात घातले. पूण सामकी उचांबळ जाल्ले गायेक वोडून वयर काडप तितलें सोपें नासलें. सुलूक वयर काडटना वणटीक घश्टुचें न्ही म्हणून मदल्यान काडपाचें थारलें. मदल्यान वयर वोडपाक झेत मेळचो म्हणून दोन व्हडलीं आडबरां हाडून बांयचेर आड घातलीं आनी दोनूय पोतांचेर चिरे लायले. कळसुली भरपाक राजू बांदतात अशे पद्दतीन सगली मांडावळ केली. राजू सगल्यांनी आसा थंय सावन वोडून धल्ले. वाड्या वयले लोक आनी फायर स्टेशनाचे सवूय मनीस आतां सुलूक सवकास वयर वोडपाक लागले. तसो हड्डुया पोंदच्यान आनी कमराक पडलेलो

फांस ताच्याच वजनान बरोच घट आवळ्ळो. तो फांस इतलो घट घातला खरो पूण ताका वयर काडल्या उपरांत तो सोडोवप कसो आनी कोणें हो प्रस्न थंय आशिल्ल्या दर एकल्याक पडलेलो. कारण, वयर येयना फुडें तें भेंवतणी आशिल्ल्या कितल्याश्या जाणांच्या आंगार वचून धपके मारतलें, शिंगां मारतलें हो भंय सगल्यांकच आसलो.

सवकासायेन वयर काडलेलें सुलू आतां बरेंच वयर पावत आयल्लें. बांयच्या तोंडा कडेन पावलें तशें सगल्यांच्या तोंडार उमेद दिसपाक लागली. पूण भितरले भितर त्या विशेक जाणां मदलो दर एकलो मेळटा थंय आपणाक दडपाक दोळ्यांनीच एक खांच सोदपाक लागलो.

"कडेक सरात रे, जागो इसकळ करात."

"वयर पावोन जमनी वटेन वोडलें काय राजू सोडून दिपव. समजले?"

"पूण फांसाची गांठ कोण सोडयतलो?"

"तूंच वच मरे. तूं फ्रॅण्ड मरे तिजो."

"आकू कशें सोडुया गो तेका?"

"फांस बरोच घट आवळ्ळा तो. पोराक त्रास जाता आसतले."

"पावलें. आनी मातशें वयर."

"पांये सामाळा रे."

"धडेर घे... धडेर घे..."

"आडबरां आयल्यान घेया रे."

"नेटान वोडा."

"हांव सोड म्हणटां तेन्ना वांगडाच सोडा सगले."

"आनी इल्लें धडेर येवनी."

"सोऽऽऽऽड."

मातयेर येवन पडलेल्या सुलूची रेब्यांत लेपडल्ली दशा पळोवन सगलेच ताका भिल्ले. राजू इल्लो सदळ सोडून सगले आपलो जीव सांबाळून मेळत तशे धांवट सुटपाक लागले. कोण मेळटा ते माडयेक धरून उबो रावले. तर कोण माडाच्या आडसाक गेले. ताका पळोवन हांव आनी आकू बी भिल्लींच

नाय जाल्यार... पूण थंय कितें घडलें तें सगल्यांचे कल्पने भायलेंच आसलें.

सुमार तीन दीस, दोन राती हे नवेच मारपाक सुरू केल्ले बांयंत कोणाचीच जाग माग नासतना जगा कडल्यान पयस, दोळ्यांनी फकत हुस्क्याचीं दुकां आनी तोंडांत फकत मोनेळ घेवन सुलू रावलें. आतां त्या मोनेळाक वाचा फुटलेली. व्हडल्यान हामेवपाक ताका आतां बळ मेळ्ळें. आंग पांग जाय तशें हालोवपाक मेकळी जमीन मेळ्ळी. घोटून दवरलेलो वेदनेचो बांद आतां फुटपाक पावल्लो. सगले बंदपास एका नेटाच्या धपक्यान सुटलेले.

गोंदळिल्ले सगले लोक म्हाका मारता काय ताका मारता अशा नदरांनी सुलूचो थाव घेताले. पूण थंय आशिल्ल्या कोणाकूच आपलो नेम करी नासतना सुलून कुळागरांतल्यान भायर वचपाचे वाटे कडेन वाऱ्याच्या वेगान पांया पोंदची माती पांयानी फापशीत धांव घेतली. त्या खिणाक आपणाक दोन घट फांस बांदलेले आसात हाचेंय भान ताका उल्लें ना. मातृत्वाची तुटलेली नाळ जोडपाक मारिल्ली ती एके आवयची धांव आसली. ते नाळीनूच ताका त्या फांसाची गांठ तोडून वचपाचें बळगें त्या खिणाक दिलें. तो फांस तोडून त्या वांठाराचे कान चिरपी आवाजान हामेत तें फकत आपल्या तीन दिसांच्या कवळ्या पाडकाचो थाव घेत गोठ्या वटेन धांवलें. सुलूचो हामेवपाचो आनी धेंपां धोडायत धांवपाचो आवाज कुळागरांतल्यान गोठ्या मेरेन पावता पावता जसो ल्हान जायत गेलो तशी ताच्या मातृत्वाची आनी वात्सल्याची सया पाडकान घोटलेल्या दुदाच्या दर एका घोटा वांगडा सगल्या वाठाराक सुखायत गेली.

●●●

6.

ड्रायवर

कोडले मायनी वयल्यान दिसाची दुसरी ट्रीप घेवन भायर सरता म्हणसर सुनीलाक सकाळचीं इकरा वरां जालीं. थंयच्यान सुमार धा किलो मिटर सांवड्डें आनी फुडें दोन किलो मिटर कापशें. तशे बारा किलो मिटर व्हडलें अंतर न्ही पूण, ह्या मायनींगाचो ट्रांसपोर्ट चलपी रस्त्यार कितें सुनिलाचो एकल्याचोच ट्रक चलता? सुमार चार पांच हजार ट्रकांची सदची येरादारी सांगें, कापशें, केपें, सुळकर्णें, सांवड्डें, कोडले, नावेले ह्या रस्त्यार चलता. पयसुल्ल्यान हो रस्तो पळयत जाल्यार केशरी रंगाच्या हुमल्यांची रांक कशी दिसूंक लागता. वयल्यान रस्ते अरूंद जाल्ल्यान येरादारी गोगोलगाये भशेन चलतना दिसता. मर्दी धुल्ल, धुवराचो आनी इंजीनाचो हुलोप, आनी ट्रकांत मारपी गरमेचे जाळ हें सगळें सोंशीत केन्ना वेगान तर केन्ना सवकास चलयत आपली ट्रीप कापशां रकोवन परतता म्हणसर सुनिलाक पावणे एक जालें. भायर एक नदर मारीत वताचो चुरको घेयत तेणें घडयाळीर नदर माल्ली आनी बायलेन दिल्ल्या जेवणाच्या डब्याक पळयलें. सांवड्ड्यां पावता म्हणसर आपणाक खंय तरी रस्त्या कुशीक ट्रक थामोवन जेवपाक मेळटलें अशें

थेवजून फुडल्या ट्रकांची हालचाल लक्षांत घेयत तो फुडें वचपाक लागलो.

सुमार एकाक तो सांवड्ड्यां पुला कुशीक सेजाच्या प्लॉटा कडेन रावलो आनी हात धुंवपाक सकयल रिकामी बाटली घेवन नळार गेलो. हात धुंवन तेणें पिवपाक एक बाटली भरली, आनी तोंडार उदक मारलें. तशी आंगांतली गरमी थोडी उदकाचे धारेंतसून देवन थंडावली. ते सरशीं तो परतो ट्रकांत चडलो. दार मारून दाराचो हांरसो अर्दो चडयलो. सुनिलाचे नदरेच्या अस्करांत दिसता थंय मेरेन अशेच कांय ड्रायवर आपले ट्रक थारोवन जेवपाक रावल्ले तेका दिसताले. जेवणाचो वेळ जाल्ल्यान रस्त्यार गाडयो उण्योच आशिल्यो आनी इश्कोल सुटपाचो वेळ आशिल्ल्यान कांय पालक आपल्या भुरग्यांक गाडयेर बसोवन येताले.

सकाळ ते दनपार मेरेनचो सगळो शीण देंवयत तेणें तोंड पुसलें. भुकेल्ले जिबेन डब्या वटेन हात घातलो आनी डबो उगडून एक फावट ट्रकाचें कॅबीनभर पसरलेल्या जेवणाच्या वासान एक खोल श्वास घेतलो. त्या वासा सरशीं तेका आपले बायलेची जेवण रांदतनाची मुर्त याद जाल्या बगर रावली ना. तेणें तेच भाव तोंडार दवरीत जेवण कालोवपाक सुरवात केली.

"हें पळय दनपरां जेवपाक चड वेळ कोरू नाका आं. मातसो बेगीनूच जेव आनी दोन मेरेन ट्रकानूच इल्लो सुसेग घे." बायलेचीं सकाळचीं उतरां तेका याद जालीं आनी तो सुसेगाद जेवपाक लागलो. जेवन जाता मेरेन देड जायत येयल्लें.

सांवड्डें-कुडचडें वाठारांत मायनींग येरादारेन लोकांक पयलीं पसून खूब त्रास केला. पयलीं तर ही येरादारी सबंद दीसभर चलताली. पूण आतां सात ते आठ मेरेन आनी दनपरां एक ते दोन मेरेन बंद दवरपाचो निर्णय घेतलेल्या कारणान लोकांचे त्रास थोडेभोव उणे जाल्ले. आतां इश्कोलाचीं भुरगीं सकाळीं वेळार इश्कोलाक पावतालीं. जाल्यार दनपरां इश्कोल सुटल्या उपरांत तेंका पयलीं सारके ट्रकांची आडखळ जायनासली कारण ट्रकांक त्या वेळांत रस्त्या कुशीक विसव घेवपाक मदीं मदीं जागे थारावन दिल्ले आसले.

निकतोच नोव्हेंबर सोंपून डिसेंबर लागलेलो तरी देड दोनाचें वत आपलो रखरख केन्ना उणो करी नासलें. तरी वाऱ्याचो एक झोत आयलो आनी तो इल्लो सुखावलो. तेणें फुडल्या हांरशांतल्यान भायर नदर मारली. पयसल्ल्यान तेका इश्कोलाच्या भुरग्यांचे इल्ले इल्ले चोमे आपापसांत फकाणां मारीत, फाटीर व्हडले बोटवे मारून एकामेका वांगडा जगावयल्यो राटावळी करीत येतना दिसले.

तेणें दोन खीण त्या भुरग्याचेर नदर थिरायली. तातूंत कांय चले एकामेकाचीं फकाणां मारताले तर कांय जाण कसले कसले नाटकी हाव भाव करून दुसऱ्यांक खबरी सांगताले. जाल्यार चलयां मानो सकयल घालून आपल्याच भितर कितें तरी फुतफुतताना दिसताल्यो. तेंची निश्चींत आनी निरागस तोंडां पळोवन सुनीलाक तेंची मजाच दिसली. तेची जेवपाची गती सामकीच थिरावली आनी तेच्या तोंडार विस्मीत अशे भाव उदेले. भुरग्यांच्या हांशाची मोहिनी तेका भुरळ घालून गेल्ली आनी तो थंयच गुल्ल जाल्लो. जेवणाची उंडी आपूण जावन तेच्या ओठां मेरेन पावपाक तेच्या हांतांचे हालचालीची वाट पळयताली.

"येऽऽऽ... माऽऽऽर... माऽऽऽर... माऽऽऽर."

"हाऽऽ हाऽऽ हाऽऽ हाऽऽ. सगळे हांसतात."

"म्हाका भिजयता?"

"बरो पयटालो म्हाका भिजोवन. सारको भिजयलो."

"हे आनी एक माकोड खंयचे कडले."

"तूंच तें खेते."

"घरा उदक ना रे? हांगा उदक सोंपयता तो?"

"तुज्या भावान म्हाका पयलीं कित्याक भिजयलो तर?"

"भिजयल्यार कितें जालें?"

"हांवूय भिजयतलों. तू चड शाणपणा कोरू नाका आं."

"तुकांय भिजयतलों. घेऽऽऽ."

"येऽऽऽऽ."

त्या चेड्यान पोशांत उदक घेवन चेडवांचेर फाफुडलें आनी तो उडयो मारपाक लागलो तसो उदकाचो इल्लोसो शिवोर कॅबिनांत बसलेल्या सुनिलाच्या तोंडार पडलो नी तो भानार आयलो. भुरगीं उदकांत कशीं मजा करतात तें उमळशीकेन पळोवपाक लागलो. भुरगीं पुला आलतडीन ट्रका मेरेन पावल्लीं आनी नळार उदकांत मजा करतालीं.

तीं सगलीं भुरगीं थंयच्यान फुडें सरल्या उपरांत फाटल्यान एक दुसरो चोंबो येतालो. तांच्या खबरांचेर कान लायत सुनील परतो जेवपाक लागलो.

"आयज मगो हांव, मम्मा आनी पप्पा कोलवा भोंवपाक वयतलीं."

"म्हाका आयज पप्पा पिच्चराक व्हरतलो. काल तेणें चार तिकेटी काडून हाडल्यात."

"म्हाका मरे दादान नवी व्हिडियो गेम हाडल्या. तूं यो आं खेळपाक."

"तुजें बरें, तुजो भाव भायर आसता. हांवूय पप्पाक सांगतलों म्हाका गेम हाडून दी म्होणोन."

"फाल्यां आयताराक आमी साईशाल्या थंय क्रेकेट खेळपाक या."

"बॅट म्हाजें, पयलीं बॅटींग हांव करतलों."

"आनी बॉल कोणालो?"

"रोहन तूं बॉल हाड."

"बरें."

हिवूय भुरगीं इल्लीं विस्कटत गेलीं. तसो तांच्या खबऱ्याचो आवाजूय लागीं येवन वचपी गाडयांच्या आवाजा भशेन मोटो जायत मागीर सवका बारीक जायत गेलो. पूण कॅबिनाच्या हारशांतल्यान सुनीलान फाटल्यान पळयलें. तेन्ना पयस पावत आयल्ल्या त्या भुरग्यांच्या हांतांच्या हाव भावां वयल्यान तांच्या खबऱ्यांचो नेट तेका समजतालो. ताणें धादोसकायेचो एक सुस्कार सोडलो आनी ताका आपलो हात सुकपाक लागला म्हणपाचें

जाणवलें. आनी तो जेवणाचीं आयदनां एकठांय करपाक लागलो.

जेवन हात आनी आयदनां धुल्या उपरांत तो परतो ट्रकांत चडलो ते मेरेन पावणे दोन जाल्लीं. तो जेवणाचो डबो लेसांत बांदपाक लागलो आनी भायर नदर भोंवडायत पयस पयस दिसपी भुरग्यांक पळयत तो आपल्या भुरगेपणांत गेलो.

सुनीलाचो बापूय सोऱ्यान सोंपलो तेन्ना सुनील सातवेक आशिल्लो. आनी तेच्या फाटल्यान धाकलो भाव शिकतालो. आवयन कांय लोकांगेर काम करून तेका असो तसो णववे मेरेन तेदे वेळार शिकयलो. पूण एकली आवय कितलें जोडटली आनी तिगां जाणांक कशी पोसतली हो प्रश्न तेका त्रास करपाक लागलो. बापूय मरतना आशिल्लें नाशिल्लें सगळेंच सोऱ्यांत घोळोवन पिलो. आपल्या फाटल्यान तेणें कोणाक खऱ्या कोतान कांय दवरलें ना. पूण हे परिस्थितींत सामको ल्हान आसतनाच घराचें वजें उबारपा इतलीं ताचीं भुंजां घट जालीं.

पयलीं पसून सांवड्ड्या, कोडले, दाबाळ, कश्टी, आंब्याउदकार, पेरीउदकार, काल्यां बी वांठारांत चडसो लोक मायनींग ट्रांसपोर्टांत आशिल्ल्या कारणान ताका धरून सट काडप, गॅरेजींत लोखंड धोडावपाचें काम, गाडयांच्यो पट्ट्यो नीट करपाचें काम, ट्रकांचें ऑयलींग, ग्रीसींग, वॅल्डींग, टायरांचें रिमोल्डींग करप टाकी गॅस वॅल्डींग, स्प्रे पेंटींग बी असलीं कामां हांगा चड चलतालीं. सुनील असोच कोणाचे वळखीन एक दीस एके गॅरेजींत टायरांचें काम करपाक लागलो थंय ट्रक स्टार्ट मारप, स्टॅरींग घुंवडावप, काव मारप, रिवर्स बी मारपाक सवका सवका तो शिकलो.

''आई आतां तूं कसलोच हुस्को करूं नाका. आतां हांव कितें ते जोडून हाडटलों. तुवें त्रास काडले ते आतां खूब जाले. आतां म्हाजी पाळी.''

अशें आवयक सांगून ट्रकार एक दीस क्लिनर म्हणून चडलो तो मागीर सुमार पंदरा वर्सां थंयच ड्रायवर जावन उरलो. इतलीं वर्सां ट्रकाचें स्टॅरींग

घुंवडावन हातांक पडलेलीं खिणा तेणें कोणाक केन्ना दाखयलीं नात. आवय भाव आनी आतां बायल भुरग्यांक सूख शांती मेळची म्हणून आपूण ट्रकांची घरघर आयकत जगलो. ताचें भुरगेपण इश्कोलांत घालोवपाक जाय आसली ती पिराय तेणें देवसू मेस्त्रील्या ट्रकाचेरूच ट्रिपी मारपाक खर्चाक घातली.

ताच्या दोळ्यां मुखार ट्रकांचो व्हडलो एक ब्लॉक तयार जालो. सुनील सगल्या ट्रकां मदीं घुस्पलेलो. इश्कोलाचीं भुरगीं, पोरण्यो यादी, रस्त्या वयलो धुल्ल, ती घरघर सगलें एक जावन तेच्या दोळ्यां मुखार धुकें निर्माण जालें आनी फाटल्यानसून मोठ्यान ट्रकांचे हॉर्न तेच्या कानार सादले. ताची तनरी तुटली. ताणें आंग काडलें आनी तो कांचवेलो. पळय जाल्यार दोन जावन गेल्लीं. फाटल्यान ट्रकांची लांबचे लांब रांक लागपाक लागलेली. तेणें दोळे पोशेले आनी रोखडोच ट्रक स्टार्ट केलो. हांरशांत दिसतालीं त्या भुरग्यांची सुवात आतां ट्रकांनी घेतलेली.

आपल्या देड वर्साच्या पुताची मुर्त दोळ्यां मुखार हाडीत आनी ''म्हज्या साहिलाक म्हाज्या सारके त्रास हांव केन्नाच जावंक दिवचो ना'' असो निश्चय मनांत करीत तेणें पयलें गियर घातलें आनी तो फुडें गेलो.

दिसाची चवथी आनी निमाणी ट्रीप सोंपोवन घरा कश्टी पावता म्हणसर सुनीलाक सांजेचीं सात साडे-सात बी जातालीं. वयल्यान फाल्यां आयतार आशिल्ल्यान आयज तो ट्रक घेवनच घरा येयल्लो. दुसरे दिसा ट्रक पयलीं गॅरेजींत व्होरोन मागीर धुंवपाक व्हरपाक बरो म्हणून.

जेवन जाल्या उपरांत तेणें साहिलाक खाटीर मदीं घातलो आनी आपूण तेचे एके कुशीक आड पडून तेका सवकासायेन अळंग हातांनी आंगाक उब मेळची इतले गतीन थातारून न्हिदोवपाक लागलो. तेची सपनाळी नदर आपल्या पुताच्या निरागस तोंडा वयल्यान मातय हाल नासली. तो आपल्याच संवसारांत गुल्ल जाल्लो. भितर सुनील साहिला कडेन उलयता-खेळटा म्हणपाची जाग घेयत आपलीं सगलीं कामां निभोवन योगिता न्हिदपाक भितर सरलें. दाराची खिळी घातली आनी सपनाळे गुंगेंत गेल्ल्या सुनीलाच्या

हाताक हात लायत तेका विचारपाक लागलें...

"किदें जालां आयज? बाबूक पळयत असो किदें चितता?"

"कांय ना, बाबूच्या फुडाराचें चित्तालों."

"फुडारा विशीं? आयज अशें अचानक किदें जालें?"

"आयज दनपरां न्हू सांवड्ड्यां हांव जेवपाक रावल्लों तेन्ना इश्कोलाचीं खूब भुरगीं येतना पळयलीं. तेंकां पळोवन म्हाका म्हाज्या भुरगेपणांतले दीस याद जाले."

"अशें किदें करी तर तीं भुरगीं?"

साहिलाचो फुडार आनी सुनीलाचें भुरगेपण हांचो संबंद जोडीत विशयाचे खोलायेचो थाव घेयत तें सुनीलाक नमळायेन विचारपाक लागलें.

"म्हाका शिकपाची खूब इत्सा आसली. शिकोन टिचर जावपाक जाय आसलें. भुरग्या वांगडा वेळ सारपाक जाय आसलो. तेंका खूब किदें शिकोवपाचें आसलें. तेंका बरे मनीस आनी नागरीक करपाक जाय आसलें. पूण म्हाज्या वांट्याक शिक्षण येयलें ना. तें सपन सपनूच उरलें. हांगा सदां धुल्लूच खालो. कश्टान हें घर उबें केलें. आमचो आनी धाकल्याचो संवसार उबो केलो. आईक जाता तितलें सूख दिलें. पूण हो ट्रकांचो धंदो आनी म्हाला फाटल्यान धांवधपट्यो केन्ना सोपच्यो नात. हें हांव जाणा. तूं जाणा योगिता...तीं भुरगीं कितलीं खूश दिसतालीं तीं? तेंच्या तोंडार एक वेगळीच उमेद आसली. आपलें भुरगेपण कितल्या मेकळेपणान जगतालीं तीं. कोणाचो भंय नासलो, हुस्को नासलो. आवय कोणागेर काम करून घर चलयता म्हणपाचें दुख्ख नासलें. सोऱ्यान बापूय सोंपत येयला म्हणपाची चिंता नासली...

सुनीलाचीं उतरां आतां वोलीं जावपाक लागलीं. तेच्या उलोवपा फाटलीं गांभीर्य योगिताक जाणवलें. योगितान आपल्या हातांत ताचो हात घेतलो आनी तेका थातारलो.

"तूं जाणा योगिता. त्या भुरग्यांक पळोवन हांव खूब्ब कळवळ्ळों.

म्हाका बाबूची खूब्ब याद येयली. आमी न्हू बाबूक खूब शिकोवया. बरो टिचर करया. तेका किदें जाय जाय तें सगळें दिवया. हांवें हांगा मायनींगान म्हज्या वांगडचे भुरगे कसले कसले धंदे करतात ते भुरगेपणांतल्यान पळयलां. आमी सदांच बाबूक हेंच्या पसून पयस दवरया...''

आपलीं सपना, भुतकाळांतल्यो वेदना आनी फुडाराचो हुस्को हेंचे मदीं पुताच्या मोगाच्या घट्ट पासान आवळून फुगार जाल्लो सुनील जात्रेंत खेळणें मागतल्या भुरग्या सारको गळवज्ञेक येयल्लो. त्या खिणाक तेचो आदाराचो खांबो जावन उबें रावल्लें योगिता तेका तेच्या पुताच्या आंगाचो स्पर्श दिवन थंडायतालें.

''तूं कांयच हुस्को करूं नाका, स्वताचेर आनी देवाचेर विश्वास दवर, सगळें सारकें जातलें. हांव तुजीं सपनां पुराय करपाक सदांच तुज्या वांगडा आसां. तूं भीव नाका.''

ह्या उतरांनी योगितान तेका थंडायलो. आयज आपले कुशीन दोन ल्हान भुरगे न्हिदल्यात हे भावनेन तें तेंका थातारपाक लागलें, आनी न्हिदेचे सुवादीन दिवपाक लागलें.

आपणागेर चेडो जाता सावन सुनील खुबूच खोशी आसलो आनी योगिता वयलो तेचो मोग तर आतां शिमे पार पावल्लो. जाता तशी ट्रीप बेगीन सोपोवन घरा येवप, घरकान्नीक आनी चेड्याक वेळ दिवप असलें आतां तो आपुलकेन करपाक लागलेलो. साहिला बरोबर किटकिटप, तेका हांसोवप तेचे लुडबे भाशेंत उलोवप, तेका केन्नाय धरून पासयेक व्हरप बी सदां चालूच आसतालें. पयलेच फावटीं साहिलान आपले लुडबे भाशेंत ''माऽऽऽ'' आनी ''पाऽऽऽ'' म्हणलेलें तेन्ना तर तो नाचत गांवभर इश्टांक बाबू उलयता हें सांगत सुटलेलो. चली रेऽऽ चली रेऽऽ करून तो तेका केन्ना केन्ना आपल्या पांयांचेर उबो करून आपल्या हातांनी तेका वयल्यान धरून चलोवपाचो बी खेळ खेळटालो. आपल्यो गरजो खंयूय पावूं पूण घरकान्नीक

आनी चेड्याक तो कांयच उणें पडपाक दी नासलो. साहिलय सुनिलाची येवपाची वाट पळोवपाक लागलेलो. ट्रकाची घरघर आनी हॉर्नाचो आवाज सकाळ सांजे कानार पडलो काय आपले भितर कसले कसले आवाज काडून नेटान हात पांय मारतालो. केन्ना केन्ना तर तो ट्रकाच्या आवाजानूच धेमकुऱ्यानीच चवके मेरेन धपरां मारीत येतालो.

आयतारा दिसा सकाळीं अकरांच्या सुमाराक सुनील घरा फुडल्या पोरसांत ट्रक धुतालो जाल्यार योगिता कपडे धुंवपाची तयारी करतालें. साहील, सुनील आनी योगिताच्या नदरेच्या सुपुल्ल्या आंगणांत उट बस करीत आपले पांगूळगाडयेक धरून चलतालो. मर्दी मर्दी हेर खेळणीं घेवन खेळटालो. तो हालींच इल्लो उबो रावपाक लागलेलो म्हणून साहिलान तेका जात्रेक साकून ही पांगूळगाडी हाडून दिल्ली. तिच्या आदारान तो सवका झेलत हालत उबो रावतालो.

खेळटां खेळटां आपले लुडबे भाशेंत माऽऽऽ पाऽऽऽ म्हणत आनीकूय अस्पश्ट कांय उतरां आनी आवाज लांब सुरान काडीत सुनील आनी योगिताचें लक्ष वोडून घेतालो. दारांतल्यान येतले वतले शेजारी लेगीत साहिलाची धेमकुऱ्यानी जाल्यार केन्ना गाडी धुकलून चल्लेली चाल पळोवन अजाप जाताले. तेका खूब तोखेताले. ‘‘आतां तो सवका सवका चलतलो’’ अशें बी म्हणटाले.

भिजलेल्या आंगान ट्रक धुंवन आतां सुनील निकतोच बकेटांतल्यान देंवलो. योगिताचे हात कपड्यांचेर नेट धरपाक लागले. साहिलाचे पांगूळगाडयेची ती खळखळ एका खिणाक थारली. साहील थंयच आपल्या पांयाचेर झेलत धोलत तोल सांबाळीत उबो सुनीलाक पळयत हात गोल गोल वयर काडपाक लागलो. पाऽऽ, माऽऽ करीत आपली पयली स्वतंत्र चांट मारपाक लागलो.

‘‘योगिता हांगा यो बेगीन, बाबू किदें करता तो पळय गो.’’ अशें म्हणत

सुनील खोशयेन तितलोच आजापान आडुलो. सुनीलाच्या उल्यान योगिता आसा तशेंच धांवन येयलें. आपलो चेडो कसलोच आदार घेय नासतना पयलेंच पावल मारता हाची उफाट खोस तोंडार घेवन तीं दोगांय साहिलाक तोखणायेन आनी अपुरबायेन पळोवपाक लागलीं. यो...यो...करीत तेका वेंगेंत आफोवपाक लागलीं. त्या खिणाक तेंच्या भायर आनी संवसार आसा हेंय तीं पुराय तरेन विसरलेलीं. निरागस हांसो दीत सुनील आनी योगिताचे वटेन हातवारें करीत साहिल आपलीं पावलां फुडें मारीत ट्रका वटेन घुंवलो. ट्रकाक पळोवन हात दाखयत पाऽऽ माऽऽ घेंऽऽऽ घेंऽऽऽ म्हणपाक लागलो. हें आयकून पयले चांटीच्या उमेदी भारार आशिल्ल्या सुनील आनी योगिताक त्या मोलादीक खिणा बरोबर एक अनपेक्षीत धपकोच बसलो. साहिलाच्या तोंडावयली नदर ट्रका वटेन फिरयत तीं दोगांय एका मेकाच्या तोंडाक एका विस्मीत भावनेन पळोवन साहिला फाटल्यान तेका धरपाक धांवलीं.

●●●

7.

डेट

“खंय आसा?”

“कित्याक? कितें जालें?”

“विचारलां तें सांग रे सारकें.”

“घरा आसां.”

“हं.”

“आगो सांग न्हय कितें जालें?”

“फ्री आसा तूं?”

“तीं कोण घरा ना?”

“ना.”

“खंय गेल्यांत?”

“डॅड as usual, Office. मम्मा आनी भाई म्हापशां गेल्यांत. तशींच कळंगूट मावशेगेर वतलीं. सांजे येतना डॅडीक घेवन येतलीं.. they will be getting late.”

“हं.”

"Everything around is safe?"

"Safe? जशें हाचे पयलीं तुकां म्हजे शेजारी पाजारी लागताले कशे."

"सहज विचार्ल्लें."

"सोड."

"येता तूं?"

"कितल्यांक पावूं?"

"सर तूं भायर. मडगांव चार तस्त्यांर पावलो काय कॉल कर I'll keep the gate open."

"Ok."

"मातसो राव. येतां बॅल वाजयत राव नाका. Please."

"दार काडपाक इतलो वेळ कित्याक? खंय आसलें?"

"खंय न्ही. फोन. ना ना. I was having a shower."

"तुजी गाडी तुका भितर हाड म्हणिल्ली मरे हांवें?"

"आतां हाडूं?"

"नाका. आसूं आतां. भितर यो. बस."

"गेट बंद केल्या हांवें. दार बंद करूं?"

"नाका. किर्ते घेतलो तूं?"

"कांय नाका. तूंच जाय."

"हं. म्हाकाय तूंच जाय आसलो, पूण."

"पूण कितें?"

"ना कांय न्ही."

"तुजी कुवाड्यांनी उलोवपाची संवय वच्ची ना न्ही."

"कित्याक वच्ची?"

"असो अचानक कित्याक आपयलो?"

"अचानक किते? तीं अशीं वतलीं म्हणून म्हाका कितें खबर आसली."

"हं."

"तुका न्ही कितें दाखयतां बेगीन यो."

ताच्या हाताक धरून ताका उमेदीन उठयत तिणें ताका हॉलांतल्यान चलत वयल्या फ्लोरार आपल्या बॅडरुमांत व्हेलो आनी आपले खाटीर बसयलो.

"ही पळय म्हजी साडी. कशी दिसता?"

"बरी आसा. कोणें दिल्या? तूं काय साडी बी घेवप्या मदलें न्ही."

"तें सोड रे. कशी दिसता ती सांग न्ही."

"हं. बरी आसा. तुजेर बरी दिसतली."

अशें म्हणत ताणें तिच्या हाताक कीस दिली. साडी पळयतूच तो सवका उठलो आनी तिच्या फाटल्यान उबो रावलो. आनी तिचें मोटवें टॉप इल्लें वयर सारीत तिच्या कमराक दोनूय हांतांनी मोगाळ विळखो घातलो. तिचे केस सोडोवन तिचे माने कडेन सवकास आपल्या ओठांनी खेळपाक लागलो तशी ती लज्जेचें पान कशी शिरंतरां सुखायत आकुडली. दोंगांय सवका सवका मुडांत आयलीं.

"ए कितें करता?"

"तुकां जाय तेंच."

"कोणूय येयत."

"आयज मेरेन कोणूय आयला?"

"राव तरी. दार बंद करतां."

साडी कुशीक वडोवन तीं दोगांय एकामेकाच्या गोपांत घट रिगलीं.

हातांच्या म्होवाळ स्पर्शाचीं मोरपाखां एका मेकाच्या आंगार भोंवपाक लागलीं. ओठांच्या नाजूक स्पर्शान दोगांयचे कातीर ल्हंव उबी जाली. मेकळो एकांत मनाक आनी हातांक एकामेकाच्या आंगार जाय तशे आनी जाय थंय भोवपाक स्वातंत्र्य दिवपाक लागलो आनी बोटांच दोनी तरण्या कुडींक भोगपाच्या भारान निर्वस्त्र करपाक लागलीं. दोगांयचे ओठ एका मेकाच्यो छातयो वसवशांनी सांसपून सुखावपाक लागले. मानो चुमपाक लागले. हातांचीं नाखटां फाटीक घांसांत घेवन किमचुपाक लागलीं. ओठ ओठांनी भरसून एका मेकांत पुराय रिगून वचपाची मोनी भास उलोवपाक लागले. हून

श्वासाची गती आनी रगताचो सळसळ उफाळून आयलो. आनी एकाच झोता सारकीं बरोबर दोनूय तरण्यो कुडी भोगांत आनी वासना सुखांत भरसल्यो. स्पर्शान पुराय आंगान आंग वेंगेंत दशिल्लीं आंगां भान सोडून नकळटां खातीर लवंडलीं. उगड्या रानांत एक नाग आनी नागीण जशीं एकामेकाक वेटाळटात तशे अवस्थेंत तीं हाती पांयांक वेटाळपाक लागलेलीं. प्रकृती-पुरूश मिलनाचो निमाणो पांवडो हुपपाक तो पावल्लो, तिच्या दोळ्यांनी दोळे घालून काळजांत आनी कुडिच्या सृजनाच्या दारांतल्यान भितर देंवपाक तो पावल्लोच आनी तिणें ताच्या हड्ड्याचेर हात हात धल्लो. ताची गती थांबयली.

"Protection आसा न्ही?"

"आसा वॉलेटांत. पूण.. इतलें कित्याक भिता? हरशीं.."

"Please! I want safe sex. म्हाका कसलेंच रिस्क घेवपाचें नां."

"Ok. I'm getting."

तें परतें सुखासीन जालें. परतें आसलें त्या मुडांत आयलें. दोनूय शरिरां सृश्टीच्या पवित्र अशा नवनिर्मणेच्या सुखाचो खिणयाळो भोग घेवपाक वासनेच्या भारार आयलीं. हून श्वास एकामेकांत भरसले. हातांचीं बोटां बोटांनी घुस्पून एकामेकाक हातानींच मुड्डितालीं. चिड्डितालीं. खिणाक तें ताचेर तर खिणाक तो तिचेर शेक गाजयतालो. खिणाक नदरेक नदर भिडटाली आनी नदर नदरेनूच नदरेक आड नदर करताली.

तें ताका पळयतना ताच्या दोळ्यांनी कुडीची आस आनी वासना पळयतालें. तर तो कितें ताच्या दोळ्यांनी आपलो परजळीत फुडार पळयनासलो. ताचे हात आनी दोळे तिच्या नाजूक आंगा वांगडा आपले कुडीक सुखावपाचो नवोच खेळ खेळटाले. ताची हीं नवींच नाटकां पळोवन तें तशें व्हडलें अजापलें ना.

"रातचो पोर्न चड पळयता हालीं?"

"कित्याक? तूं पळयना? कित्याक विचारलें?"

"तूं म्हजे वांगडा खातीर आसा पूण तुज्या दोळ्यांनी तींच पोर्न विडियोंतलीं मोटया आंगांची सॅक्सी चलयां आसात कशीं दिसलीं म्हाका."

"तुका आनी कितेंय दिसपाक लागलां हालीं. तुज्या दोळ्यांनी कोण हांव आसां तर?"

निर्लज्जपणाची शीम हुपीत दोगांय एकामेकाचो मूड सांबाळीत नाटकी आनी बेगडी कशें हांसलीं. आनी परत वासनेच्या भारार पुराय संवसाराचो विसर घालून त्या ए. सी. च्या रसरम्य रुमांत आनीक नेटान खुदपाक लागलीं.

कोणूच तिसरो सारथी नाशिल्ल्या वासनेच्या रथार वेगान धावपी दोन उगडीं निर्वस्त्र आंगां भोगाच्या मोगान आनी मोगांतल्या भोगांत बेभान आसलीं. जो मेरेन तो साथ दिता, तो मेरेन तीं वांगड दिवपाक तयार आसली. पूण..

फोन वाजलो.

"तुजो फोन वाजता."

ताका अर्दे वाटेर दवरून तें फोन घेवनूच आसा ते अवस्थेंत केंस सावरीत पांया कडली मस्तल्ली बॅडशीट आगांक मेळटा तशी गुठलावन उठलें.

"हॅलो.. हां.. ओके.. हय हय.. सांजे. ना ना I'm fine.. धांवट वयर आयलें म्हणून इल्लें खरशेतां. तुकां परत कॉल करतां हांव. मातशें बिझी आसां. हय शुवर करतां. trust me."

फोन मेजार दवरीत तें बॅडशीट कुशीक वडोवन ताचें कुशींत येवन रिगलें. दोगांय व्हडलो दोंगर चडून सामकीं कासार जाल्लेवरी खरस सवका सवका जिरोवपाक लागलीं. स्वासांची गती आतां इल्ली इल्ली थंडावपाक लागलेली. दोगांयचो मूड आतां देंवपाक लागलेलो. तरी मूड सांबाळ्ळीत तीं तशींत एकामेकाच्या गोपांत परतीं रिगलीं आनी इल्लीं किटकिटलीं आनी वाकुळ्ळीं.

वेंग सदळ केली तशीं दोगांयनी आपलीं आंगां धुवन घेतलीं. जमनीर अस्थाव्यस्थ पडलेले कपडे सोदले. एका मेकाचीं उगडीं आशिल्लीं तरणीं आंगां नियाळीत आपापले कपडे सवका आंगार चडयले. कांयच जावना अशीं तोंडां करीत परतीं येवन खाटीर आड पडलीं.

"तुजो मूड कित्यात बदल्लो? कोणाचो कॉल आसलो?"

"म्हजो मूड खंय कितें जाला? ख'ा षळपश."

"हं. तुका याद आसा? Last year when we had been intimate

on the bed for the first time. that was such a wonderful time. Such a wonderful feeling to be on bed with you. you know you were damn hot. [illegible]"

"[illegible]"

"[illegible]"

"हम्म. I was very shy that time."

"[illegible] but we are together for past one year."

"हम्म. [illegible]"

"[illegible]"

"[illegible]"

"[illegible]"

"[illegible]"

"[illegible]"

"[illegible]"

"[illegible] Anyway then [illegible] friends [illegible]"

"Please! [illegible] Love you."

[illegible]

"[illegible]"

"[illegible]"

"[illegible]"

"Mind your language! [illegible]"

"हांव भरभरना. खरें उलयल्यार दुखलें? म्हाका दुबाव आसलोच. अख्या जगाक खबर आसा तुवें कॉलेज कशी गाजयल्ली ती. आनी खंय खंय वचून कोणाकोणा वांगडा शेण खाल्लां पळय ते."

"हें पळय, म्हजो भुतकाळ हांवें भुतकाळांतूच दवल्ला, तेन्ना जें जावन गेलें तें गेलें. आनी म्हजेर बोट दाखयतना तुवें कितलीं चलयां नाचयलीं आनी कितले one night stand करून सोडलीं हाची याद करूं?"

"हांव पावना म्हणून तुका दुसरो जाय पडलो?"

"तुका जर आयकपाचेंच आसा जाल्यार आयक. तो कोण, ताचें नांव कितें, हें हांव तुका सांगचेंना. पूण ताच्या बरोबर म्हजें लग्न थारलां. तो well settled आसा. Financially secured आसा. म्हणून घरच्यांनी म्हाका हें प्रोपोजल हाडलें आनी तांकांय हें मान्य आसा आनी म्हाकाय बी.

"म्हणजे हांव सद्याक settled ना. Struggle करतां म्हणून म्हाका वालोर ना? निर्णय घेवचे पयलीं म्हाका एक फावटीं तरी म्हणचें आसलें. आमची जात एक आसा, घरचीं एका मेकाक बरीं आसात. तीं केन्नाच ना म्हणचीं नासलीं. हांव खंय

कमी पडलों?"

"म्हाका हाचेर आनीक कांयच उलोवपाचें ना. आनी तूं इतलो कित्याक जिवाक लावन घेता? तुज्या फाटल्यान कितल्याशाच चलयांची लायन लागिल्ली आसता मरे सदांच. घेवन भोंवपाक आनी.."

"तुका कोणूय मेळटलें."

"म्हणजे तूं पयसो आनी दौलती फाटल्यानूच गेलें तर."

"तुका जाय तशें समज."

"हें सगलेंच जर सांगपाचें आसलें जाल्यार मागीर म्हाका हांगा कित्याक आपयल्लो? फकत न्हिदपाक?"

"ताळी एका हातान वाजना. मोगाच्या नांवान जाय तो भोग घेवपाक आमी दोंगांय सारकीं वांटेकार आसलीं. बेठोच over react जाय नाका. चलयांची खाट गरम करप हें तुका नवें न्ही. फाटल्या एका वर्सान तुवें म्हज्या

भायर कितल्या चलयां कडेन संबंद दवल्ला हें तुज्या फोनांतल्यो intimate chats पळोवन कळिल्लें म्हाका. पूण आतां जालें तें जालें. हाचे पयलीं हेर चलयांक विसल्लो तसोच भुतकाळ समजून म्हाकाय विसरून वच आनी म्हाका म्हजी नवी जीण सुखान जगपाक दी. आनी याद दवर हें तुजे म्हजे मदीं निमाणें आसलें. कसलीच खंत उरपाक नाका म्हणून हें निमाणें.''

''हांव खरेंच तुज्या वांगडा सिरीयस जावपाक लागलेलों. तुवें म्हाका असो कित्याक दुखयलो? कशें बरें जातलें तुजें?''

''तूं आनी सिरियस? तुकां चली नाका. तुकां जाय फकत लवचीक, भरलेलें आनी आकारान आकर्शक आशिल्लें शरीर. तुजी भूक भागली काय तूं मेकळो. चलयेच्या भावनेचें मोल तूं खंय जाणा? आनी उल्लो प्रस्न म्हजें बरें जावपाचो, ताचो हुस्को तुका नाका. तें हांव पळोवन घेयन.''

''तुजें जर इतले मेरेन थारलां जाल्यार फायन. हांवें परत तुज्या लायफांत रावन कांयच आर्थ ना आनी तुजे कडेन कसलोच संपर्क दवरूनय अर्थ ना. म्हाका तुजें तोंड सुद्दां पळोवपाचें ना.''

''आनी एक! हाचे फुडें तुवूंय आपलें तोंड म्हाका दाखोवचोना हीच अपेक्षा दवरतां.''

''All the best तुकां.''

आपल्या फोना वयले ताचे फोटो आनी नंबर डिलीट करीत तो ताचे जिणेंतल्यान पुनवेचो चंद्र कसो मावळत भायर सल्लो. पूण ह्या मावळट्या चंद्राच्या तोंडार फुडले रातीक आनी कोणाचे तरी जिणेंत नखेत्रांचो मोगी जावन परत उदेवपाचें तेज इल्लेय उणें जांव नासलें.

●●●

8.

काजी

"खंय वयता तूं इतल्या सकाळचो बेश्टी च्या पियोन?"

"खेळपाक वयतां गे."

"दीस उजवाडलो काय उट-सूट तो खेळ. सकाळीं उटलो तसो च्या घे. देव कसो घरान बस, अभ्यास कर. आतां चवथेची निमाणी परिक्षा आसा मरे तुजी."

"देव अभ्यास करताले? तूं आनी कितेंय हां मां."

"अभ्यास करताले म्होणोन ते देव जाले."

"ते देव जांव. म्हाका देव जावपाक वेळ आसा आजून. म्हाजी शाळा दनपरां. म्हाका सगले रावता आसतले हांव खेळपाक वयतां."

"बेग्गीन यो. शाळेक वचपाक वेळ कोरू नाका हां. नाजाल्यार हांव येतां तूं आसा थंय शिपटी घेवन."

"बेग्गीन येतलोंऽऽऽ."

मागील दारांतल्यान आकाडो हुपून भायर सरून गेल्ल्या गोपाळाची आकृती जशी ल्हान ल्हान जायत गेली तसो ताचो आनी ताचे आवयच्या

आवाजांचो नाद भोंवतणच्या वाठारांत इल्लो इल्लो घुमलो आनी विरगळत गेलो.

आपल्या एकुलत्या गोपाळाक ताची आवय सदांच ताळटा वयलो फोड कसो जपताली. कसलीच वायट संगत लागत म्हणून सदांच पाळत दवरताली. गरीब मनशा कडेन आपल्या संस्कारांचें धन सोडलें जाल्यार दुसरें व्हडलें कांयच आसना. तांच्याच बळाचेर तो आपली घर वेवस्था उबी करता. भुरग्यांक घडयता. अशेच संस्कार दिवपाची रीत गोपाळाचे आवयचीय आसली. गोपाळाक सदांच शिकून कश्ट करून जोडपाची शिकवण ती दिताली. ताचो बापूय जरी मिना धक्यार खोरें घेवन म्हाल वोडपी आसलो तरी तिका तो कश्ट करता आनी केन्नाच फटिंगपणा करिना, हाचो खूब अभिमान आसलो.

साडे आठांक ग्रावंडार पावलो तेन्ना गोपाळाचे सगले सवंगडी बॅट बॉल बी घेवन थंय पाविल्ले. ग्रावंड तसो कितें व्हडलो नासलो. वाड्या भोंवतणी आशिल्ले व्हडले दोंगर आनी तांचे मदीं पावसांत व्हांवपी एक व्हाळ. तांचे कुशीचें मरड हे भुरगे पावस सोंपलो काय आपणाक जाय तशें धांपटून पेट्रून क्रिकेट खेळपा पुरतें तयार करताले. तरी सगल्याक म्हशींचे पांय तोंपून पडलेलीं गेतां, माती आनी रेबो सुकोन जमनीर जाल्लीं मोठीं खिणां कशीं त्या मड्डांत सगल्याक पडलेलीं दिसतालीं.

मड्डा भोंवतणचो सगलो वाठार आनी दोंगरांचो थोडोसो भाग खूब लोकांच्या काजींनी भरलेलो, जंय नोव्हेंबर-डिसेंबर लागता म्हणसर लोक काजीं मुळांनी निवळ करताले. सगलो पतरो एकठांय करून जळोवन मागीर फुडल्या फोगाची वाट पळयताले. राती कडेन हांगा पयलीं खूब कोले येताले म्हणून ह्या वाठाराक कोल्या मड्डी म्हणटाले. आता एक एक घर वाडत गेलें आनी वाडो जालो. आदले ते कोले खंयच्या रानांत गेले ते कोणाक खबर नासलें. पूण नांव उल्लें.

"चला विकेटी लायात मरे, खेळपाचें ना तुमकां आयज? राव! हांव लायतां."

''बॅट कोणें हाडलां आयज? आनी बॉल कोणाचो?''

''म्हाजो. पयलीं बॅटींग म्हाका.''

''बरें.''

''कितले जाण आसा आमी? एक...दोन...तीन...अ....आठ आसात.''

''सारके आसा मरे. चला गडी घालया.''

''हय. येया रे.''

''आयज आमी खेळचे न्हू.''

''खेळचे न्हू? मागीर किदें करया तर? हें पळय तूं आयज इश्कोलाक वोचोना, तुजी मज्जा. आमकां दनपरां शाळा आसा. आमकां खेळपाक इल्लोसो वेळ मेळटा. आमी खेळटले.''

''आई बाबा चवथी चवथी म्होणोन खेळपाकय धाडिनात हालीं.''

''किदें करया म्हणटा तर तूं?''

''आयज आमी काजी चोरपाक या.''

''काजी चोरपाक? कोणाल्यो?''

''सावळ्याल्यो.''

''बॅश्ट आसा आयडिया. आतां काजींनी दनपरां येतात आनी कामाक आसा तीं गावड्यां इतले सकाळीं हांगा कित्याक येतलीं? फाटले फावट गेल्ले ते आमी, याद ना? तेन्ना कोण येयल्लो?''

''हें हें. हांव ना हां! तुमी चलात म्हाका बाबा भंय दिसता. त्या सावळ्याले काजींनी खंय बरें कडक देवस्पण केल्लें आसता. काजी खाल्ल्यार सोमती हागोण लागता. शी! नाका.

''हो गोपाळ मरे सामकोच भित्रो. काजी विकून बॉल हाडलो काय तुका आमी खेळपाक घेवपाना, मागीर रोडोन दाकय नाका आमकां.''

''गोपाळ यो रे तूं, कांय जायना रे. वाड्यार कोणाक कळचें ना.''

''आनी तुका तुरमणां खा कोणें म्हणल्यां? आमी सोमत्यो विकोया मरे त्यो बियो, मागीर कांय बादचेंना आमका देवस्पण बी.''

''आं. तशें जाल्यार बरें आसा. पूण कोणेंच कोणाल्या घरा कांयच

सांगप ना. आनी शाळेक वचपाक वेळ जावपाक जायना रे. आमची बाई कसली ती जाणा मरे तूं?''

वाड्यार कोणाक दुबाव येवचो न्हय आनी खंय गेल्यात हाचो गम कळचो न्हय म्हणून बॅट आनी बॉल आपल्या ग्रावंडा कुशीक केल्ले झुडपांचे ल्हानशे घोलींत दवरून ते गेले. ही घोल तांणींच आपणा खातीर बडयो, दांडे घाणयारेचीं झाडां बी झड कसो करून विसव घेवपा खातीर बांदलेली. ते घोलींत ते केन्ना केन्ना कोणालेंय कापें पणसूल वा तोरां बी हाडून पिकपाक दवरताले. वाडो भर लिपचेल्यांनी खेळटना हे घोलीचो बुसकोटांची आदला बदल करपाक बरो उपेग जातालो. एका वांगडा आठ ते धा जाण तातूंत उठ बस करूं शकताले. कुमयो आनी माट्टीच्या आदारान केल्ली झुडपांची ही घोल झोपडीच कशी आसली.

आठ-धा मिण्टां चलून काजींनी पावले तेन्ना थंय बरीच थंडाय पातळ्ळेली. फकत कांय शेंवणीं रडटालीं. कोणाचीच हालचाल जायना हाचो अदमास घेयत तांणी नदर पावता थंय मेरेनच्या काजींचो थाव घेतलो. खंयचे काजीक कितले बिबे आसात. खंय कितले काकाडे जून जाल्यात, खंय तुरमणां बरीं आसात. आनी खंय बरे टवटवीत मुट्टे दिसतात हाचो नेम लायलो. आमकां कितल्यो काजी मेळटल्यो हाचो दर एकलो आपापले परीन हिशोब घालपाक लागले. तसोच चड पयशांचो ऑलंपीक बॉल सगल्यांच्या मनांत उडयो मारपाक लागलो तशे उमेदीन सगले आपणाल्या वावराक लागले.

वासू, सागर, म्हादू आनी अमर चौगूय जाण एके एके काजी मुळांत व्हांणो दवरून खानयो वेंगायत चडपाक लागले. जाल्यार केशव, गणू, शंकर आनी गोपाळ फुडले एके काजी खातीर फातर पुंजावपाक लागले.

''हाताक मेळटात त्यो काकाड्यो सवकास काडून तुमी घट रावा रे वयर...''

''गणू, शंकर तुमचो नेम बरो आसा तुमी मोटेले काजी कडेन चलात. तिज्यो बियो बऱ्यो मोट्ट्यो आसतात. हांव आनी गोपाळ पडल्या त्यो बियो पुनयतात आनी तुमकां मोट्टे फातर बी हाडून दियात.

काजींचेर चडलेले वासू, सागर, म्हादू आनी अमर तशे ल्हान पूण काजींचेर चडपाक खूब हुशार आसले. ते चडलेले त्यो काजी बी तशो ल्हान नासल्यो. सुमार अर्द माड उंचायेची लांब आनी पिसारो फुलयल्ल्या मोरा भशेन दिसपी दर एके काजीचें पसरट आंग आसलें. जितले मेरेन हात सादारण पावता थंयचे काकाडे ते पिळून काडटाले आनी अमुरपिकीं तुरमणां, मुट्टे बी कांटयेन वा खांदे हालोवन सकयल वडयताले. दुसरे काजीं कडेन गणू आनी शंकरा मदीं नेम लावपाची सर्त सुरू जाल्ली. बोल्सांनी चोनलेल्यो काजी सांबाळीत केशव आनी गोपाळ ती सर्त बरेच मिटक्यो मारीत पळयताले. मदीं मदीं तांकां फातर दीत खंय कितें पडटा तें पुंजायताले.

शंकराचो नेम तर दोन बिब्यां मदले काकाडेक ज्युस्त तीर करून वडयतालो जाल्यार गणूचो एका फातरान दोन वा तीन मुट्टे वडोवपाचो बी रेकोर्ड आसलो. काजी पुंजायतना मुट्टो खावपाची रूच येवप सबावीकच आसलें. तसोच पडलेलो एक तांबडोच टवटवीत मुट्टो रुचीन तोंडा कडेन व्हरतना गोपाळाक ज्युस्त देवस्पण... हागोण... याद जालें आनी ताणें त्या मुट्ट्याचो गळोच आवळून ताचो जीव काडचो अशे तरेन तो पिळून कडेक वडयलो आनी बी बोल्सांत चेपोवन तो फुडें चलपाक लागलो.

शंकर आनी गणूचे नेम जशे बिनचूक काकाडे आनी मुट्टे वडयताले तशे ते फातर काजींनी पत्र्याचेर, काजी खोडांचेर काजींचीं पानां चिरीत चिर्रर्र आवाज करीत वताले,

तसो अख्ख्या वाठारांत तांचो घब्ब घब्ब असो आवाज आरतो परतो आपट्टालो. त्या वेगान पडपी फातरांच्या आवाजा वांगडा काजींचे तेंगशेर आशिल्ल्या वासून कितें तरी वेगळेंच आयकलें.

"कोण रे तिंगां आमगे काजू चोत्ताय? राब तुमगे पांयेंच्य मोट्टां. आमगे काजू खाच्या येयल्याय मालकिर्याद... चोर." ह्या धेकण्या वांगडा हातांत कोयतूल आशिल्लो भिल्ल कसो मिंगेल आवाजाचे दिशेंतल्यान बरोच पयसुल्यान धांवत येतना ताका झाडा तेंगशे वयल्यान दिसलो.

"गावडे येयले रेऽऽऽऽ" बोंबलेच्या देठांतल्यान वासू आड्डलो तसो हेर

काजींचेर आशिल्ले सगले जाण माकडां सारके मेळटा ते खांदयेक झोंपय मारीत आनी बियो सांबाळीत सरसरीत देंवत लोळगे कशे जमनीर येवन पडले. पडटना बोल्सांतल्यान पडलेल्यो काजी परत जमोवन कालसावांत चोनपाक कोणूच विसल्ले ना. फातरावपाक गूंग जाल्ले सगले काजी घेवन एकठांय जावन आपले उरिल्ले सवंगडी देंवले हाची आडे कडेक खात्री करून घेवन वाटेर मेळटा त्या झाडां-झुडपांनी आपलें आंग आनी तोंड लिपयत खोपी वटेन धांवत सुटले.

घामाघूम जाल्लीं आंगां आनी मिंगेलाक चुकोवन काजी चोरिल्ल्याची भुरगीउमेद घेवन सगले खोपींत येवन लिपले. एके वटेन काजी चोरल्या हाचो भंय, जाल्यार दुसरे वटेन खूब काजी मेळ्ळयात हाची उमेद आनी कोळमेंत पिळून वडयल्ल्या हळडुळ्या-तांबड्या मुट्ट्यांच्या सरभरसल्ल्या रंगां सारकी मनांतली मिस्तुराद भावना तांचे खरसणेंतल्यान घाम जावन आंगा तोंडावयल्यान देंवताली.

"कसले सालवार रे."

"धल्लेले बी जाल्यार आमकां काजीक बानून गोड लावन आमच्या आंगार हुमले सोडटा आसलो तो मिंगेल. बऱ्यान सुटले."

"कितल्यो मेळ्या आसतल्यो रे काजी?"

"काडात मरे भायर."

"आपापल्यो मेजा रे तुमी."

"हांवें सगल्यो मेजल्यो. दोनशें सत्तावीस सुमार आसात."

"म्हणल्यार दोन किल्लाक लागीं आसातल्यो."

"पंचेचाळीस रुपया किलो आसात खंय तिस्कार."

"म्हणल्यार दोन किल्लानी आमचो ऑलंपीक बॉल येतलो तर."

नवो बॉल घेवपाची उमेद सगल्यांच्या तोंडार त्या खिणाक काजी चवरां भशेन फुल्ली.

"म्हादू. आमी सगल्यो काजी हांगा फातरांचे खाचीन पानांनी बानून दवरतात. आमकां शाळेक वचपाक वेळ जातलो. तूं मागीर जेवन बी घरा

कडलीं सगलीं न्हिदतात तेन्ना हांगा परत यो आनी तिस्कार वोचोन बाबनीगेर विकून यो. पयशे तुजेच कडेन दवर. परां आयतारा दिसा सगले जाण बॉल हाडपाक या.

"बरें! म्हणत म्हादून मोठे जबाबदारेन मान हालयली. तशे सगले आपापल्या घरा वचून जेवन मनांतल्या मनांत नव्या बॉलान खेळत शाळेचे वाटेक लागले.

आयज शाळेंतय सकाळचे करमणुकींच्या गजालीं परस कितें वेगळो विशय चालू नासलो. म्हादू एकल्याक सोडल्यार उरलेले सगलेजाण आयज शाळा केन्ना साडे पांचांक सुट्टा आनी केन्ना वचून कितले पयशे गावले हाची खबर घेता हेच तेळणेंत आसले. शाळे मुखाल्ल्यान पांच विसांची फोंडें-कुडचडेंची कामाक्षी बस केन्ना काय वता ती पळोवपाक सगल्यांच्यो नदरो आतां रस्त्याक लागलेल्यो, कारण ती बस गेली काय रोखडीत बाई शाळेची घांट वाजयता हें थारलेलें.

"बाईऽऽऽ, हांव घांट वाजोऽऽवं? गणू इल्लो लाडांत आयलो."

"नाका! अजून धा मिण्टां आसात वोग्गी बस थंय. वोग्गी बसात सगले. बाई सबावीक अशी तापली."

"वेळ जालो काय हांव वाजयतां." अशें म्हणत बाईन आपली घडयाळ दोळे बारीक करीत नियाळ्ळी आनी भुरग्यांचीं गळवझेक आयल्लीं तोंडां पळोवन एकदांची घांट वाजयली.

खूब वर्सांची कादय सुटिल्ल्याची खोस आयज सगल्यांच्या आंगा-मनार आसली. घर आनी आपलो वाडो आयज शाळेक लागीं येवचे ह्या हावेसान गोपाळ आनी ताचे सगले वांगडी फाटी वयले बोटवे वाकडे-तिकडे हालयत, टिफिना खुळखुळायत आपल्या घरा धांव मारपाक लागले. काजी, पयशे, नवो बॉल हे सगलें ते धांवतात तेच गतीन तांच्या मना-दोळ्यांत त्या खिणाक धांवपाक लागले.

सदां शाळा सुटून पावप्यां भितर सगल्यांत पयलीं आसतालो गोपाळ. मागीर एक एक करून उरिल्ले पावताले. घरा पावलो तसो गोपाळान सदचे

प्रमाणें जोतीं एके कडेन तर बोटवो दुसरे कडेन शेवटून तो आसा त्याच कपड्यांनी भायर सरतालो. आनी...

"खंय वयतारे येयला तसोच?"

"म्हादूक मेळपाक."

"तेका मेळपाक? कित्याक रे? आतांय बी खेळ? युनीफॉर्म काड मरे तो."

"ना ना. तेणें नवो बॉल हाडला, पळोवपाक वयतां."

"राव! सांगतां तें आयक. असो घरांत येतलो पयलीं."

आवयच्या आवाजांतलो तापट आज्ञेचो सूर त्या खिणाक गोपाळाचे कल्पने भायलोच आसलो. तो आयकून गोपाळान सोमतेंच आंग काडलें आनी तो मुकाट्यांनी बद्द चोवकांत भितर सल्लो. ते सरशीं आवयन घराचीं दोनूय दारां बंद केलीं आनी शिपटेन गोपाळाक खंय मेळटा थंय शेपलावपाक सुरवात केली. कितें घडटाले तें कित्याक लागून हें समजुपाक गोपाळाक वेळूच नासलो.

"सांग! परत वयतलो काजी चोरपाक? सांग?"

"नाऽऽ केन्ना ना."

"सांग! परत त्या भुरग्यांची संगत दवरतलो? सांग."

"नाऽऽ मां. केन्ना ना... मां पांय पडटां मांऽऽ मारूं नाका गेऽऽ परत वयचों ना गेऽऽ दुकता गेऽऽ."

"कित्याक गेल्लो थंय गू खावपाक तेच्या काजींनी, घरा कितें कमी करता आमी तुकां. पोटाक सामकेच फाळे पडल्या तुज्या?"

"चूक जाली गे मांऽऽ पांय पडटां गे तुकाऽऽ मारूं नाकाऽऽ दुकता गेऽऽ परत केन्ना वचपाना गेऽऽ."

"दर एका उतरा वांगडा गोपाळाचेर खंय मेळटा थंय बडयेचे वळ उदेताले. तसो गोपाळ रडव्या आवाजान आवयच्या पांयांक धरीत व्हडल्यान हुंडके दितालो. हातार, पांयार, जांगडार, फाटीर, रंवऽऽ रंवऽऽ असो बडयेचो आवाज गोपाळाक ताणें केदी व्हडली चूक केल्या हाची ख्यास्त आनी जाणविकाय

करून दितालो.

रडत रडत ताणें उबो रावन कसो तरी हात घालून खिळी काडली आनी घरा भायर घालून घेतलें.

"हें पळय बरे भशेन घरान यो. मारचें ना. भायर वोचोन असो रोडों नाका आतां. लोक हांसतले तुका."

"ना. तूं मारतली."

"खरें मारचें ना. ही पळय बडी वडयली. यो घरान यो."

भिये भियेत जीव मुठीन घेवन हुणके गिळीत आनी आंवडो घोटीत चोर पावलांनी गोपाळ घरांत भितर सल्लो. तसो आवयन तेका लागीं वोडलो. ताचीं दुकां पुसलीं आनी ताच्या आंगार मायेन हात भोंवडायलो. तेका बसोवन उदक हाडून दिलें. आनी ताचे कुशीन बसली.

"हांव तुजी शाळा सुटचे पयलीं बाबनीगेर सामान हाडपाक गेल्लें. थंय आमच्या वाड्या वयलो तो म्हादू चोरलेल्यो काजी घेवन विकपाक येयल्लो. तेन्ना तो मिंगेल आनी सावळो थंय पयलींच येवन रावल्ले.

"किदें जालें थंय?"

"साम चोरा कास्ता पोर जोल्मा घायल्याय, हेंगे मांय पाय लेगून एर्शींच लोकागे चोन्न चोन्न भुरग्यांगे पोट बोत्ताय आस्तेलीं. चोरागे भुरगीं चोरूच्य जातोलीं. सुण्या कास्ताचीं" अशें म्हणत तो मिंगेल म्हाका पळयत व्हडल्यान गाळी सोंवपाक लागलो. तुकां लागोन म्हाका हें आयकचें पडलें आनी हांव बद्द घरां येयलें. तेंच्यानी त्या म्हादूक थंयच येतिश्ट माल्लो आनी काजीय बी काडून घेतल्यो. तो बाबनी सांगपाक लागलो म्हाका. तुजे तें सवंगडी आसा पय तेंकांय बी घरा कडेन बरोच लडो पडटलो आयज. तो सावळो वाड्यार बोवाळ मारीत सगल्या घरांनी सांगत गेल्लो."

गोपाळ आवयचीं उतरां आयकतालो. सगल्यांक मार पडटलो हाचें दुख्ख सोशीत हुंडकेतालो. काजी आनी बॉलूय गेलो हाची खंत घेवन हुंडके गिळीत आनी दोळे चोळीत आनी सुस्कारे सोडीत सवका सवका तो थंडावलो.

●●●

9.

रातच्या धांचो शोव

रॅस्टोरंटांतल्यान भायर सरले तेन्ना रातचीं धा जायत आयल्लीं. खंय वयतात हें कोणेंच सांगलें ना तेन्ना सुशांत इल्लो ताणशेलो.

''खंयचें फिल्म पळोवपाक वयतात आमी तें तरी सांग मरे महेश.''

''सुशांत तूं थंड बस मातसो. वोगीच जीव वयर सकयल करू नाका.''

''मोहीत तूं तरी सांग.''

''आरे म्हाकाय सारकें खबर ना हो आमकां खंय व्हरता तो. पयलींच धा जावन गेल्यांत. म्हाका दिसलेलें फकत जेवन घरा वचपाचें. हेका फिल्माक येवपाचें येवजलां. हांवें घरा सुद्दां कळोव ना.''

''हांवें तरी खंय सांगलां?''

झरावारक्यो करतां करतां गाडी येवन कुडचड्या वयल्या निशांत थेटरा मुखार थाल्ली.

''सगळें सोडून होच थेटर सापडलो तुका महेश?''

सुशांत आड्डुलो. ''म्हाका हांगा वचपाचें ना. तुमी चलात. हांव चल्लों परत.'' थेटराक पळोवन दचकल्लो सुशांत कांचवेत उलयलो.

"आरे कितें जालें?" आदींच जीव मुठींत घेवन बसलेलो मोहीत अजापान उलयलो.

"तुमकां ह्या थेटराची स्टोरी खबर ना?"

"ना. कितें जालें हांगा? तूं इतलो भिला कित्याक?"

"हो थेटर बंद आसा मरे खूब वर्सां जालीं. अशे कशे आयज हांगा लोक आयल्यात. केन्ना चालू जालो हो? दिसाचो केन्नाच कोण हांगा दिसना. आरे कितें चल्लां हें?"

"हो थेटर चालू जाला फाटल्याच आठवड्यांत. हांव जाणा तो बंद आसलो तो. पूण तूं इतलो कित्याक आबूज जाता?"

"हांव कित्याक आबूज जातां? राव सांगतां."

"धा वर्सां फाटली खबर. ह्या थेटराचो मालक रातच्या धांच्या शोवा उपरांत ह्याच थेटरांत जीव दिवन मेल्लो खंय. खूब पयशेकार तो पयलीं पसून. सगळे शौक आसले ताका. तातूंत सूट बूट मारून गिरेस्तपण मिरोवपाची हौस. आयल्लो पयसो खंय सगल्या हौशी फोल्पांक उडोवपाक लागलो. तातूंत आपली घरकान्न बरी सुंदर आसतना हाका भायलें वारेंय लागलें. ते बायलेन खंय हाका सामको तळक्याक लायलो. हाचीं लफडीं बायलेक कळ्ळीं तेन्ना खंय तिवूय हाका सोडपाचो विचार करपाक लागली. आनी दीस रात आपलो वांटो मागपाक लागली. खूब झगडींय जावपाक लागलीं. घरांतय सूख ना आनी भायरूय सूख ना असली गत जाल्ली ताची. दोगांय बायलां खंय मेळोन हो थेटर तेन्ना बरो चलतालो म्हणून वांट्याक होच मागपाक लागलीं.

सगल्यो गरजो भागोवपाक ताणें खंय खूब जाणा कडल्यान लाखांनी पयशे उश्णे घेतले. आनी हातूंतच मोठे रीण जाल्ले खंय ताका. निमाणें हो थेटर विकपाची पाळी आयल्ली ताचेर. पूण ताका हो कोणाक दिपवाचो नासलो. सामको जीव आसलो ताचो हांगा. रीण कशेंच फारीक जायना म्हणून ह्याच थेटरांत ताणें एक दीस आपलो जीव सोंपयलो. ताका खंय सदांच सारको मदल्या रोवांतले मदले खुर्चेर बसून रातचो शो पळोवपाक आवडटालो. ताचें प्रेत खंय तेच मदले खुर्चेर सापडलेलें. ताच्या मरणा उपरांत खंय ताच्या

भावान हो थेटर कांय दिसांनी परत चालू केलो आनी तेन्नाच्यान रातच्या धांच्या शोवा उपरांत भूतबाब जावपाक लागली.''

''कसली भूतबाब रे?'' महेश सामको फकाणा वडोवपाच्या सुरान पूण उमळशीकेन विचारपाक लागलो. पूण मोहीत सगळें लक्ष दिवन आयकतालो आनी सगळें आपले कल्पनेंत येवजितालो. ''रातच्या शोवा उपरांत खंय ताच्यो किळच्यो आनी बोबो आयकपाक येवपाक लागल्यो. ''हांव म्हाजो थेटर कोणाक व्हरपाक दिवचो ना. कोण येता ताका हांव पळयतां. हो जागो म्हाजे मालकेचो. कोणाक दम आसा ताणें घेवन दाखोवंचो. पयशे मागपाक येता ताकाय म्हजे वांगडा व्हरतलों आनी हांगाच गोळाक काडटलों.'' असो आड्डतालो खंय सद्दां. खूब लोकांनी आयकलां हें. केन्ना केन्ना खंय रातचें मोठ्यान म्युझीक लागता. लायटी आपुणूच पेट्टा पालवता. दांरा मोठ्यान गडगडटात. मर्दींच सगळें थंड जाता. आनी मागीर परत किळच्यो, करंदाय, आड्डी, हुयेली आनी बोबो..'' म्हणून मागीर कांय दिसांनी हो थेटर बंद केलो. कांय लोक म्हणटात तो फांस लावन मेलो. जाल्यार कांय म्हणटात पयशे दिवना म्हणून ताचो खून केल्लो आसपाक जाय. कांय लोक तर अशेंय म्हणटात दोना मदले एके बायलेनूच ताका जितो मारला. खरें कितें कोण जाणा.

''बॅश्ट आसा काणी ल्हान भुरग्यांक भियोवपाक'' अशें म्हणून महेश मोठ्यान हांसलो. आनी सुशांताक पिशांत काडलो.

पूण सगळी गजाल आयकून मोहीत भितरल्यान बरोच भिलो आनी आपुणूय येयना म्हणपाक लागलो. तरी महेश तांका बळयांच देंवयले आनी भितर घेवन गेलो.

फिल्म सुरू जावपाक पंदरा मिण्टां आसतना इल्ले इल्ले लोक वाडपाक लागले. तिगूय इश्ट वॉशरुमांत गेले. गर्देंत इल्ली वाट काडीत महेश आनी सुशांत भायर सरले. मोहिताक इल्लो रावचो पडलो. वॉशरुमांतले दादले भायर सरतात तसो मोहीत थंय एकलोच उरलो. सैमाच्या उल्याक जाप दिल्या उपरांत

तो हारशा मुखारल्या बेसीना कडेन येवन तोंडार उदक मारपाक लागलो. तोंडा वयल्यान सवकास उदक निशेता तें तोंड तो उबो रावन हारशांत पळोवपाक लागलो. त्याच खिणाक ताच्या फाटल्यान कोण तरी केंस फिसकटलेलो, दोळ्यां भोवतणी काळींच खोल खिणा पडलेलो पोरण्या सुटांतलो, कात धवी पडलेलो एक दादलो उबो जालो आनी त्याच खिणाक नाच जालो असो ताका आभास जालो. मोहीताक कच्च करून वदळची सगळी काणी याद जाली आनी ताणें आंग काडलें. ताच्या काळजाची धडधड बरीच वाडपाक लागली. तेन्ना लायट इल्ली झिळमीळपाक लागली. त्या झिळमिळ्या काळखांत आनी उजवाडांत तोच जाणटेलो मर्दी मर्दी दिसून नाच जावपाक लागलो. मोहीतान थंयच्यान पळ काडली. दारा कडेन पावपाक आयलो तेन्ना फाटल्यान नळ नेटान व्हांवपाक सुरू जाले. एका बरोबर सगळे फ्लश घस्स करून सुटले. भितर खूब मनीस एका बरोबर उलयतात असो आवाज येवपाक लागलो. क्युबीकलांचीं दारां झिडपलीं. आनी खिणांत सगळें आसलें तशें शांत जालें.

मोहीत आपल्या इश्टां मर्दी पावलो आनी इल्लो थंडावलो. तो किते जालें हें सांगपाक तोंड उगडचे पयलींच दोगूय इश्ट ताका हाताक धरून गडबडेन थेटरा भितर घेवन गेले.

फिल्म सुरू जालें. कॉन्जूरींग. संवसारांतलें सगल्यांत भयानक फिल्म हें त्याच दिसांनी आयल्लें. हें फिल्म म्हणून कळटा तेन्ना मोहीत आनी सुशांत एकदम भिले. पुटपुटत महेशाक पळोवपाक लागले. पूण महेश हेर लोकां वांगडा फिंल्मांत गुल्ल जाल्लो.

थेटर पुराय भरलो. फिल्म पुराय आंगार कांटो हाडटा असल्या सिनांनी भरलेलें आसलें. भुताचे सीन येतात तेन्ना कोण दोळे धांपले तर कोण कच्च करून आंग काडपाक लागले. चलयो तर मोठ्यान किळच्यो बी मारताल्यो. कांय जाण आपली तोपी वा पदर बी दोळ्यार वोडटाले. महेश आता किते जातलें हाची उमळशीकेन वाट पळयतालो जाल्यार सुशांत हातांच्या पोशांत आपलें तोंड लिपोवन दोळे धांपतालो. भुताटकी दिसली काय बोटांचे

खावींतल्यान हळूच ती गेली काय पळयतालो.

आपणा वांगडा घडलेलो प्रसंग, थेटर मालकाची काणी आनी तातूंत हें फिल्म ह्या सगल्या मदीं मोहीत सापळ्यांत सापडलेलो सोसो कसो जावन बसलेलो. तेची भंयान गुळी जाल्ली. तेका नदर मारता थंय थंय भोंवतणच्यया सगळ्याच खुर्च्यांचेर तो थेटर मालक दिसपाक लागलेलो. कॉन्जुरींगांतले सगळे उत्कट आनी अती भडंग पूण वास्तवादी अशे दिसपी सीन आनी आवाज ताच्या काळजाची धडधड आनीक वाडोवपाक लागले.

मदींच कॉन्जुरींगांतली ती धवें घातलेली केंस सोडलेली चली आंगार झपय घालून जीव काडटली काय दिसताली. स्क्रीन फोडून भायर येता कशी दिसताली. तिचे परते पांय, तोंडांत रगताची धार, दोळ्यांतल्यो काळ्योच मुंडळ्यो आनी कापोडयाची चाल तिका आनीकूय हळशिकावणी आनी भयांकृत करताली. हें अशेंच उरलें जाल्यार ताचो जीव लेगीत भंयान वचूं येतालो.

ताणें आडेकडेक नदर मारली तेन्ना आपणा कुशीनचे खुर्चेर पडून आशिल्लें दोळे उगडे पडलेलें थेटर मालकाचें मडें आपणाकूच पळयता अशेंय ताका दिसपाक लागलें. पुराय थेटरांत गुपाट काळोख आनी फकत ताच्या त्या मड्याचेर लख्ख उजवाड फांकतालो. ताचें मडें सवकास हालपाक लागलें. उठपाची हालचाल करीत आंग मेकळें करपाक लागलें. खिणांत उठून उबें जालें. आनी दुसऱ्या खिणाक तो थेटर मालक मोहिता फुड्यांत काळ जावन उबो रावलो. कपलार आडवो खोल गेल्लो एक फेरीदा सारको सुकलेलो घावो. पिकलेले धवे केंस, चुरकुट्यो पडलेली धवी कात. कपलाचेर खोल पडलेल्यो मिरयो. केन्नाच कापूंक नासलेलें करड कशें खाड. धुल्लान माखलेलो थिगळ्यो पडलेलो सूट. ताचे दोनूय दोळे खोल गेल्ले. दोळ्यां भोंवतणी पुराय काळींच फोणकुलां पडलेलीं. दोळे भितर पुराय धवे जाल्ले. दोळ्यांतल्या मुंडळ्यांनी रगताच्यो शिरो तांबडेंच रगत ओंकतात कशो दिसताल्यो. ते दोळे आपणा भितर कोणाक तरी मारपाची खर इत्सा घेवन भोंवताले. फुडल्या मनशाक थीर नदरेनूच मारपाक ते सक्षम आशिल्ले. ताचे

हात पुराय कुसलेले कशे जाल्ले. बोटां आनी नाखटां सुकलेलीं. वोडलीं जाल्यार हातांत बोचकून तुटोन वोडून येतलीं कशीं दिसतालीं.

इतलो वेळ थेटरांत मदीं काळोख आसलो आनी थेटर मालकाचें तोंड मोहिताक सारके झळकलें ना. पूण दुसऱ्याच खिणाक पड्ड्या वयलो सीन बदल्लो आनी तेच्या तोंडार उजवाड पडलो. त्या लख्ख उजवाडांत ताचें तोंड भयंकर राकट, विद्रूप आनी विभत्स दिसपाक लागलें. मान वडोवन पुतळो कसो उबो आसलेलो तो थेटर मालक. तेची ती मोखलेली नदर मोहिताचे नदरेक भिडली तेन्ना मोहिताचो आवरो हुडलो. तो कुडीन जितो आसलो पूण शुद्धीन थंड पडपाक लागलेलो. ताचो गळोच बसलेले कडेन अंदल्लो. ताका मदींच धाप मारपाक लागली तर मदींच घाम सुटपाक लागलो.

भोंवतणी पळयत जाल्यार पुराय थेटरांत फकत तो थेटर मालकूच सगळ्या खुर्च्यांचेर हात पांय पसरून बसलेलो दिसलो. तेचें मडें पडलेलें आशिल्लें ते खुर्चेर मोहीत बसलेलो आसलो. एकदम थेटराच्या मद्दीं एका खिणांत सगळेच थेटर मालक उडपाक लागले. घुंवपाक लागले. भोंवपाक लागले. वेगान धांवपाक लागले. मोठ्यान आड्डुपाक लागले. रडपाक लागले. किळच्यो मारपाक लागले. स्वताक आनी एका मेकाक किमचुपाक आनी पिंजपाक लागले. आपले केंस पिसुडपाक लागले. एका बराबर आंगार येवन मोहिताचो गळो मुड्डुपाक लागले. ताका वोडपाक लागले. वयर सकयल उबारून आपटुपाक लागले. तेका घांस मारपाक आयले आनी एका खिणांत नाच्च जाले. सगळें थंड किरांव किण्ण शांत जालें. एक मसण शांतताय थंय पातळळी. सगळेच फिल्म पळोवन भियेल्ले तातूंत मोहीत वेगळो आनी कोणाक पळोवन भिला आसतलो म्हणपाक कोणाक मार्ग नासलो.

फिल्म सोंपलें आनी सगळे लोक सवका सवका भायर सरले. आख्खें थेटर रिकामी जालें. सुशांत आनी महेश फातर जाल्ल्या मोहिताक जाग हाडपाचो प्रयत्न करपाक. ताका उठोवपाक लागले. तसो तो तकली जड

जाल्ले अवस्थेंतल्यान शुद्धीर येवपाक लागलो. आनी उठून तांच्या वांगडा वचपाक लागलो. तिगूय जाण दारा कडेन पावले. तेन्ना मोहीत असोच बसोन ते मदले खुर्चे कडेन पळोवपाक लागलो. तेन्ना तेच मदले खुर्चेर दोळे हावड उघडे वडोवन पडलेलें त्या थेटर मालकाचें मडें ताका विकृत नदरेन पळोवपाक लागले. आपलें अस्तित्व दाखयल्लो थेटर मालक ह्या खिणाक आपले खुर्चेर आपल्या मालकी थाटांत बसलेलो आसलो. थंय तो मोठ्यान आक्रोश करीत कर्कश हांसपाक लागलो आनी फुडले रातीच्या घांच्या शोवाच्या प्रेक्षकांची वाट पळोवपाक लागलो.

●●●

10.

एका रुपयाची गजाल

गौतम युनीफोर्म घालून एश्कोलाक वचपाक तयार जातालो तेन्ना घडयाळीचेर सकाळचीं सात जावपाक आयल्लीं. आतां फकत टाय बांदून शूज घालपाचे उरलेले. चवके वयले ल्हान हांरशेंत तोंड पळोवन केसांचेर हात भोंवडावन टाय बांदून ताणें हुमऱ्या भायले आपले शूज घालपाक बाकीन भायर चवकेर व्हेलें. शुजांतले मेय काडून फाफुडले तेन्ना ज्युस्त दोनूय मेयांक आंगठ्या कडेन आनी खोटी कडेन बुराक पडलेले ताणें मेय वयर उबारले तेन्ना सारके दिसले. पूण ते बुराक आवयच्या आंगा वयल्या वायलाक पडलेल्या थिगळां इतले त्रास दिवपी नाशिल्ले. दारांतल्यान बोटवो घेवन येता ते आवयक पळोवन ताणें ते मेय सडसडीत पांयांक चडयले आनी मेयांक पडलेले बुराक आपल्या बुटांनी सगळ्यांचे नदरे आड लिपयले.

"उदक घेतलां मरे?" बोटवो गौतमाले फाटीर चडयत आवय उलयली.

"हय गे आई, घेतलां." बोटवो सारको करीत गौतम भायर सरपाक लागलो.

"राव रे."

"किदें जालें?"

आपलें ल्हान पाकीट उगडीत तिणें तें बोटांचे चिमटेन सांसपिलें. तातूंत कांय बारीक नोटी आनी कांय मोडचे पयशे आशिल्ले. तिणें आयज कोणा कोणाची कितें उदारी बी उरल्या तें मनांतूच कोंत केलें आनी गौतमाच्या हातीर एक रुपया काडून दवरलो. हूं आनी चूं करी नासतना गौतमान तो एक रुपया मोठे उमेदीन घेतलो. आनी बोल्सांत घातलो.

"किदेंय घेवन खा आं रे बाबा. सकाळीं च्याये कडेनूय कांय सारकें खालें ना. दनपार मेरेन भुकेन वळवळटोलो पोर म्हाजो. वयतना वाटेर ट्रकांकडेन मस्तेपणा कोरू नाका. रस्त्या कुशिच्यान चल आनी लयण बी येयल्ली आसल्यार दुसरे भुरगे वयतात म्होणोन तूं लयणी पोंदच्यान वोचो नाका. खाममळा वयल्या पुला वयल्यानूच चल आनी यो. वेळ जाल्यार जाता."

"बरें आई."

"आई येतां आं."

"बरो करून चल."

पयशांचें पाकीट मुठींत घट धरून ती घरांत गेली. आयज आवयन दिल्ली एक रुपयाची पावली वयल्या बोल्सांत घालून गौतम आपणाकडेन एक रुपया न्ही तर एक लाख रुपयाच आसा ह्या झेतान चलतालो. आयज इश्कोलाच्या कँटिनांत वचून सामोसा, पॅटीस काय बटाटवडो खांव हाची मांडणी तो मर्दी मर्दी बोलसाक हात लायत करतालो. जाल्यार फाटल्या कांय दिसांनी कांय मोडचे आठ आणे चार आणे आनी रुपया बी बोटव्यांत आशिल्ले तेंचोय हिशोब तो मनांतल्या मनांत लावन आनीक खोशी जातालो. रुपयाच्या नव्या नाण्याची चमक त्या खिणाक तेच्या तोंडार दिसताली.

इश्कोलाची असेंबली सोंपून पयलो पिरेड सुरू जालो तेन्ना सावन गौतमाक आयज इल्ली वेगळीच उमळशीक आसली. ताका तशें कारणूय आसलें. गौतमाक केन्ना हेर भुरग्यां भशेन बऱ्या बऱ्या खाणांची टिफिना वा मदल्या

वेळार मेळटा तशे खावपाक पयशे केन्नाच मेळ नासले. तिंबल्या मायन्जेर गॅरेर्जींत सादो वॅल्डर म्हणून आशिल्लो बापूय म्हयन्याक घरात चार-पांच हजार म्हयन्याचे सात तारखेक हाडून दितालो. जातूंतले थोडे आपल्या खर्चाक दवरतालो. आनी उरतात तातूंत ताची आवय म्हयन्याचें घरांत लागता तें सामान, नुस्तेकार, दूदकार, हांची उदारी, थोडीं बिलां बी आनी एक दोन कडले हप्ते भरल्या उपरांत जें किदें उरता तें दिसपट्या खर्चाक दवरताली.

घोवाक दिवाळेचो बोनस मेळटा तेन्ना वा कॉफ्र बी फोडटात तेन्ना वर्सान्सून एक दोन फावटीं घरांत कितेंय वस्त वा नवे कपडे बी घेवप जातालें. नाजाल्यार चडशे ना. अशे परिस्थितींत केन्नाय हातार एक दोन रुपया आनी बापायक पगार पडटा त्या दिसाक चडान चड पांच रुपया चुकून गौतमाच्या हातार पडटाले. जाल्यार म्हयनो सोंपत येता तेन्ना आनी तर केन्ना केन्ना वखदाक सुद्दां पयशां खातीर उटावशी काडच्यो पडटाल्यो. कोणूय बरो बी ना जालो जाल्यार मागीर शेजाऱ्या कडल्यान थोडे उश्णे बी घेवन ह्यान पयलीं वखद-पाणी केल्लें आसा.

इतलें आसून गौतम केन्ना केन्ना आवय कांयच दिना तेन्ना आवय सकाळीं चुकून पाकिटांत बी हात घालता जाल्यार आशेन हुमऱ्यार उबो रावन पळयतालो आनी ती हात हालयत घरांत गेली काय तसोच इश्कोलाक वयतालो. पूण केन्ना आपूण जावन तिचे कडेन मागनासलो.

रिसेस जावचे पयलीं आयज गणिताचो पिरेड आसलो. टिचर अदीक आनी गुणाकार हांचें म्हत्व सांगून कांय गणितां सोडयताली. जाल्यार गौतमाच्या मनांत एका रुपयाचें अदीक आनी गुणाकार जावन ताचे शंबर आनी हजार जावपाक लागलेले. ताचीं बोटां बसलेले कडेन वेगळोच हिशोब करपाक लागलेलीं.

रिसेसाची घांट वाजली तेन्ना कँटिना कडेन भुरग्यांची गर्दी पडलेली. णववे धावेचे भुरगे आंगा पिंडान त्या मानान इल्ले व्हडलेच आसले. ते

गर्दींत झुंड्यो घालून सगल्यांक फाटीं वडयताले आनी आपणाक जाय तें कँटिनाच्या गल्ल्या वयल्यान पयलीं घेवन येताले. गौतमा सारके सवे यत्तेंतले भुरगे तर गर्दींत दिश्टी सुद्दां पड नासले. कँटिना कडेन येतना गौतम बोटव्यांतल्यान आनीक देड रुपया घेवन सगळे मेळ्ळून अडेज रुपयां सामोसा खातलो हे उमेदीन आयलो. तें पाद्री इश्कोल जाल्ल्यान थंय चडशीं क्रिस्तांव भुरगीं शिकतालीं. तांचे आवय वा बापूय एकले कोण तरी भायर आसताले देखून तांच्या खुस्तार हीं भुरगीं सदांच खाण्या पिण्या कडेन जाय तशे पयशे खर्च करतना दिसतालीं. हीं सगळीं भुरगीं जाय जाय तें घेवन खातात तें पळोवन गौतमाकय तांका पळोवन सामोसा खावपाची रूच आयली खरी, पूण आयचो एक रुपया मोडल्यार मागीर फाल्यां कितें ह्या प्रस्नान तो गर्दी तल्यान दोन पावलां फाटीं सरलो. 'पोटाक किदेंय घेवन खा आं' आवयचीं हीं उतरां ताका याद आसलीं खरीं पूण तांचे मुखार फाल्यांचो हुस्को ताका चड व्हडलो दिसलो. आवय आपणाक परत परत पयशे खंयच्यान दितली ह्या हुस्क्यान ताणें सद्याची तान भूक तात्पुर्ती मारली. एक सुको आंवडो गिळ्ळून ताणें तो प्रस्नूय गिळ्ळो आनी पयशे आसले तशे बोल्सांत दवरले. धांवपळ करीत खेळटल्या भुरग्यांचे गर्दीतल्यान वाट काडीत तो वचून वर्गांत आपल्या बांकार बसून उदक पिवन वोग्गी बसलो.

सातवो पिरेड सोंपत आयलो तेन्ना इश्कोलांत एके तरेचो कलकल वाडत चललेलो. त्या कलकलांत घरा वचपाची उमळशीक निव्वळ आयकपाक येताली. टिचरींचे धेंकणे जरी मदीं मदीं वर्गांक पडटाले तरी ते धेंकणे त्या कलकलांत विरगळ्ळून वयताले. ह्याच कलकलाक शांत करीक पाद्रीन मायकार घरा वचचे पयलींची एकाची निमाणीं प्रार्थना केली आनी खुरसाची कुरू करून घांट मारली तेन्ना सगळ्या वर्गांतल्यान भुरग्यांचे पेळेच एका नेटान भायर सरपाक लागले. आडावन दवरलेलें उदक बांद मोडून मेळटा ती वाट सोदीत व्हांवत सुटलेल्या उदका भशेन ते देखाव दिसतालो. इश्कोलाचे गेटी कडेन पावता म्हणसर ह्या पेळ्यांनी मोठे गर्देचें स्वरूप घेतलें. पयसुल्यान

फकत बोटवे आनी ल्हान व्हड चले चलयांच्यो चलतना वयर सकयल जावपी तकल्योच दिसताल्यो. हे गर्देंत एक तकली गौतमाचीय आसली जी परत परत आपल्या बोल्साक हात लायत बोल्सांतलो रुपया पळयत सांबाळीत चलतालो. गर्देंतल्यान भायर सरून कुडचड्यार स्टेशना कडेन पावलो तेन्ना वाटेर पांय नाशिल्लो एक भिकारी फुटपाथार बसून हात वारें करून येतल्या वतल्या कडेन कितेंय दी म्हणून मागतालो. ताचो एक दोळोय बिटबिट्टालो आनी ते अदीक विकृत दिसतालो. ताचे मुखार आशिल्ल्या एका डब्यांत थोडेशे चिल्लर पडलेले आसले. ताच्या मुखावयल्यान वतना गौतमान आपल्या बोल्साक अदीक घट धल्लें आनी म्हाजे कडेन बाबा कांय ना अशे भाव तोंडार हाडीत तो फुडें पळयत चलपाक लागलो.

रस्त्यान येवपी ट्रकांक तेंकोन चलप हें तशें इश्कोलाच्या भुरग्यांक संवयेचेंच पूण आपल्या बोल्सांत पयशे आसतात तेन्ना तेन्ना गौतम सदांच एक हात बोल्साचेर धरून इल्लो पयसल्यानूच चलतालो. जीव मागीर पूण पयलीं रुपया सांबाळीत. गौतमा वांगडा तशे सांवड्डेंचे आनी खूब भुरगे शिकताले. कांय जाण येतना वतना दोनूय खेप बशींनी बी यो वच करी. कांय आवय बापाय वांगडा गाडयांनी बी येता वयताले. जाल्यार कांय जाण येतना वता कडार येवपाक नाका म्हणून बशींत बी येताले. आपली आयचीच न्ही तर फाल्यांचीय परिस्थिती बरे तरेन जाणा आशिल्लो गौतम केन्नाच बशीन इश्कोलाक यो वच करी नासलो.

वताच्या कडार घरा पावलो तेन्ना आवय वाटेक टक लावन दारांत उबी आसली. खासावीस जावन आयल्लो गौतम घरांत भितर सरलो आनी शूज काडून बोटवो दवरून कपडे बदलपाक गेलो. आवय दुसरे कुडींत आसा अशी जाग घेवन बोल्सांतलो रुपया काडून आपल्या ट्रंकांत दवरलेल्या मातयेच्या मिलेरांत घातलो. मिलेर इल्लो खिळखिळावन पळयलो. इल्ली जडसाण जोखली. मिलेर गोवटे मेरेन भरलेल्याचो आवाज आयकतकच गौतमाच्या तोंडार चैतन्य फांकलें. सवकास ट्रंक धांपून तो हात पांय धुंवन जेवपाक

आवलो अनी हात आवयच्या झिरझिरून हांगा थंय पिंजलेल्या वायलाच्या वदराक पुसले. वायलाच्यो थिगळयो त्या खिणाक मोव आसून सुद्दां ताच्या हाताक तोंपपाक लागल्यो. कांयच उलय नासतना तो मुकाट्यान जेवन उठलो.

म्हाजो मिलेर भल्लो काय तुवें तुका नवें वायल घेवप. कळ्ळें मगो?

एका जोडकार पुताचो आव हाडून तो आवयक धिरान आदेश सोडीत हात धुंवपाक गेलो. आपलो पूत येन्नाधरूच कितलो जवाबदार जाला ही भावना तोंडार हाडीत मंगलबाय आपल्या पुताक फाटल्यानसून अभिमानान पळयत रावली.

●●●

11.

वेग

आयज आपल्या चेड्याचो पयलोच जल्म दीस म्हणून चेतन खूब उमेदीर आसलो. आपल्या नातवाचो पयलोच जल्मदीस म्हणून चेतनाचे आवय बापूय बी परत एक फावट ल्हान भुरगींच कशीं जाल्लीं. बोमाडे, बनेरां बी हाडून तीं लावपांत तीं गुल्ल जाल्लीं. चेतन आनी संजनागेर लग्ना उपरांत बऱ्याच वर्सांनी भुरगें जाल्लें. खूब देव धर्म आनी दोतोर बी करून हो चेडो तांकां जाल्लो. सगळीं मेळोन कल्पेशाच्या जल्मा दिसाचे तयारेची मांडणी करपाक लागलेलीं. घरांत मोठ्या सुवाळ्याचें वातावरण तयार जाल्लें.

कुडचडें ते केपें मेरेनचो रस्तो तसो पयलीं पसून अशिरूच आसलो. ह्या अशीर रस्त्यार सगळे तरेचो ट्रान्सपोर्ट चलतालो. कावरें मायनी वयले ट्रक म्हाल घेवन तिळामळ रस्त्या वयल्यान कुडचड्यार साकून सांवर्डें येवन सेजा गोवाच्या वा कापशेंच्या धक्यार बार्जींनी तो म्हाल देंवयताले. केन्ना बार्ज नासताली तेन्ना हो म्हाल एकार एक दाळून प्लॉटार दवरताले. शॉर्ट ट्रिपीचे ट्रक मागीर तो म्हाल बार्जींनी भरताले.

केपें ते कुडचडेंच्या ह्या रस्त्या वयल्यान ट्रकां भायर बशी, सामान्य

लोकांच्यो गाडयोय भोंवताल्यो. चलून यो वच करपी बी खूब लोक आसताले. ह्या सगल्यां मदीं जर नियंत्रणा भायर कोण गेल्ले जाल्यार ते ट्रक ड्रायवर आसले. रस्तो रूंद आसू वा अशीर तांची गती आनी वेग केन्नाच साठ वा सत्तर किलो मिटरा सकयल येनासलो. फुडले ट्रिपिचो हुस्को आनी एकामेका मदीं निर्माण जाल्ली रेस हें ताचें कारण आसलें. दुसरें कारण ह्या रस्त्यार एक वा दोन मायनींचो ट्रान्सपोर्ट चलतालो. आनी हाका लागून तांकां जाय तशी गाडी धांवडावपाक रस्तो मेकळो मेळटालो. ट्रक खेळणें कशें चलोवपाचीं तांकां संवय जाल्ली. केन्ना मोठ्यान पदां लावप तर केन्ना टायट जावन ट्रक चलोवप हें तांचें सदचेंच जाल्लें. रस्त्याची रुंदाय दोन ट्रकां मदल्या इल्ल्याशा अंतरांतल्यान दिसताली. दोन ट्रकां मदल्यान एक मोटार सायकल सवका सगळे वटेन लक्ष दवरून काडली जाल्यार अशी तशी सुट्टाली.

तरी कुडचड्या वयल्यान केप्यां येतना वा केपेंच्यान कुडचड्यार वतना ट्रकां फाटल्यान मुकाट्यान वचपा बगर दुसरो पर्याय कोणाक नासतालो. असल्यानी ओवरटेक करपाचें धाडस तसो कोण सहज करी नासलो. दोन ट्रकां मदीं इल्लें सुरक्षीत अंतर मेळ्ळेंच जाल्यार कोणूय वयतालो. नाजाल्यार आपलो जीव तसो कोण घोळाक घाली नासलो. ट्रकांचो अतिवेगाचो तरतर रस्त्यार दुसऱ्यो गाडयो नासतात तेन्ना तर इल्लो अतीच जातालो. वाटे वयल्यान येवपी वचपी मनीस आनी जनावरां तांचे खातीर मागीर एकाच समान जातालीं. गायो सुणीं ट्रकांक आपटून मरपय सदचें जाल्लें. दर एकलो आपलो जीव सांबाळून रस्त्यार चलता भोंवतालो.

ह्या ड्रायवरां मदीं फकत गोंयचेच भुरगे नासताले जाल्यार युपी, झारखंड, आसाम, आंध्रा आनी हेर राज्यांतलेय भुरगे ड्रायवर म्हणून हांगा आसताले.

ट्रकांचें एक खाशेलपण आसलें. ट्रकांचें बंपर बरेच घट आसताले. चेसी बी खूब घट आसताली. ट्रकाचे उंचायेक लागून तांच्या सकयल वा फाटल्यान आशिल्ली गाडी खास करून दुचाकी बी तांकां ओवरटेक करतना दिसच नासली. वेगान आसतना तर फाटल्यान फुडल्यान कोण आसा हेंय तांकां कळनासलें. ट्रक कोणाकूय जर लागलोच जाल्यार ट्रकाक व्हडलेंशें ताचें

सुयेर-सुतक लाग नासलें. आपल्या बरोबरच्या ट्रकाक ट्रक लागलो जाल्यार त्या ट्रकाक आनी ड्रायवराक मार बसतालो. केन्ना केन्ना जिवूय वयतालो. कांय ड्रायवर तर केस्तांव आंगार येता कशें दिसतालें तेन्ना घडणुकेचे सुवाते वयल्यान पळ काडटाले. सापडलो जाल्यार लोकय तांकां बरोच चाप दिताले.

तशें कुडचडें केपेंच्या लोकांक हें कितें नवें नासलें. ट्रकां बरोबर गाडी चलयतना जीव कसो सांबाळप हें तंत्र हांगाचे लोक जाणा आसले. तांका ताची संवय जाल्ली आनी थोडो सरावय जाल्लो. केन्नाय जर ओवरटेक केलीच जाल्यार ती खंय करप आनी खंय करप ना हाचो सगल्यांचो आपलो एक अंदाज आसलो. तसो तो अंदाज कोणाचो सहज चूक नासलो. पूण जर चुकलोच जाल्यार जीव सोंपल्या बगर उर नासलो.

ट्रका वांगडा अपघात जावप आनी तातूंत हाल हाल जावन मरण येवप हें ह्या वाठारांत तशें नवें न्हय.

जल्मा दिसाची सगळी तयारी जाल्ली. मुद्दाम दीस कित्याक खाडा घाल अशें चिंतून ह्या दिसा खातीर चेतनान वेगळी सुटी घेतली ना. जल्म दीस घराच मनोवपार्ची आशिल्ल्यान सगळी तयारी घराच कडेन केल्ली. चेतन रावतालो केंप्यां पूण कुडचड्यार एका इश्कोलांत तो शिकयतालो. अंतर तशें कमी पूण कार व्हेल्यार ट्रकां मदल्यान काडपाक नाका जाता म्हणून ताका मोटार सायकलूच व्हरपाची हालीं संवंय जाल्ली.

"चेतन तूं आयज मातसो जाता जाल्यार बेगीन भायर सर. प्रिंसिपल तुका ना म्हणपाना. जाणा हांव. म्हाका बाजारांत इल्लें काम आसा."

"येतलो मरे बेगीन?"

"बरें हांव बारांक भायर सरतां तर. खूश?"

"हय. खूब."

संजना आनीक इल्लें खोशी जालें.

सकाळच्यान इश्कोलांत आसलेले कडेन बेगीन घरा येवपाची ताकतीक

चेतनाक लागलेली. परत परत तो घडयाळीक पळयतालो. कल्पनेंतूच तो आयच्या सांजेच्या सुवाळ्याचें चित्र आपल्या मनांत तयार करतालो. केक कापतनाची आपल्या चेड्याची निरागस मुर्त आपल्या मनांत तो परती परती चित्रायतालो.

बारा जायत आयलीं तशीं चेतनान घरा वचपाची तयारी केली. परवानगी घेवन ताणें आपलें बॅग फाटीक लायलें. हॅल्मॅट घातलें. आनी बायक स्टार्ट माल्ली.

चेतन तसो गाडी सामकीच सवका चलोवपी चालकां मदलो न्ही. लग्ना पयलीं तो गाडी सादारण सत्तर, अंयशीं वा केन्ना केन्ना णव्वद किलो मिटर वेगान बी चलयतालो. पूण लग्ना उपरांत ताणें संजना आपणाचेर बेजारता म्हणून गाडयेच्या वेगाचेर नियंत्रण हाडलेलें. तरी आसतना आयज ताची बरीच उमेद आनी ताकतीक एक जाल्ली.

इश्कोलांतल्यान भायर सरोन चेतन कुडचड्यार चार रस्त्यार पावल्लो तेन्ना पुराय रस्त्यार ट्रकांचो ट्रान्सपोर्ट खूब नेटान चालू आसलो. धुल्ल, ट्रकांचो धुंवर, आनी गच्च एकामेकाक खेटून वचपी ट्रक पळयत चेतन फुडें वचपाक लागलो. ट्रकांच्या वेगाचो थाव घेवपाक लागलो. रिकामी ट्रक केपेंचे दिशेन म्हाल हाडपाक वयताले जाल्यार भरलेले ट्रक कुडचड्या वटेन येताले.

इतल्या ट्रकां मदल्यान घरा बेगीन कसो पावतलों हाची मांडणी करीत एका ट्रकाचो माग घेयत चेतन आपले गतीर वयतालो. कुडचडेंचें सर्कल तेन्ना सामकें ल्हान आसलें. थंय गाडयांची गची इल्ली चडूच जाताली. ह्या सर्कला वयल्यान बाजारांत वचपी गाडयो आपलो वेगळो रस्तो धरताल्यो. सांवर्डे वटेन येताले ते म्हालाचे ट्रक आपलो वेगळो रस्तो धरताले. हें सर्कल काडून चेतन आतां हेर ट्रकांचे आनी गाडयांचे हारींत पावल्लो. ताणें केपेंचो रस्तो धरलेलो.

शिगम्याचे दीस आसले. वताचो रखरख आनी बेकायदेशीर मीन येरादारेचो वखवख त्या दिसांनी गोंयांत खूबूच वाडलेलो. रस्त्यार खूब कडेन कुपांचें रूप घेवन धुल्ल हुबतालो. रस्त्या कुशीक पडलेलें मीन वतांत चांदी कशें

लखलखतालें. ट्रान्सपोर्ट करताले ते सगळे ट्रक तर मर्यादे भायर म्हाल भरून व्हरताले. कांय जाण तर म्हाल सारको धांपी सुद्दां नासले. वाट भर वोतीत व्हरताले. गाडी वेगान वयता तेन्ना तर हो म्हाल धुल्ल जावन लोकांच्या दोळयांनी वयतालो. ताका लागून ट्रकां

फाटल्यान रावप आनीकय धोक्याचें जातालें. ब्रेक मारलो म्हणून लोड आशिल्लो ट्रक सहज उबो जाय नासलो. जाल्यार रिकामी ट्रक उरलेलो पावडर झडयत वयतालो.

त्या दिसाक पुराय येरादारेचो वेग सत्तर-अंयशीं किलोमिटराच्या वेगान आसा असो दिसतालो. माडांत पावत आयलो तेन्ना फुडल्या सरळ रस्त्यार नदर मारपाक चेतन आपल्या फुडल्या ट्रकाच्या फाटल्या उजव्या कोनशाक भायर आयलो. फुडें पळयलें तेन्ना एके हारीन अंत पार नाशिल्ले ट्रक ताका दिसले. केशरी रंगाचे ते कांय रिकामी तर कांय भरलेले आनी धुल्लान माखलेले ट्रक तो वताचो दोळे बारीक करून पळयतालो. पूण त्या खिणाक ताणें ट्रकां मदल्यान वचपाचो मोह टाळ्ळो. कारण मातसो जरी भायर आयलो तरी फुडलो ट्रक ताच्या आंगार आयल्या सारको जातालो. ताणें चेतनाक हॉर्न माल्लो आनी चेतन आसलो तसो भितर सरलो. परत तो आसलो त्याच ट्रका फाटल्यान आयलो. कुशीचे लेनींत भरलेले ट्रक एके हारीन येयत आसले.

आपल्या फुडल्या आनी फाटल्या ट्रका प्रमाणें तोवूय आपलें अंतर दवरून सत्तर ते अंयशीं किलोमिटर वेगांत आशिल्लो. हांगा जीव वांटायतलो जाल्यार ट्रकांच्या वेगा कडेन खेळ करून उपकार नासलें. तांचेच गतीन वचचें पडटालें. केन्ना केन्ना फुडल्या ट्रकाक आपल्या फाटल्यान कोण तरी आसा म्हणपाचेंय खबर आसतालें काय ना म्हणपाकय कांयच मार्ग नासतालो. भरलेल्या ट्रकाचे तुळेन रिकामी ट्रकाचो वेग इल्लो चडूच आसतालो.

चेतन फुडें टांकयेर पावलो तेन्ना थंय ट्रान्सपोर्ट इल्लो सदळ जाल्लो. पूण मर्दी मर्दी हेर गाडयो संद मेळटा तेन्ना दोनूय वटांतल्यान ओवरटेक करपाची कसरत करतना दिसताल्यो. तांकांच धरून चेतनूय ओवरटेक करून मातसो

मुखार गेलो. पूण परत आसलो तसो फुडल्या ट्रकाच्या फाटल्यान आडकलो. परत पयलीं आसलो तेच गतीर आयलो.

घरा कडेन चेतन पावपाचो साडे बारांचो अदमास धरून संजना बाजारांत वचपाक न्हेंसून रावल्लें. आजो आजी नातवाक खेळयतालीं. संजना आपल्या सामानाची वळेरी बरयतालें.

"आयज कोणालो पप्पा बेगीन घरा येतलो. मागीर आमी बाबूचो बड्डे करतलीं."

अशें लुडबे भाशेंत म्हणत आजो आनी आजी आपल्या नातवा कडेन लाडान खबरी करतालीं.

रस्तो भर ट्रकांची घरघर आसली. एका फाटल्यान येवपी ट्रक मरणाचे दूत कशे वयताले. खंयच्या ट्रकाच्या टायरा पोंदाक कोणाचें मरण येतलें हाची कल्पना सुद्दां कोण करपाक शक नासलो.

तिळामळ पावपाक आयल्लो तेन्ना फुडें एक वळण आसा हें चेतनाक खबर आसलें. त्या वळणा लागीं पावत आयल्लो तेन्ना तो उजवे वटेनच्यान मातसो भायर आयलो. फुडले वटेन कोण येता तें पळोवपाक लागलो. वळणा कडेन कोणूच ना हें स्पश्ट जालें तेन्ना ताणें ओवरटेक करपाक गाडी भायर घेतली.

फुडें वळणाक धरूनच एक मोडण आसलें. तो आतां ह्या मोडणाच्या पोंतार पावल्लो. कोणूच ना अशें चिंतून तो इल्लो भायरूच रावलो आनी गाडयेचो वेग वाडयलो. आतां तो सुमार सत्तर ते अंयशीं किलोमिटराच्या वेगान आसलो. आपल्या कुशींत आशिल्ल्या ट्रकाच्या फुडल्या आनी फाटल्या टायरांच्या समांतर अंतरार तो आसलो. त्या ट्रकाचे गरमेचो धग ताका त्या खिणाक मारतालो. तो मोडणार पावलो आनी फुडल्यान एका बरोबर अंयशीं णव्वदाच्या वेगान ट्रकांचें एक लांबचें लांब रोमटूच ताच्या आंगार आयलें तें ताणें पळयलें. ताका आंगार येतात ते ट्रक दिसले. तेन्ना कितें करचें हेंय त्या खिणाक ताका येवजना जालें. तो थंयच आबूज जालो. भंयान ब्रेक मारून तो आनीकय थरथरलो. पूण ब्रेकाच्या धपक्यार गाडी उबी जाली ना.

उरफाटें आनीक नियंत्रणा भायर गेली. सगळेंच ताचे कल्पने भायलें आसलें. मोठो आकांताचो प्रसंग आसलो. दोन ट्रकां मदीं एक खांच तितली ताका दिसताली आनी ते खांचींत आपले वटेन वेगान आपणाक गिळपाक येतालें ते आपलें मरण दिसतालें.

आपलो जीव वाटोवपाक ताणें गाडी इल्ली भितर घेतली. चड भितर आयल्यार कुशिकच्या ट्रकाक आपटुपाचो ताका भंय आसलो. पूण ते मेरेन फुडलो ट्रक ताचे मुखार काळ जावन ताका धपको दिवपाक तेंकलो. फुडल्या भरून आयल्ल्या ट्रकाच्या बंपराचो ताका नेटान धपको बसलो. ताचो गाडये वयलो ताबो गेलो. त्या धपक्यांत तो त्याच ट्रकाचेर शेवटलो आनी बॉनेटाक आपटलो. धपक्यान उसळोन कुशींत चलतल्या आतांच ओवरटेक केल्ल्या ट्रकाच्या दोनी टायरां मदले सुवातेंत येवन तो नेटान पडलो. ताची गाडी त्या धपको दिल्ल्या ट्रकाच्या फुडल्या टायरां पोंदाक आयली आनी झरकटत फुडें गेलीं. तसो तो ट्रक मुखार वचून थांबलो. गाडी पुराय धोडोवन काबार जाल्ली. सगल्या ट्रकांच्या ब्रेकांचो एका बरोबर मोठो आवाज जालो.

दोनूय टायरांच्या मदीं आयल्ल्या चेतनाचे फाटीक आशिल्लें बॅग तुटून पडलें. ताचें हॅल्मॅट जमनीक नेटान आपटून फुटलें आनी कुडके जावन शेंवटलें. तकलेक मोठी कोंक जाली आनी कातरो पडलो. गुलाबी-तांबड्या रंगाचें तकलेंतलें मेंदवाचें बुळबुळीत मास चोतो कशें भळभळीत भायर पडलें. कतलेक जाल्ल्या बुराकांतल्यान फळफळीत रगत व्हांवपाक लागलें. रगताची धार खंय वाट मेळटा ते वटेन व्हांवत सुटली. थंय रगताचो तांबडो शिताडो घातलेल्या सारको जालो. रस्त्या वयल्या धुल्लांत रगत खिणांत भरसलें आनी ताचो रंग मातये वांगडा एक जालो.

तेच गतीर चेतन ट्रकाच्या फाटल्या टायराच्या चपक्यांत सांपडलो. ताचें हड्डें आनी तकली एके वटेन उरली जाल्यार कमरा सकयल्लो भाग टायराचे दुसरे वटेन उरलो. ट्रक ताचे वयल्यान पुराय चडना जालो. पूण ट्रकान ताका आपल्या वेगान सुमार णव-धा मिटर तसोच तापलेल्या रस्त्यार घश्टून वोडीत व्हेलो. ताचे कपडे पुराय पिंजले. हात पांय सोल्ले. टायरां पोंदाक आयल्लो

ताचे कुडिचो मदलो भाग फातरीर वाटलेली मिरसांग कसो जायन टायर आनी रस्तो हांचे मदीं झरून गेलो. ताच्या पोटांतल्यो आंतकड्यो ट्रकाच्या पेजान चेपून भायर येवन लोमकळपाक लागल्यो. ट्रकाच्या उजवे वटेनच्या फाटल्या दोन टायरां मदीं तो आडकल्लो. ताचे कुडीचीं लागीं लागीं दोन अर्दीं जाल्ल्यान जमा जाल्लीं. एका अर्दांत पोटा वयलो भाग आनी एका अर्दांत जांगडां सकयल्लो भाग. मदलो भाग पुराय चेंचून गेल्लो. खिणांत नाच जाल्लो.

आख्ख्या रस्त्यार एका खिणांत तांबड्या गूंज रगताचो आनी हाडां-मासाचो चिकचिकीत लेपोड काडलेले भशेन जालो. टायर घश्टत वयतात थंय मेरेन ताचें रगत आनी सोललेली कूड घांसत गेल्ली. तातूंत रगत आनी मांस रस्त्याक सामकें घांस घेवन दसलेलें कशें दिसतालें. ट्रक आपली गती ब्रेक मारून थांबयता मेरेन चेतनाचो त्या ट्रकान हाडांचो खुर्दो करून सोडलेलो. ताचीं कांय हाडांय मोडून भायर सरलेलीं. ट्रकान ताचे कुडीच्यो तिसत्यो वादऱ्यो करून सोडलेल्यो. ट्रकाच्या वजना सरशीं चेतन आनीक ताच्या खाला चेंपलेलो. आपणा फुडले ट्रक अचानक थांबले. कितें तरी जालां अशें समजून सगळे ट्रक एके गतीन थंय थांबपाक लागले.

ट्रकाक आपटल्लो तेन्ना मारलेली एक आड्डी सोडली जाल्यार जमनीक तकली मारता सावन चेतनाचो आवाज आनी काळजाचो ठेको सासणाचो थांबलेलो. टायरा मदीं शिरकल्लें ताचें शरीर वयले वयर कडकडटालें आनी थंड जायत जीव सोडटालें.

घराकडेन जल्मादिसाचे तयारेंत गुल्ल जाल्ले चेतनाचे आवय-बापूय आनी घरकान्न तांबड्या धव्या रंगाचीं बनेरां आनी बोमाडे लावन चेतन येवपाची मोठे उमेदीन वाट पळयत आसलीं.

●●●



गोरक लता शिरसाट, सांवर्डे–गोंय

- फाटल्या तेरा वर्सांसावन कोंकणीच्या मळार महाविद्यालय पांवड्यार वावुरल्यात आनी सद्द्याक गोंय विद्यापीठांत सहाय्यक प्राध्यापक म्हणून वावुरतात.
- कोंकणी कथा, कविता, लेख सावार पुस्तक प्रकाशनां नेमाळीं आनी म्हयन्याळ्यांनी प्रकाशीत जाल्यात.
- शिक्षणाच्या मळाचेर राज्य आनी राष्ट्रीय पांवड्यार परिसंवादांनी पेपर सादर केल्यात.
- चाळीसां वयर पथनाट्यां बरोवन दिग्दर्शीत केल्यांत आनी राज्य पांवड्यार इनामां जोडल्यांत.
- नाटक, फोटोग्राफी, गीत गायन आनी फिल्म मेकींग ह्या विशयांनी प्रशिक्षीत आसात आनी ते पासत इनामां जोडल्यात.
- 2011 वर्साक मार्शे काणकोण हांगां जाल्ल्या युवा साहित्य संमेलनाक 'ब्लॉक' हे कथेक दुसरें इनाम फावो जालां.
- 2012 वर्साच्या पी.ई.एस महाविद्यालय फोंडें हांगा जाल्ल्या युवा साहित्य संमेलनाक 'फातरी पोंदची आंकरी' पटकथेक पयलें इनाम फावो जालां.
- 2012 वर्साक केंद्रीय साहित्य अकादेमीचे वतीन कोलकाता हांगा जाल्या All India Young writers 'meet' हांगा कविता सादर केल्यात.
- 2016 वर्साक केंद्रीय साहित्य अकादेमीचे वतीन अगरतला हांगा जाल्ल्या All India young writers 'Festival' हांगा कविता सादर केल्यात.
- 2017 वर्साक केंद्रीय साहित्य अकादेमीचें Travel grant हे येवजणेचो लाव घेतला.
- ज्ञानपीठ संस्थेच्या नया ज्ञानोदय अंकांत 'काळोख' हे कोंकणी कवितेचो हिंदी अणकार प्रकाशीत जाला.
- कोंकणींतल्यान पी.एच.डी. पदवे खातीर सोदचावर करतात.

गोरक शिरसाट हांच्यो कथा आशय, विशय आनी अभुव्यक्तीचे नदरेन सक्षम आसात. गोंयच्या समाजांतले जायते धगधगते विशय तांचे कथेंत सहज येतात तेन्ना तांचे मदली खर सामाजीक जाणविकाय लख्ख करून मतींत भरता. गोरक आपले सुक्ष्म निरिक्षण शक्तीच्या म्हालवजार आनी कल्पक लेखन शैलींतल्यान कथा बरयता.

थळाव्या मातयेंतलें कथाबीज, जिवीं जिवीं तट्टटीत पात्रचित्रणां, सभावानुरूप संवाद रचना, संघर्शाचीं भावनीक वा मानसीक वलयां, वातावरण निर्मितीची सुचकता आनी काळजांत खोल संवेदनशील खड्डो घालून चिंतूक लावपी वास्तववादी शेवट हीं ह्या कथा झेल्याचीं बलस्थानां आसात.

–डॉ. हनुमंत चोपडेकार



गोवा कोंकणी अकादेमी

243, पाटो कॉलनी, पणजी-गोंय 403001

फोन नं. 0832-2437920/2437385/87 टेलीफॅक्स – 0832-2437920

E-mail : konkaniakademi@gmail.com